
कथापाठ (राश्ट्रीय वेबिनारांचीं प्रबंधां)

# कथाविहान



वल्ली क्वाड्र्स, अजेकार

आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# कथाविहान

**कोंकणिंतल्या समकाळीन कथाकारांच्या मोटव्या कथेंचेर तुलनात्मक अभ्यास**

## (कथापाठ शिंकळ III चेर सादर जाल्लीं अध्ययन लेखनां)

**संपादकः वल्ली क्वाड्रस, अजेकार**

**Kathavihan** – Comparative *study articles (of contemporary Konkani writers) presented on Kathapatt Webinar Series III by various writers, transliterated and edited by Valley Quadros for Ashawadi Prakashan.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition : 2022 (Digital)

Cover : Ashawadi

Layout : Enigma Creations, Goa

Pages : 82

For communication email: ashawadi@gmail.com

WhatsApp at 7021967880

# मांडावळ

१. कथापाठ शिंकळ III.
कोंकणी कथेंचो एक नवो काळ: कथाविहान ५

२. वेबिनार १. प्रो|स्मिता शेणय
गोकूळदास प्रभू आनी डो|एडवर्ड नज्रेताच्यो कथा ९

३. वेबिनार २. बाय कन्सेपटा फेर्नांडीस आळव
हेमा नायक आनी माया खरंगटेच्यो कथा १७

४. वेबिनार ३. प्रो|कृपाली नायक
एन. शिवदास आनी पुंडलीक नायकाच्यो कथा २६

५. वेबिनार ४. प्रो|वल्ली क्वाड्रस
एडवीन जे.एफ. डी'सोज आनी वल्ली वग्गच्यो कथा ३७

६. वेबिनार ५. प्रो|राजश्री सैल
दामोदर मावजो आनी मीना काकोडकारच्यो कथा ५३

७. वेबिनार ६. प्रो|योगिता वेर्णेकर
वल्ली क्वाड्रस आनी एच्चेमाच्यो कथा
५९

८. वेबिनार ७. मा|जेसन पिंटो
डो|जयंती नायक आनी वसंत सावंताच्यो कथा ६७

९. कोंकणी काणियांनी सांकोव रचला
मा|रोयसन फेर्नांडीस ७५

# कोंकणी कथेंचो एक नवो काळः कथाविहान

कोंकणी साहित्याचो इतिहास पळेल्यार कोंकणी मटव्या कथेंक चडुणें शेंभोर वरसांचो इतिहास आसा. पूण ह्या शेंभोर वरसांनी मटव्या कथेंचेर जावंक जाय जाल्लें काम जालांकाय? हें प्रश्न उभें केलें तर हाचें उत्तर जावन थोडीं प्रश्नां अपशिंच मनांत उदेतेलीं; कोणें करिजय आसलें? कित्याक करुंक ना? पूण हाच्याकी पयलें उदेता प्रश्न 'कसलें तें काम?'.

कोंकणी साहित्य उदेवंक जाय तर कोंकणी नेमाळीं गर्जेचीं. तितलेंच न्हय, नेमाळीं चलयतेल्यांची साहित्यीक तांक (छिचिठिचीbiटiणies) कितली? एक नेमाळें जर एका समाजेचो दोळो जायना, वा समाजेचेर स्पंदन करुंक सकाना तेदनां तें नेमाळें समाजेक प्रतिनिधित्व करुंक सकाना. हांगासर दोन शेवोट आसात;

पयलोः समाजेक वाट दाकंवची मात्र न्हय वाट चुक्तेल्या समाजेक तिद्वून सार्की वाट दाकंवचो.
दुसरोः समाजेन वेच्या वाटेर वचून समाजेक जाय जाल्लेंच दिंवचें.

पयल्या शेवोटांत खूप मिनत करुंक आसा, समाजेक उज्वाड दिंवच्याधीं अपणाक पयलें उज्वाडाची ओळोक आसची गरज आसा. हांगासर दुडू न्हय, नयतीक मौल्यां प्रमूक.

दूसऱ्या शेवोटांत मिनत कर्चीं गर्ज ना, दुडू कितें सांग्ता तेंच एक नेमाळें करून वेता. हांगासर समाजीक दिश्टावो जांव, कसलीच नीत (eणhiछीs) गर्जेची न्हय. फकत दुडू कर्चो इरादो.

पानां सुकल्यार पालेवंक साध्य आसा पून पाळां सुक्तीत तर तें मारेकार. कोंकणीक सयत हीच परिगत उदेल्या. एका वाटेर लिपी-बोली-राज्य-प्रांत्य म्हळ्ळे पागोर तर अन्येका वाटेन समाजीक दिश्टावो नातलेलीं नेमाळीं, तीसऱ्या वाटेर आपल्या आवयकच प्रायवंताच्या आश्रमांत घालुंक पाटीं सरानासच्या बाळांक आवय भासेचेर अभिमान कसो उदेत? ह्या सर्व संग्तें मधें पयलें एका कथाकाराचेर खोलायेन दिश्ट घाली तर; जशें आमी उलयतांव पूण आयकनांव, तशेंच आमी बरयतांव पूण वाचिनांव.

ह्या सर्व संग्तेंचो उल्लेक करतासतां कोंकणी कथेंक वाचून, अध्ययन करून एका उत्तीम कोंकणी कथेक बोली-लिपी-राज्याचे दोरे उत्रुंक कठीण परिश्रम करुंक पडता. दुडू-नांव प्रधान वर्तुलाक हें कांय पिशेंपण म्हण भगुंक पुरो. देकून 'कोंकणी भास च्यार राज्यांनी पांच लिपियेंनी बरयतात' म्हळ्ळे नारे वर्साक एक पावटीं तरयी आयकुंक

मेळतात पूण कितलेश्यांक हेर लिपिच्या कोंकणिंत सयत साहित्य आसा आनी तें वाचुंक मन आसा म्हळ्ळें अन्येक अधुरें प्रश्न.

कितेंय आसूं; २००४ इस्वेंत जेदनां हांव कुवेयटांत काम करून आसलेल्यावेळार दायज.कोमचें शंपादकपण चलयतासताना 'कथापाठ' म्हळ्ळें मटव्या कथेंचेर एक वर्चुवल अध्ययन सुरू केल्लें. कांय सात-आट मयन्याळीं अध्ययनां चलयलीं. पूण परत उदेल्लें प्रश्न तेंच; 'हेरांचें वाचुंक कोणयी कथाकार तयार नांत'.

२०१६ इस्वेंत परत कथापाठ मुकारून वरताना हांव मुंबंयत आसलों आनी पयणारी.कोमचें शंपादकपण चलवन आसलों देकून कन्नड लिपी मात्र न्हय, नागरी आनी रोमी लिपियेंत सयत ह्या अध्ययन पयणारिचेर पर्गट केलें. त्ये उपरांत गोंयच्या सभार कोलेजिंनी, केंद्र साहित्य अकाडेमी तशेंच गोंयच्या कोंकणी अकाडेमीन आयोजीत केल्ल्या राश्ट्रीय सम्मेळनांनी कन्नड लिपियेच्या कोंकणी साहित्याचेर उलवंक आस्पाव मेळ्ळो देकून गोंय विध्यापीठ, कार्मेल कोलेज, फा|आग्नेल कोलेज पिलार, सी.ई.एस.कोलेज, श्री मल्लिकार्जून कोलेज अशेंच कोलेजिंनी कोंकणी शिकच्या विध्यार्थिंक मेळचो सुयोग लाभलो. मंगळुरांत सयत मंगळूर विध्यापीठ, मिलाग्रीस कोलेजिंनी क्लास घेंवचो आस्पाव मेळ्ळो. पूण २०२० इस्वेंत संसाराचेर महा-मारी पिडा 'कोवीड' एका रितीन आमकां आमच्याच घरांनी कयदी करुंक पावलें. तेदनां आमी वर्चुवल रितीन कथापाठ शिंकळेक नवें रूप दिंवची अलोचन केली. हाचो प्रतिफळ जावन गोंय, कर्नाटक, केरळ आनी महाराश्ट्र मात्र न्हय, देस-विदेशांतल्या हेर कथाकारांक सयत ह्या कथापाठ वेबिनारांत वांटो घेवंक तशेंच अपले विचार उत्रावंक एक वेदी तयार जाली.

यदाहां जीवमी अहमाशांसे (जीव आसतासर भरवसतां) एका अर्थान मनशा जिवितांत एकल्याक कसटां-संकश्टांक फूड करून सदांच मुकलें मेट काडुंक प्रेरण दिता. मनश्यान ह्या संसारांत आसत-बदीक, दन-दिर्वें यथेश्ट मापान पुंजायल्यारी, 'भरवसो' म्हळ्ळो नातल्यार त्या आसत-बदिकाक जांव धन-दिर्व्याक जांव कितेंच मोल ना. आनी पाटल्या तीन वरसांनी कथापाठाच्यो तीन शिंकळ्यो आयोजन करून एक नवी सुरवात केली म्हणुंक अभिमान पावतांव.

कथापाठ पयल्या शिंकळेंत सात वेबिनारांनी ग्रामीण परिसराच्यो कोंकणी कथा, असतुरिवादी कोंकणी कथा, घाटाच्यो कोंकणी कथा, मुंबयच्यो कोंकणी कथा, विदेशाच्यो कोंकणी कथा... अशें वेग-वेगळ्या प्रकाराच्या कथेंचेर आमी खोलायेन अध्ययन करुंक सकल्यांव.

कथापाठ दूसऱ्या शिंकळेंत पांच वेबिनारांनी विलफी रेबिंबसान बरयिल्ल्या तीन कथेंचेर खोलायेचें अध्ययन करून ह्या तीन कथेंक तीन लिपिंनी डिजिटल रुपार 'ई-पुसतक' पर्गट केलो.

कथापाठ तीसऱ्या शिंकळेंत सात वेबिनारांनी गोंय, कर्नाटक, केरळ आनी महाराश्ट्र अशें समकाळीन कथाकारांच्या कथेंचेर तुलनात्मक अध्ययन चल्लें आनी ह्या सात वेबिनारांनी सादर जाल्लीं प्रबंधांच हें पुसतक 'कथाविहान'. विहान म्हळ्यार नवी सुरवात म्हळ्ळो अर्थ संसकृतांत जाता.

कोंकणी कथेंचेर खूप काप जावंक आसा, आनी ह्या दिशेन आटोव कर्पी तशेंच पाटिंबो दितल्यांची गर्ज आसा. राश्ट्रीय पांवडार कोंकणी कथेंचेर काम करुंक मन/आसक्त आसच्या कोणेंय आमकां संपर्क करुंक उलो दितां.

मायामोगान

**वल्ली क्वाड्रस**
११ सप्तेंबर २०२२
संपादक, पयणारी.कोम
प्रकाशक, आशावादी प्रकाशन

# धिन्वास

**कथापाठ शिंकळ ॥। क पार्टिंबो दिलेल्या
मानेस्त मैकल डि'सौज आनी कुटम, दुभाय हांकां मायामोगाचे
धिन्वास**

बाब माधव बोर्कर, गोंय
डो|जयंती नायक, गोंय
बाब हिलरी डी'सिल्वा, मिरारोड
मा|जेसन पिंटो, उद्यावर
मा|मैकल सांतुमायोर, मंगळूर
बाय क्लीनी वेगस, गोंय
बाय कन्सेप्टा फेर्नांडीस आळ्वा, बेंगळूर
बाय स्मिता शेणय, मंगळूर
बाय राजश्री सैल, गोंय
दो|पूर्णानंद च्यारी, गोंय
बाय अंजू साखरदांडे, गोंय
मा|रोयसन फेर्नांडीस

# वेबिनार 1



## प्रो|स्मिता शेणय, मंगळूर

बेसेंट कोलेज मंगळुरांत जर्नालिसम विभागाची मुखेसत जावन वावर करून आसच्या हिणें कोंकणी साहित्य, संगीत आनी कला अशें वेग-वेगळ्या विभागांनी खूप वावर करून आसा.

# डा एडवर्ड नज्रेत आनी गोकुलदास प्रभू कथेंचेर तुलनात्मक नियाळ

**डा. एडवर्ड एल नज्रेत हांचे परिचय**:

कोंकणी म्होटव्या काणियांच्या प्रपंचांतू डा. एडवर्ड नज्रेत एक व्होड नांव मंगळूराच्या आस- पासाच्या लोकाले, तांतूयी क्रिश्चियन (क्याथोलीक) समाजाच्या लोकाले जीवनांची मदेंतू चलच्य घटना, विशय, तांची नंबिका आचरण, रीती- नीती, ंसकृतीक आधार करूनू सुमार अर्धे शतमानाचे लांब कालावधींतू बरयिले पांच पुसतक आनी एक अपरकटीत पुसतकांतुल्यांनी पवूणशे (७६) काणियो सादर केल्लीले. हें सर्वै एक समग्र कथा पुंजो जावनू कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी, मंगळूरू हान्नी २०१६ इसवींतू व्होडलें फेसत म्हणचे नांवारी एक पुसतक प्रकट केलां.

तान्नीची संगल्यावरी हांका अट्टा क्लाशींतू आसतना कोंकणींतू बोरोवचे पिश्ये सुरू जाल्लें. तान्नी वड्डीले तशींच, दुसर दुसर स्थिती, परिस्थिती आनी ज्ञानाचे, सत्व तंचे साहित्यांतू पर्जळचे दिसता. न्हवे अनुभव, न्हवे शिखाप, नवे आयाम साहित्याक दित्तं गेलां अशी तान्नी संग्तांत.

वैद्य जावनू सेवा करचे वेळाचे एकदं पुरूश प्रधान, अशिक्षीत स्त्रीयांनी अश्शिले वेळाचे तशींच, आधुनीक तंत्रज्ञानाचे काळा थैं, सर्व बदलाव हांचे साहित्यांतू प्रतिफलीत जालां. कालाक तक्क तें संधर्भारी समाजाचे रूप हांचे पेन्नान, पुसतकारी चित्रीत केलां.

अर्धेशतमानाचे सामाजीक, सांसकृतीक, आर्थीक आनी तंत्रज्ञानाचे विशयाचे बदलाव हांतू निलकताती.

हें अपरूपाचे 'काणी मम्मान तांचे जीवनाचे विशलेशण करूनू वरलेल्या लग्गी वांटुनू घेवच्याक काणी बरोवचे एक बरें मांची करूनू घेतल्या, तंचे वैज्ञानीक- सामाजीक द्दषटिकोनाचे परिचयू तंची काणियो दित्ताती.

डा. नज्रेत हांगेले सुरुवाताचे थोडे काणियेंतू दिसचे सामाजीक विशलेशण पळैल्यारी, तेदनाचे क्रिसतांव समाजांतुले दुरबळपण, पुरूश प्रधान्य, असमानता दोळेंक खोंबता. समाजानी बांदिले चौका भित्तरी बायल मनश्यांनी एक मऱ्यादस्थ आनी साधारण सुखाचे जीवन करचेंची व्होडले साहसू जावनू आस्सुचे गमनाक एत्त. काजारां भित्तरी असचे अनिश्चिततय शिखवण नात्तिले परिस्थिती, दुरबळपण ताज्जे वयर एकलेनची चेर्डुंवाली जवाब्दारी घेवका पडचे एक बहू कषटाचे परिस्थितिचे विवरण हांचे काणियेंचे स्त्रीयाली जावनू आसचे दिसता. तान्नी असले समाजांतू आस्सुची असाध्य परिस्थितिचे प्रतिनिधी शें दिसताती.

हांगा डा .नज्रेत हांचे, साहित्यीक पयणाचे सुरुवाताचे दिसानी बरयिली, व्होडले फेसत म्हणची काणी विशलेशणे खातीरी काडूनू घेतल्या.

१९७५ इस्वेंतू, धाव्या क्लाशींतू शिकूनू आसतान, 'व्होडले फेसत' मोटवे काणी, बरोवनू मा. बा. एस डिकुन्हा हान्नी तिद्वुनू, 'सेवक' पत्रारी प्रगट जाल्लेली काणी ही.

तान्नी सांगचेवरी, सूरवेची काणियो विशेष गुंडायेच्यो न्हे म्हणनू. हांवे सांगचे जाल्यारी, धांचे क्लासाचे चल्यांनी बरयिली काणी शी ही काणी दिस्सना. त्या तर्ने प्रायेंतू प्रापंचीक अनुभवू कांयी नात्तिले तेदना, पात्रानी दाखयिली प्रभुद्दता ते तयार करच्यांतू लेखकांनी वापुरलेले तंत्र, भास, आनी निरूपण बहू अपरूपायेचे तोच धा-पंद्रा वर्साचो चल्लो, कोंकणी साहित्यांतू एक होडलो अध्याय जोडसुच्याक शक्ता म्हळेले तेदनाच ताज्या लेखनीन दाखोवनू दिल्लेलें. त्या नजरेन पळयताना म्हाका हृदयाक लाग्गीली काणी ही दिकूनू हीच काणी हांवे विशलेशण करचाक उबारनू घेतली.

**व्होडले फेसत काणियेचे सारांश**:

बप्पूसू नात्तीलो, पूतू, जोर्जीन फिगर्जेचे व्होडले परबेचे गजाल आवसुलाग्गी सांगचे उत्रांनी काणी सुरू जात्ता. पिंदिले कपडाक फत्तो मारची ताज्जी आवसू सेलीन बायी तागेले दुरबळपणाचे पत्तल आमगेले दोळेंची मुकारी पतलायलावरी दिसता.

तिगेलो घोवू पीवनू पीवनू पीडेसत जावनू मेल्ललो निमित्त तिजे दोनी चर्डुवांक जल्मू दिल्लेली ती, सान प्रायेरीच, विधवा जाल्ली. काम केल्यारी मात्र खावचाक मेळचे परिस्थितींतू, आंगाचे मासज काडूनू चर्डुवांक खावोनू तंका व्होड केल्ले तीणे म्हळ्यारी चूकना.

तिका एक श्रीमंत कुटुंबान रबूंक दिल्लेले एक सान खोलींतू दोनी चर्डुवांक घेवनू रबतली सेलीन बाय, तांगेली तोट- गद्यांतू कामागार जावनू घोळताली. त्या वर्सांतू काम जावचे दिसानी तिका टैफायीड आय्यिले दिकूनू काम करनाशी, तिजे कडे कांयीच दुड्डू नाशिले. 'व्होडले फेसता' विशयू जोर्जिलो क्लासमेट ग्रेसत कुटुंबाचो क्रिश्टीन ताका सांगिले. ते दीसू एक ऐसक्रीम जोर्जेक काडोनू दित्ता म्हणूनू आश्वाशनै दिल्लेली.

ह्या संगतीनिमित्त उल्लास भरलेलो जोर्जे अवयक व्होडले फेसताक, सांत पोळोवच्याक आप्पणय वत्तालो म्हणूनू सांग्ता. आवयिचे मौन ताज्जे उमेदीक इतलेच थंडुद्दाक शिंपुडता.

कांयी कषटारी वरयिली पांच रुप्पयी धूव सेलिनाले तप्पाक वखदाक आनी खासगी डाकट्राले फीसाक वत्ता. फेसत आयलेंच आनी हत्तांतू कांयी कासनांती. चेर्डुवांक सक्कडाल्यावरी न्हवे आवंगले न्हैतरी, बरे खाण- जेवण करका मास नैतरी, पोळे आनी तोरिदाळिचो सार पुणी करूनू आम्मीय फेसत करका म्हळ्ळेली तिजे आकांक्षा, सत्य जाल्लीज ना.

फेसताचे सांत भोंवच्याक चल्याली आशेक आनी उमेदेक ना म्हणूक जायनाशी, तीणे घर सगळे सोस्पानू, पंद्रा पैशे दिल्ले तका. तें चड्डीचे चिल्लांतू घालनू, जोर्जी संतेक गेलो.

ताणे आशा केल्लेले, लाठी पळ्ळेरी घुंवचे, मिठायी खावचे, कडेरी भैणीक एक रिब्बन घेवचे, खंचेच पंद्रा पैसेन ताक्का मेळ्ळेना. त्या मध्यें ताजे पिंदिले चड्डेचे चिल्लासूनू धा पैशे खैंकी पडूनू गेल्लें. ताज्जे मन मोडले. दोसत क्रिश्ट्तीन दित्ता म्हळ्ळेले ऐसक्रीम दिवचे सोड ताणे हाका पळयले सुदा ना.

एकलो पैसो नात्तिलो भावडो, भीक माग्तालेले कषट पोळोवनू वरलेले पांच पैसो ताजे हत्तांतू घालनू निराळ जाल्लो.

आवसुनू दिल्लेले एक दौलो निश्शे पीवनू निद्दलो. सेलीन बायेन सांगिल्लेवरी तें तांका सांगिल्लें फेसत नै आसले. ही काणी.

हांवे हाका सुमार रीतीरी सर्के जावनू असची श्रीमान गोकूलदास प्रभू हांगेली आराट्ट काणियेक समीकरण करनू विशलेशण करच्याक काडूनू घेतल्या. आराट्ट म्हणल्यारी देवालो एक उत्सवू. आठ दीसू चलचो ह्या उत्सवांतू, आखेरीचो दीसू देवाली मूर्ती देवळाचे तळ्यांतू नावेरी सवारीक वताती. ह्या कान्यक्रमाचे नांव आराट्ट तेंच नांव सगळे आठ दिसाचे समारोहाक आयला हो कोंकणीक आय्यलो मळयाळम शब्दू.

आनी ही काणी केरळाचे फाटिभूंयचेरी चलता. ह्या संधर्भारी, व्हडली सांत जमता. लोक सगळे मार्गारी भोवनू खरीदी करताती. दोन्नीचोय संधर्भू एकच आसचे निमित्त, आराट्ट काणी हांवे वेंचूनू घेतल्या.

**श्री गोकुलदास प्रभू हांगेले परिचय**:

श्री गोकुदास प्रभू सध्य मंगळूरांत राबचे, कोच्चीन चे लेखक, एक श्रेषट मट्टाचो मोटवे काणियो लिखपी. जीवनाचे वैरुध्य, विपरयास, दाखोवचे दुरबळ आनी मध्यम वर्गाचे जावचे- वच्चे जीवनाची घटनावळिचे विवरण आस्सुचे, सूक्ष्म संवेदनेचे काणियो हंच्यो. नाटकीय जावनू मेकळ्ळूनू घेवनू घडियेभित्तरी तकली भरी भोरनू दिसांदिसाचे सान सान गजालिंतू आसचे व्होड व्होq संग्ती सांगचे गुणाची काणियो हंच्यो.

प्रभुमाम इंगलीष भाशा विशयांतू स्नातक पदवी नंतर ब्यांकाचो उद्योगांतू आस्सूनू, अत्त निवृत्त जालांती. स्कूलाक वच्चे दीसानीच साहित्यांतू हांची आसक्तीन हांका इतले दूर थांयी साहित्याचे लोकांतू पयण करैयला.

साधारण सर्व साहित्यकारांनी करचो परकाय प्रवेशू एक शक्ती. तेवै बायल मनिश्यांलें, चेर्डुंवालें मोवाळ हृदयाचे भावनेचे सपूर एळ्यांक परसूनू दाखोवचे तस्सले हांगेले निरूपण. ताका, हांगेले वेवेगळे गांवांतू राब्बूनू सरशी- भरशी जावनू तयार जाल्लेली रुचीक कोंकणीचे माध्यम हांगेले विशेश.

समाजाचे रीती-नीतिचे विडंबना दुरबळ प्रायस्थ लोकाले दुःख, चेर्डुवालें मुग्ध मनांचो प्रश्नो, बायलाले असहायकतेचे वळवळ हांचे साहित्यांतू उद्देवनू दिसतात. अस्वसत करता.

**'आराट' काणियेचो सारांशू**:

रामचंद्रू स्कूलाक वच्चो एक चलो. काणी सुरू जात्ताना तो सिगरेटाचे खाली पेकेटांचे कोट बांदिता. म्हळ्यारी एक्का मागशी एक सालान, एकामेका लगाना तशी राब्बयिता. अश्शी दीग साल करताना एकाक हाथ लाग्गूनू सगळे पडता वत्ता. हें पोळोवचेची ताका खुशी. परतूनू तशीं करता, पडैता. तजी प्रायेक सार्के जाल्लेलो हो एकू खेळू.

ताज्जी मग्नता संडूनू ताज्जेमन दुस्सरे कडेन व्हरचे, गुमटेचे शब्दू. दामोदर देवालो उत्सवा निमित्त चलचे ब्यांड वाज्जपाचे फेरी पोळोवच्याक तो आशेता. सगळे उत्सवांतू ताक्का पसंद आसचे म्हळ्यारी, संगीत, ब्यांड आनी वज्जप.

थैं चलची एक विधिंतू कुडुमी लोक बोट मात्यारी उबारनू हाडुनू देवळाचे तळेंतू घालतात, तें तान्नीच करचे एक काम. ते फेसतांतू तांका भाग घेवच्याक देवळाच्यानी तांका करनू दिवचे अवकाशू म्हणूनू ल्याक.

बोट मात्यारी दवरूनू तंडूनू हाडचे सुलभेचे काम न्है. ताणे ते पळैताना ताका कळ्ळे, ताजो बाप्पूसू सुदा बोट तांडूनू हाडचे कुडुम्यालें पंगडांतू आस्स म्हणूनू ताक्का कळाता. आनी तो निप्पोनू राबता. जाल्यारीय आनू ताक्का पोळोवुनू मदेंतू ताक्का बोट तांडूक सांगूनू आप्पण उद्दाक (सोरो) पिवच्याक वत्ता. भारी त्रास घेवनू चलो बोट व्हरचे कामा संपैता. तें जात्ताना ताज्जे मत्तें सगळे मसत दुखता. चलो संपडता.

सक्कडालें वरीच तोवै देवळाचे समाराधनेचे जेवणाक सालारी बसता. तोंडांतू घासू व्हरताना, भजनेचे मंडळींतू आसचो तचो स्कूलाचो एकलो चल्लो थै पळया आमगेले मदेंतू कुडुमी चलो जेवणाक बसला म्हणुनू ताक्का दाखैता. ताणे थै जेवणाक बश्शिले सकडांक कळ्ळे. आनी ताक्का कितले शिक्षा मेळतलीकी. मऱ्याद वत्तालीकी म्हणूनू चल्लो भयभीत जात्ता. आप्पण जाती भायलो, हांवे हांगा बश्शिले चूक दिकूनू माका अवमान हान्नी करतलीं की म्हणूनू थंड जल्ललो चलो स्थब्द जात्ता तोंडांतू घाल्ललो घासू फात्तोरशी आनी पान्नाचे वैलें शीत मत्तीये वरी ताक्का दिसता. तें सूक्ष्म रीतीरी सांगूनू लेखकांनी काणी आखेर केलां.

**काणियेंचे नियाळ**:

'व्होडले फे' आनी 'आराट्ट' हें दोन्नी काणियेंचे नांव एक व्होड धार्मीक, सामुदायीक कार्‍याचे नांव पळयतानाची हीं दोन्नी होड समारंभाचे विवीध आयाम मनांत येता. हें दोन्नी काणियेंतू हाज्जे विशयांत एक वाडचे चेर्डाले आजाप, उमेदी, आसक्ती हें काणियेंचे मूळ विशयू. एक व्होड सांत चलताना तांतू भाग घेवचे सकड चेर्डुवांक मात्र न्यंय होड्डुांकय खुशी दिवचो विशयू. सत्य म्हळारी संतेंतू भोंवतलो हर एक

होडलो दोनी तीनी दिसा मट्टाक सान पणाचे अनुभोग पुनः जियेता. थंय एक चेडो ना चेली जावन भोंवता. मेळनातिली मेळतात, सैरीं- धैरीं येतात. देवाले काऱ्यें चलतात. सांतेचे दोनी तीनी दीसू दुड्डू मुख्य जायना. तें दीस जाय जाल्लेले काणू घेवचे, बालपण भोगचे लोकान मेळचे, खावचे अशीं एक सामाजीक मेळपाचे संतोश भरलेलें समारंभ जावन आसता.

दोन्नी लेखकांनी चेर्डुपणाचे ती उमेदी सुंदर रीतीरी zरशायलां. जार्जीक ताजे गांवातूंची जावचे इगर्जिचे फेसताक वच्चो आमसोर जाल्यार, रामचंद्राक सासषटी परमांत, सासस्टी परमाचे देवळाक धांवचे आलोचन. तें तळमळ, ती उत्सुकाय दोगाले दोळेंत पर्जळची नक्षत्रं कथाकार एकच रीतीर दाखयतात. मुखावयले बुद्वारा फेसत आसा खैं म्हळेले जार्जीक आनी देवळाचे तळें लागीं जावचे वाजपाचे आराट्ट पोळोवचाक चेल्लांनी तयार जात्ताना दोन्नी आवयनीं तें आमका कांय दिवचे ना म्होणुनू अनुभवासूनू भारी गंभिरायेर एकच रीतीरी सांगतात. वेळू जाल्लो मामुरे आनिकय दीस आसातमू अशें.

सेलीन बायेचेची क्रिसतांव समाजाचे फेसत जालेले निमित्त घरांतू सान शे पुणी चंदायेरी परब करका म्हळेली आशा तिका. चेर्डुवांक फेसताचो चांग अनुभव जावका म्हळेली तिजी इच्छा. तशेंच समाजांतू मान मऱ्याद व्होरोवन घेवका म्हळेली सहज भावना आसा. असलीची आशा रामचंद्राले बापसूक. कुडुबी लोकांक वैली जाती म्हळेल्यांनी सोंपिले काम करुनू तें अवकाश घेवन 'आराट्ट'ंतू भाग घेवचे पळयताना हें कळता.

आसुनू दिलेले पंद्र पैशे घेवनू भायर सरलेले जार्जीक सांतेंतू कांयी पुणी खरीदी करचे आशा. जाल्यारी रामचंद्राक वाजप कोरचे पोळोवचे संगीत आयकूचे पिशें. दोन्नी सांतेंतू भरलेले अगाध जनसतोमा मदेंतू एकले जावनू बोवंत ह्या चेडें सगळेंची लोकदर्शन करताती. ताका पंद्र पैशेंनी कांयी घेवचाक जाल्लें ना. हाका वाजप सम पोळोवचाक जालें ना. म्होणू दोगयीं ह्यो प्रपंचू, ताजी रीती नीती तांचे उग्ते दोळेंनी पळयताती.

लोकांचे गौजी गलाटाचे मदेंत तांतू भित्तवयले संसारांतू नवीन सवार विशय आनी विचार दाखल जाताती. नवें योचना रूप घेत्ताती. प्रपंचूची एक सांत, जीवनची एक फेसत, गरीब जालेल्याक हांतू कांयी मेळचे ना ताका सोपन पोळोवचे अधिकारू ना. आनी तुजे काम तुंवे कोरचे, ताका कांयी पुरसकारू ना, तो मेळू तुग्गेले न्हंयी, तुका थंयी तुग्गेली सेवा दिवचाक मात्र आपयलां. तुग्गेले काम होड कांयी न्हंयी. मनशाची जाती तरी सानी, ताका मेळचे स्थान मानची दुसरे. म्हणचे सत्याचे परिचय वाजप्यांक कोरनू दिताती हीं दोन्नी काणियो.

व्होड व्होड कामां जताना, इतले सान सान गजाली जाताती. तांतू शोशण एक. आनी तें सान करतल्यांक मात्र. भोगतल्यांक तें कश्शीं तांचे स्वाभिमानक खोंबता म्होणचे हांगा हें काणियेनी सांगलां. होडलो तेरू तांडचाक, सान सान मनिशची जांयी.

तांगेले दुरबळपणाचे, मुग्धमनाचे, उदार पृवृत्तीचे उपयोग काडुनू होडले कान्यक्रमू करचे चतुराय मात्र ऊंचिले मट्टारी असती म्हणतल्या लागी आसता.

एकलो बापय पीवनू म्होरनू वचुनू ताजी जवाब्दारी बायलेले मात्यारी थापुनू गेलो. हाजे आनेक रूप, रामचंद्रालो आनू अर्ध विधी जात्ताना पुत्ताल मात्यारी बोट दीवनू सोरो पीवचाक गेलों. पंद्रा पैशेक भयिणेक एक रिब्बानाचो कुडको घेवका म्होणोनू जार्जीन चींतिलेची तागेले पोशक मनोभावाचे सत्व दाकयिता. तशींची बोट उबारुंक आनू मागशीं येना म्होणू कळतेरी चल्याक तें मात्यारी घेवनू एवकाचीची पडता. आनी तो तें काम स्वाभिमाना कातीर कषटारी पुणी करता. अशीं दोग्गालेंयी बापसूनी कुटुंबाची सदस्यालीं शोशण केलां.

फेसताक जायी आशिले तांदला पीट वाटोवनू सगळेकाम केलेल्याक थोडेंची पीट दीवनू तुका दिवची कूली दिलां म्हणची मालकीन शोशण करता. आनी तीं सगळे ऊळिगमान्य व्यवस्थेचे प्रतिनिधिशें दिसतां. देवळांतू आसचे पुरोहीत शाही व्यवस्थेंतू ऊणे म्होणचे जातिच्यांनी काम करनू वच्चे मात्र. तो तांका होड कामांतू भाग घेवचो अवकाशू. तें तान्नी तांचे पुण्य म्होणून कारका. आनी तांका जेवणाक आपयितालें कोणयी नाची. हें शोशण.

जार्ज आनी रामचंद्र दोग्गयी तांगेलेची दोसता निमित्त दुःख भोगताती. जार्जिलो क्लासमेट क्रिफ्टी जाल्यारी एक ऐसक्रीम घेवनू दिता म्हळलो, घूवन तांय पळयना. व्होडले फेसतांत क्लिफ्तटन दिवचे ऐस क्रीम पुणी खावया म्हळेले तागेलो आखरीचो विश्वास मोडून वत्ता. तशींची रामचंद्रान सकडालें भरशीं सालांतू जेवणाक बशिलें तेदना ताजोच स्कूलमेट तो कुडुमेंचेलो चलो म्होणून सांगून दितां. तशीं जाल्यार धगा दिवचे कांयी आमका जाण आशिल्यानची कितें?

काणियेचे कडें भागांत जार्जीक आपण्यालागीं वरलेलें पांच पैशांत कांयीच काडनू घेवचाक जायना म्हळेले सत्य समजता. तें ताणे जिरोवनू घेतिले मात्र भारी गंभीर जावनू जालां. चड्डिचे चिल्लांसुनू धा पैशें भायर पोडून गेलें नंतर अती दुःख भोगलो जार्ज. व्हरलेले पांच पैशे काडुनू मागतलेले हातांतू घालतानाचो समयू एक भारी होड काम केलेले घडी तीं. फेसत आमका सांगील नैरें म्हळेले आवसूले उत्रं आतां जार्जिलें व्यक्तित्वाचे समजणिंत स्थापीत जालां. कषट आसा म्होणून मागतलाले मदेंत तो हात पसgनू बीक मागचाक बसलो ना. ती योचना ताका आयिलीच ना. बदलाक तो दानी जालो. होड काम केलें. ताजें पैशें ताणे इतले वेळू मोग केलले पैशो. आतां दुसरेंक दीवनू निराळ जालों हात्तांतू कांयी नात्तिलाले भारू, थोडें कांय पुणी आसुनू तें नुपरो म्हणतालाले भाराकी उणेची. आतां जार्जिलागी कांयी ना. ताणे पैशें चिल्लांतू दवरूनू सांत पळयले, फेसत पळयलें, दोसताक पळयलों, लोक पळयलों, सगळो संसार पळयलो. आतां तो प्याज ना तरी निशें नूत पियलो आनी जांयी म्हणालो ना. फेसत आयलें फेसत घेलें. सेलीन बायी पिंदकर काप्पड शिंवयत आशिलीं कोणाकय कळनाशी जार्जी होडलो जालो.

जार्जीन बश्शी वयर उब्बारून्‌ निशें पीवनू निराळ जाल्लेल्या वरी रामचंद्रू निराळ जाल्लो ना. तोंडांतुले शीत फात्तोर जाल्लो, पान्ना वयले खाण मात्तिशी लागले ताका. कोणेयी ताका कान्नाक धोरनू उटकरानू भायीर लकयिलें ना, म्होणुनू तो कुडमेंचो आमचें मदेंतू बसलां. म्होणुनू बोट कोरनू दाखयिलेंची ताजे भित्तरी शंबरीन भावना उटावन येवचाक कारण जालें. एक मिनुटांतू ताजे असतित्वाचे वयर ताकाच वैराग्य आयलें. त्या व्यवस्थेचे परिचयू ताका आसा देकून ऊंच म्होणचे जातिचे लोक ताका आनी ताजे जातीक कशें पळयतात म्हळेले तो जाण दिकुनू ताका आतां मेळची शिक्षा खंडीत आनी ताका जावचो अपमान खंडीत म्होण दिसून ताकाच तो माफ करचाक शकलो ना. थैं जावचाक आशिलो अपमान घनघोर अपमान तागेले जल्माक जाल्लो अगौरव. तो अपमान ताका कोणय करनाशी तो भोगलो. सोलवलो.होड काम कोरनू निराळ जावन जेवणाक बशिलें रामचंद्रू जेवणा सालारी आराट्ट चो भाग तो न्हयी म्हळेले समजलो ना. जार्जिले वरी निराळ जावन तो जेवलो ना बदलाक भय भीत जावन अपमानानी एक शिता खण तांय खावचाक ताका जायनी.

घरांत म्हेळेले आप्पणपण सरळ जीवनाचे सूख भायरी दोग्गांकयी मेळनी. प्रपंचू आसचोचे अशीं की म्होणून दिसलें. दोन्नी काणियेंत हें चेलें प्रमूख पात्रांत आसात. एक प्रायेक येवचे, प्रपंचाक नव्यान पोळोवचाक शुरू केलेले यूव मनाचे चेडानीं प्रपंच पळयिलो रीती हांतू हें काणियेनीं दिसतां.

एकलो दुडवानीं दुरबळो, आनी एकलो जातिनी. हें प्रपंचांतू दुरबळेंक आनी जाती व्यवस्थेंत सकलचे पावड्यारी आसचे लोकांक वैर आसचो होड संसारू कशीं दिसतालो म्हळेले निरूपण व्होडले फेसत आनी आराट्ट काणियेंत डा. एडवर्ड एल नज्रेत आनी श्री गोकुलदास प्रभू हान्नी केलां. दोन्नी काणियो बरयिलें मदेंत सबार धा वर्साचे काल व्यत्यास आसा म्होणुनू मसत कांयी सामाजीक बदलाव ना. हें हांगा आसचे विशयू आजिखै साबार मट्टक प्रसतूत आसा. ग्रेसत आनी दुरबळे मदेचे अंतर सर्व कालाखयी आसचेंची. जाल्यारी जाती व्यवस्था थोडें मट्टाक बदल जालां म्हणून ओपपोवयेत म्हणुनू जाती धर्मा निमित्त व्यक्ती व्यक्ती मदेंतुले अंतर खंडीत चड जालां.

**तंत्र आनी भास**:

गोकुलदास बाबनी काणी चड नाटकीय रीतीरी प्रारंभ करनू अती सूक्ष्म विवरण दीवन थोडें अत्युत्तम काव्यात्मक वाक्यांनी ही काणी आखेरी केलां. कांयी तान्नी विडियो केमरा घेवनू जूम ईन जूम औट केलां की. आनी थोडे कडेन प्यानिंग आनी टिल्टिंगय केलां म्होणून भोगता. आराट्ट मळयाळ भाशेचो शब्दू कोंकणीक आयिलो. सगळे सेट केरळाचे देवळाचे वातावराu आस्स. आराट्ट शब्द आयकतानची वाचप्यांलें मन केरळाक भांडी धरता आनी थंयचे सांसकृतीक चेंदाय आस्वादन कोरुंक तयार जात्ता. देवळांतुले पूजा, भक्ती आनी चंदांयी, हें सगळे प्रभू माम्मानी विसतारान विवरण दिलां. थंय जावचे सर्व कार्‍यचे डिटेल्स रामचंद्राले मनांतू कशीं दाखलो जाल्लिंती म्हळेले हें विवरणेंत कळता. हांगेले भाषेंतू एक मिश्र रसायनाची

गोडी अनुभूती आसा. कोणेयी वाचुनू रसानुभव घेवचे तसली सुलभ कोंकणी आसा. फ्ल्याश ब्याक फ्ल्याश पार्वर्ड असले कांयीच कषटाचे टेक्नीक नांशी सरळ तंत्राचे नाटकीयते भरलेली काणी 'आराट'.

डा. एडवर्ड एल नज्रेत हांगेली काणी व्होडले फेसत हून हून उबेरी शिजचे पातोळी परंबळा वरी फेसत येवचे पुडेची तजो गलगलो एक्ससैटमेंट, सर्व परिसरांतू दिसचे तसले शब्द वापुरता. तें दिसना म्हळारी, सेलीन बायेचे भितर मात्र.

आतां व्होडलें फेसत पूण पाल्ले व्होडले फेसत असले वाक्यांनी तिका आसचे कंटाळे मदेंत तिका फेसत करचो हुसको लागलां म्हळेले स्पषट केलां. फेसत आयलें, गेलें म्हणचे काणियेचे आखरीचे वाक्य. असले व्हडलें कान्यक्रमांत सगळो गांव खूश भोगता जाल्यारी ह्या कुटुंबाक कांयी मेळ्ळो ना म्हळेलो विचारू सांगता. केदळाचे वरीं निशें पिवनू तेगंयी निदताना हें स्पषट जात्ता.

भारी सलीस, दिसांदीस आमी उलोवचे कोंकणीन डा माम्मानी काणी सांगल्या क्रिसतांव समुदायाची आचरण आनी रीती नीतीचे परिचयू हांतू मेळाता. धार्मीक विधी विधानाचे विशयू चड ना तरी मैन फोकस सांतेचे वयर आसा. हें वाजताना एक होड सांत भोवनू आयिले भावना येता. सानपण एक प्रौढ मानसीक अवस्थेक वचे प्रक्रिया काणी आखेर जाताना वाचप्यांगेले मनांतूयी जातां.

दोन्नी काणियेचे फटीं भूंयी इतलेच दुसरे शिवाय दोनीय चेर्डुवांले परिगती, अनुभोग आनी तान्नी शिकिलो प्रापंचीक पाठू एकूची जाल्लले निमित्त व्होडले फेसत आनी आराट हें दोन्नी काणींक एकच समतलार दवरयेत म्होणून दिसता.

*** ꙮꙮꙮ ***

# वेबिनार 2



**बाय कन्सेपटा फेर्नांडीस आळ्वा, बेंगळूर**

३३ वर्सां थावन आल इंडिया रेडियो (मडिकेरी, मंगळूर आनी आतां बेंगळूर) वावर करून आसा. साहित्य, कला आनी संसकृती विभागांनी खूप वावर करून आसा.

# बाय हेमा नायक आनी बाय माया अनील खरंगटे च्या कथेंचेर तुलनात्मक अध्ययन

माया खरंगटेची '"दुदायी" काणी, हेमा नायकाची "पुनर वैभव" काणी हांगा अध्ययनाक घेतल्या. पयलें ह्यो दोनी काणियों मटव्यान सांग्तां, उपरांत ह्या काणियांचें तुलन कशें कऱ्येत पळेव्यां.

"दुदायी" माया अनील खरंगटे हांच्या काण्येची ओळोक कर्न घेव्यां. रोजलीन म्हळ्या एका उतर प्रायेच्या स्त्रीयेन प्रायवंतांच्या आसऱ्यांत रावोन अपणें दूद दीवन जीव वांचयिल्लो चलो आपणाक मेळोंक येता म्हण संभ्रमान ताची वाट राकची, आनी त्या वेळार तिच्या जिविताची काणी जिटचीshbचिछीञ तंत्रार आमकां वाचुंक मेळता. रोजलिनाक ल्हानपणार थावन्च वोडतांत (ञाiणछीheटी gचिडीजeटी) काम कर्चें म्हळ्यार जीव. घरा बितरलें रांदपाचें, दुवपाचें काम तिका पसंद नातलें. वोडतांत कितलेंय काम करुंक तें तयार. रोजलीन काजार जाल्ल्या फाटाफाट चार जण चल्यांक जल्म दिता. "चार जण पुतांची आवय तूं. हे पूत व्हड जाताना तुका राण्येबरी पळेयतले, तुवें कांय दाम कर्ची गर्ज ना" म्हण तिचो घोव विशेंत तिका केदनांय म्हणतालो.

विनो भाटकाराच्या घरा स जण चलियो जल्माल्या उपरांत सात्वें संतान एक चेर्को भुर्गो जल्माता. ह्या काणियेंत तो चलो 'बाब' म्हळ्या नांवान आमकां मेळता. भाटकाराची सून गुर्वार आसताना दोन पावटीं तिका ताप (जोर) आयिल्लो आनी ती असकत जाल्ली. बांळतेरांत ह्या पावटीं चड रगतय गेल्लें. तशें जाल्ल्यान ह्या पावटीं तिका दूद नातल्लें. बाबाक दूद मेळानासताना तो भुकेन रडतालो. वयजिणेन गायचें दूद दिलें. पूण तें जिर्वण जायनासताना सात आट दिसांच्या बाळशाक हाग्वण सुरू जाली. दोतोर फेर्नांडीस आयलो. "बाळशाक आवयचें दूदच दीजे. आवयक दूद ना खरें, पूण लागसार कोणी ल्हान भुर्ग्याची आवय आसल्यार तिचें दूद तरी दियात. नांतर वग्तां सयत लागचीं नांत".

लागसार सयऱ्या दयऱ्यांगेर सयत ल्हान भुर्ग्याची आवय कोणी ना. वैजिणेक रोजलीन बाळांत जाल्लो विशय कळता पूण भाटकार्नीक सांग्ताली कशें? ती सुद्दाचाराची, आपूड भषट पात्येताली (uटीणouछीhचीbiटiणथी). पूण दुस्री कोणी आवय तिच्या गुमानाक येनासताना, उपाव नासताना भाटकार्नीक सांग्ता. आयकाल्ल्या भाटकार्नीक धर्मसंकट. किरिसतांवाच्या आवयचें दूद अपल्या वंशोद्धारकाक दिवंवचें? पूण बाळश्याची आवय सांग्ता दूद तें दूदच, तांतून... माल्गडी

भाटकार्न आपल्या पुताक सांग्ता "बाबाक वांचवंक रोजलिनाच्या दुदाची गर्ज आसा. हिंदू, किरिसतांव व हेर कोण जाल्यारी दूद सकडांचेंय एकच लेक"

रोजलीन बाळांत जावन एक मयनो जाल्लो. तें दिसाक तीन चार पावटीं येवन बाबाक दूद दितालें. भाटकार्नीन तिचें कुटम सांभाळ्ळें. रोजलिनाक दूद चड जावंक म्हण बरें खाण जेवण दिलें. फेसत, परबेंक तिका अपल्या भुर्ग्यां सांगाता जेवणाक आपयताली. चार वर्सां रोजलिनान बाबाक दूद दिलें. ताका आपूण रोजलिनाचें दूद पियेल्लो उडास आसल्लो. बाबाच्ये आवयन रोजलिनाक दुदायी म्हण आपवंक शिकयिल्लें.

बाबान हें नातें बोऱ्यान सांभाळ्ळें. रोजलिनाच्या पुतांक आपलेच भाव कशे लेक्तालो. ताका पुणेक वर्ग जालो. आवय बापायक अपल्या सांगाता आपवन व्हरता. रोजलिनाचो घोव मोरताना आपणा सांगाता येवन राव म्हण तिका आपयता. "हांव काजर जावन ह्या घरांत आयिल्लीं, हें घर, म्हजें वोडत, ही माती सोडून आनी खंय वचाना. तूं थंय बोऱ्यान राव" म्हणता.

बाब पुणेच्या चलिये कडे लग्न जाता. आपल्या काजाराक रोजलिनाक पुण्याक व्हरता.

रोजलिनाच्या पुतांचें काजर जालें, अवयच्या बिडारा बगलेन्च पाकें देंववन ताणी आपली विंगड रांदण केली. एकल्यानय तिका आपणा सांगाता येवन राव म्हळें ना. सुनो वावराक वेताल्यो. आपल्या भुर्ग्यांक हक्कान म्हळ्ळेबरी सासुमांयकडे सोडन वेतालीं. तिच्या ताळ्यार एक घोट नीस परयांत घालिनातलीं. अपली पेज तीच शिजयताली. तोटांत भाजी फळां करताली, कोंबियो, तांत्यां विकून दीस काडताली. दुदायिचे कषट समजोन बाब तिका हर एक मयनो (पयशे) मनी ओर्डर धाडुंक लागलो. ते पयशे तिच्या हाताक मेळच्या पयलेंच पूत बायल्याबार वांटून घेवन सोऱ्याचेर विभाडताले. तें समजाल्या रोजलिनान बाबाक सांगोन पयशे धाडचे रावयले. पुतांक ही गजाल कळोन ते तिचेर रागार जाल्ले.

अतां तिच्या पुतांनी नवेंच हट धरल्लें. विनो भाटकारान चडावत भुंय आपल्या ओकलांक म्हळ्यार णeटिचिटीण साग्वळी कर्तेल्यांकच उण्या मोलाक वीकल्ली. रोजलिनाच्या घरा बगलेची सुवात तशीच सोडल्ली. ती बाबाकडे मागोन घे म्हण तिका पूत ओत्ताय करताले. एक मागल्यार बाब धा दिता म्हण रोजलिनाक आनी पुतांक कळीत आसा. निमाणो पूत पियेवन येवन आपूण घर बांधतां, बाबाकडे मागोन जागो दिवय म्हण झगड्याक रावता. बाबान जागो दिल्यार तो होगडायतलो म्हण तिका कळीत आसा. आपूण मागचीं ना म्हण रोजलीन खडाखड सांग्ता. म्हज्या तोंडांतलें (वांट्याचें) अर्धें दूद ताणें घेतलां तें ताका उडास करतां अनी ताचें रुसूम फारीक कर

म्हण विचारतां. हांवें म्हजें दूद बाबाक विकुंक ना. बाब कितें दिता तेंच चड जालें. म्हज्या दुदा बदलाक तुवें कितें दिलांय? एक दीस मांय म्हण लागीं आयिल्लो ना,

चवत लागीं येताना रोजलिनाचे पूत चड उचांबळ जाले. ह्या पावटीं बाब गांवाक येताना आवयचें नांव सांगोन जागो विचार्चोच - अशें थारायलें. अज निमाणो पूत कितें तरी कर्तलोंच म्हण निचेव कर्न्च अयिल्लो. पूत पियेवन येवन लडाय करताना रोजलीन उटोन सेजारा वेतालें. आज निमाण्या पुताचे कर्करे सुरू जाताना ती सेजारा वचुंक घर्चीं मेटां देंवलिगी ना, ताणे लांकूड घेवन सर्सरीत मारलें. तेगीय पूत पळेत रावले पूण आडावंक कोणी आयलो ना. तिची खिळंच आयकोन सेजारी धांवोन आयले. तिचो पाय मोडल्लो. ताणी तिका तुरंत आस्पत्रेक व्हेलें.

चवतेक गांवाक आयिल्ल्या बाबाक सेजाऱ्यांनी सगळी गजाल सांगली. असल्या कसाप्पी पुतांलागीं अपल्या दुदायीक बिल्कूक दवर्चें न्हंय. सेजाऱ्यांकडेच विचार करून तिका प्रायवंतांच्या घरांत दवर्चीं बंधबसत केली. तिका कितेंच उणें पडोंक नजो म्हण बेंकांत दुडू दवरलो. गोंयांत आयिल्ल्या वेळार तिका मेळोंक येतालो, कितें जाय तें हाडन दितालो. उतर प्रायेर ह्या बाबान तिका सुशेग दिल्लो. आपणें नोन मयने गर्भांत व्हावोवन, जल्म दीवन व्हड केल्ले पूत कशे अनुपकारी जाले अनी आपणें दूद दिल्लो हो बाब आपणाची खबर घेता तें पळेवन रोजलिनाचें मन भरोन येतालें. ही आसा दुदायी काणियेच मटवी ओळोक.

**बाय हेमा नायक हिची काणी "पुनर वैभव"**

पांच माळियांच्या सरकारी बिलडिंगांत विविंगड विभागाच्यो कचेरियो आसात. जायते कामगार थंय वावर करतात पूण तांकां थंय क्यांटीनाची व्यवस्था ना. गंगूबाय म्हळ्ळी विधव स्त्री त्या बिलडिंगांत दनपारां अडेज वोरां थावन सांजेर चार वोरां परयांत हऱ्येका माळ्येर च्हा कर्न, हऱ्येक कर्मचारिच्या मेजाकडे वचोन च्हा दिताली. तिच्या च्हायेची रूच इतली तांच्या जिबेक लागल्ली की हेर कोणाचीय च्हा पियेवंक तांकां नाका दिसतालें. ती च्हायेक घालुंक आपल्या घराच मसालो पिटो तयार कर्न हाडताली. ती रांदपांतय बारिच्च हुशार. चाकल्यो, लाडू, नेवऱ्यो, लोणचें कितेंय घेवन येत जाल्यार खिणान काप्तालें. कषट काडन वावर कर्चीं तिची कालेती. घोव वीज खात्यांत कामार आसल्लो, पियोणेच्या सवयेन एक दीस वीज खांब्यार काम करतानांच शोक लागोन मेल्लो. दोगी चलियो आनी एक चलो, अशें तेगां ल्हान भुर्ग्यांची आवय, चड शिकपी न्हय. वाचुंक, बरवंक, दुडवाचें लेख दवरुंक कळतालें. घोवाचे सर्विसाचे थोडे पयशे मेळल्ले तांतू इल्लोसो जागो मोलाक घेवन दवरता, केदना तरी चार खांबे पूर्न एक पाकें उबारलें जाल्यार स्वताचें एक बिडार जातालें म्हळ्या आशेन. आपणाक चड शिकप ना तरी भुर्ग्यांचे शिकप करयता. व्हडल्या दुवेक, तिचें नांव नली, पयस कुडाळांत काजार कर्न दिलां. धाकटेक, सीमा,

बापायच्या वीज इलाख्यांत, बापूय सर्विसांत आसतानांच देवाधीन जाल्लो देकून छीomठिचीssioटिचीणe gडीouटीज, चेर काम मेळता. गंगूबाय च्हा कर्न दिता त्याच बिलडिंगांच्या कुशीक तिचें दफ्तर आसा. तिचेंय लग्न जालां, लागिंच रावता. आनी निमाणो पूत अविनाश, ताका शिकवन अडवोकेट केलां. तो काजार जावन फ्लेटांत विंगड रावता, ताची बायलय अडवोकेट. इतली गंगूबायेची ओळोक.

आशाढ मयनो संपोन श्रावण मयन्याच्या पयल्याच सोमारा गंगूबाय दफ्तरांतल्या पांचय माळियांनी जाहीर करता - ह्या वर्सा चवत आमच्या नव्या घरांत. त्या भायर वर्सावार घेंवचे लाडू, नेवऱ्यांचे ओर्डर आसात. भायलें, भितरलें काम म्हणताना म्हाका येवन च्हा कर्न दीवंक पुर्सत मेळची ना. हें आयकाल्लेंच एक घडी सकडां मौन जातात. पूण तिचें बरें जांव म्हण नाखुशेन कबलात दितात. ह्या दिसांनी गंगूबायेक कुशिच्या दफ्तराक वचोन अपल्या धुवेक मेळोंक जालें ना. ते पासोत तिणे धुवेक फोन कर्न आपयलें. तें आयलें. पूत अविनाश ह्या पावटीं चवतेक येंवचो ना म्हण तिणे सांग्ताना धूव सीमा अजापलें. कित्याक येना तो, खंय वेता? काम आसा म्हणतालो. काम आसा? चवतेक कोडतीक सुटी आसता. ताच्या शिकपाक इतलो दुडू खर्चिलाय, भायल्या भायर काजर जालो, बायलय शिकपी, अडवोकेट, विंगड रावतात. बरेंच, ह्या घरांत कितें किडे पडल्यात? चवतेक येवंक जायना म्हणता, कांय तूं आपली आवय म्हणोंक ताका लज दिसतागाय?

तो आसा थंय सुखान असोंदी. म्हजी काळजी करिनातल्यारय जाता. म्हज्यान जाता परयांत हांव सांभाळतां. कांय तांकाना म्हणताना तूं म्हाका सोडन घालिशें नांय.
आतांच तूं म्हज्या सांगाता येवन राव म्हण आपयतां तुका. हांगा एकलीच रांवच्या बदलाक भुर्ग्यांमधें रावशी जाल्यार तुका बरें लाग्तलें.

आसों, अविनाश येना जाल्यार हें घर हांव सांभाळतां. गंगूबायेन म्हळें. सीमा च्हा करुंक गेलें. मधेंच उडास येवन आयी, तर ह्या पावटीं गणपतिची पूजा कोण करतालो?
तूं असाय न्हय? तुज्यान पूजुंक नजो?
हांव? सीमान आंग काडलें. कितें उलयतायगे तूं. एका बायलेन पुजा करुंयेता!
कित्याक नजो, सामान हाड्येता, घर दार सजुंयेता, जेवण रांद्येत, पुलांचे झेले गुंत्येत, दुर्वापत्री हाडून ताटांत मांड्येत, वाती तेलान भिजोयेत तर पूजा कर्चांत कसलें भषटपण आड येता?
पूण तसली रिवाज ना न्हयगे? सीमान विचारलें.
ना जाल्यार सुरू कऱ्यां. नालायक पुरुशार्थां प्रास मर्दानी झान्सिची लायकी दाकव्यां. तुंय म्हज्या रग्ताचें.तुकाय तितलेंच हक्क आसा.
हक्क विंगड, परंपरेचें पालन विंगड. तुज्या तसलेन पूजा करुंयेता?

किते म्हणताय तूं, घोव मेल्ल्या बायलांक आदीं देवाच्या कार्‍यांत वांटो घेवंक दीनातले. तुकाय तशें दिसता जाल्यार घे कातर, म्हजे केस तास आनी म्हाका बोडकी कर, नेसय म्हाका तांबडें वसतूर.

आयी, चूक जाली म्हजी. म्हाका तशें सांगचो इरादो नातल्लो.

खंयच्याय देवान सांगल्लें ना आपली पूजा दादल्यांनी करुंक जाय म्हण वा सुवासिनी बायले शिवाय हेरांनी करुंक जायना म्हण. तर सांतेरी, माळसा, शांतदुर्गा देवीक दादले कित्याक न्हाणयतात, सुंगार करतात? कोणी कितेंय म्हणो, हांव पूजा कर्तलीं. म्हज्या घरांत पूजा स्वीकार करता त्या देवाचेर म्हाका अधिकार ना?

सीमा आवयकच पळेवन उरलें. आदल्या काळाच्या आपल्या आवयचें चिंतप इतलें आधुनीक आसा तर आधुनीक काळाच्या आपणाचें चिंतप आधुनीक आसोंक जाय आसलें. ताका आपणाची लज दिसली.

अविनाश चवतेक आयलो ना. आपल्या घोवाच्या घरांत चवत असा म्हण धुवोय आयल्यो नांत. गंगूबायेन गजाल आसा तशी वाड्यांत सांगली. सेजार्‍यांनी तिका मजत केली, वाड्यांतल्यो बायलो आर्तीक आयल्यो, भजना मंडळिच्या बायलांनी भजनां म्हळीं. देड दीस पूजा केल्ल्या गणपतीक पिकपाचेर घालन गांवच्या लोकान तळ्यांत बुडयलो.

मयनोभर भायर भितर वांवट काडन गंगूबाय थकल्ली. गणपतीक वेल्या नंतर नावन नीदल्ले तिका बरी नीद पडली. अवचीत कोण तरी दारार मारता तें आयकोन तिका जाग जाली. दारार अपरिचीत मनीस. ताच्या हातांत दाट फायल.

किते काम आसलें म्हजे कडेन? गंगूबाय विचारी.

हांव कांय चुकलांगी कळाना. ह्या घराचो मालक अडवोकेट अविनाश.

व्हय, तो म्हजो पूत. बायलय अडवोकेट. तीं फ्ल्याटांत रावतात.

व्हय हांव थंय थावन्च आयलां.

कांय बानगड गी? ती दुबावली.

व्हय, कशें सांगों कळाना. हांव एक बिलडर. जागे घेवन फ्लेटां बांदून विकपी. शूभ विहार म्हज्या कंपनिचें नांव. हें घर अविनाशाच्या नांवार आसल्लें, ताच्या बायलेक ह्या भोंवारांत रावोंक नाका, तिका फ्लेटांत रावोंक जाय. कळंगूट दर्‍या वेळेर म्हज्या बिलडिंगांत दोन फ्लेटां आसल्लीं. ताच्या बायलेन एक पसंद केलें. म्हजो बोंगलो आसा. पूण म्हज्या आवयक साद्या लोकामदें रावोंक जाय, त्या खातीर हांव ल्हान एक घर सोदतालों. हें घर बांदच्या वेळार अविनाश म्हाका घेवन आयलो, म्हाका हें पसंद जालें. अविनाश म्हणालो म्हजी आवय आसा, ती गांवांत रावता. हांव तिका म्हज्या फ्लेटाक व्हर्तलों. हांव पात्येलों. आटच दिसां भितर कोडतिचो वावर संपलो. हें घर म्हजें जालें, फ्लेट ताचें जालें.

पुतान आपणाक फसयलां ते कळताना गंगूबायेच्या दोळ्यांक काळोक अयलो. आपल्या धुवांकडे विचार्न घर म्हालकाच्या ताबेन दीवंक तिणे आट दिसांची पुर्सत मागली. कोणायकी दुकवन ह्या घराचें हक्क घेवंक म्हाका नाका. हांवें म्हज्या आवय खातीर हें घर पसंद केल्लें. पंद्रा दिसांनी येतां, म्हाका तुमी केदनांय फोन कऱ्येत म्हण सांगोन आपलें कार्ड दीवन तो चल्लो.

गंगूबायेक कितें जाता तें कळ्ळेंना. ती थंयच कदेलार बसली. तितलोच तिका उडास. जाग जाताना ती आस्पत्रेंत आसा. बगलेक एक नर्स आनी धूव सीमा. दूसऱ्या दिसा आस्पत्रेथावन डिसचार्ज जावन घरा हाडली. कुडाळाथावन माल्गडी धूव नली येवन पावली. दोगांयकी बसोवन गंगूबायेन सांगलें - हें घर अविनाश नांवाच्या मनशान कोणा दूसऱ्याक विकलां. पयर ह्या घराचो धनी आयिल्लो.

तो बरो मनीस. ताका भितरली खरी गजाल कळीत ना. अविनाशान घर ताका विकून ताचेचकडे फ्लेट घेतलें.

तर आतां आमीं कितें कऱ्येत? दोगी धुवो चिंतुंक पडलीं. तूं आमगेर येवन राव. सीमान सांगलें.

आयी, शीदा आमगेर ये. पाटले यादीच नाकात. नलीन सांगलें. हांवें कितें करुंक जाय तें अनिकीय चिंतुंक ना. नली असतानांच त्या मनशाक गंगूबायेन फोन केलो. थरायिल्ल्या दिसा तो आयलो. सर्कारी स्ट्यांप पेपराचेर टायप केल्लें खरार पत्र ताणे दिलें तें सीमान वाचलें. गंगूबाय जिवंत आसतली परयांत हें घर तिचें उर्तलें, त्या उपरांत हें घर वासंतिबेनाचें जातलें.

अयकोन गंगूबायेच्या दोळ्यांनी दुकां गळ्ळीं. हें खरार म्हाका मान्य ना. हांव जिवंत असता परयांत म्हाका एक कूड दियात, म्हजो दंधो कर्न हांव दीस काडतां. तुमच्या आवयक घेवन येयात.

हांव फाल्यां फोनार उलयतां म्हण तो गेलो.

आतां गंगूबायेच्या घरांत उल्लासाचें वातावरण. तिका वासंतिबेनाचो आनी वासंतिबेनाक तिचो सांगात. दोगी मातारीं आदले उडास गजाली काडतात, पदां म्हणतात. केन्ना केन्ना वासंतिबेनाचो पूत, सून, नात्रां येतात, केन्नाय गंगूबायेच्यो धुवो, नात्रां येतात.

चवत जावन पंद्रा दिसांनी गंगूबाय घरांतली भायर सरली. वोरां बारा जाल्लीं. तिका पांचय म्हाळ्यांचेर जेवणाच्या वेळार सकटांक नेवऱ्यो वांटुंक आसल्ले, आनी मागीर तांकां च्हा.

आतां ह्या काणियांचें थोडें तुलन कऱ्यां. ह्या काणियांतलें प्रधान पात्र दोगी स्त्रीयो, तांचे पूत, आनी तांचें घर. दोगी स्त्रीयो धैराधीक, कोणायच्या हंगाक पडानासताना आपल्या वावरांत दीस काडच्यो. Womeटी emठीotiteडीmeटीण वा बायलांचें

सशक्तीकरण म्हण आज कितें आमी म्हणतांव ताची प्रतिमा जावन तीं आमकां मेळतात. दोगांयच्या घरांत अमाल पियोणेंय गुमानांत घेंवच्या तसलें. दोगांकय जल्म दिल्ल्या पुतांच्या हातांनी कषट भोगुंक मेळतात. आपल्याच घरांत थावन पूत तांकां भायर घाल्तात. पूण पर्की तरी तांकां दोगांकय पुता सार्को एकेकलो पूत मेळतात आनी तांच्या जिणियेची सांज बोऱ्यान पाशार जांवचो भर्वसो वाचप्यांक मेळता. हे दोगी व्यक्ती आपल्या आवयचो मोग करतात देकून तांकां आन्येक आवयचोय हुसको आनी मोग आसता.

रोजलीन चार चेड्यांची आवय, चडतीक एका चेर्क्याची दुदायी, तिचो घोव विशेंत तिका केदनांय म्हणतालो "चार जण पुतांची आवय तूं. हे पूत व्हड जाताना तुका राण्येबरी पळेयतले, तुवें कांय काम कर्ची गर्ज ना" . पूण तशें जालें ना. चार पूत, सुनो आसल्यारी तिका आपणा सांगाता येवन राव म्हण एकल्यान पुणी आपयलें ना. तिच्या ताळ्यार एक घोट नीस परयांत घालिनातलीं. अपली पेज तीच शिजयताली. तोटांत भाजी फळां करताली, कोंबियो, तांत्यां विकून दीस काडताली. आपल्या पुतांच्या हातांत तिका तिरसकार, अक्मान आनी निमाणे मार खांवची परिगत तिका आयली. पूण तिचो दुदाबाब, जो तिणे थोडीं वर्सां आपलें दूद दीवन जीव वांचयिल्लो, तिका आपलोच खरो पूत म्हण दिसचो तो तिचो राकण भडवो. तिचो शरताविणे मोग करता, हुसको, काळजी करता, अनुपकारी पुतांच्या हातांतलें तिका सुटयता आनी प्रायवंतांच्या घरांत दवरता. तिका कितें जाय तें मेळपाची व्यवस्था करता.

अनी हांगा पुनर वैभव काणियेंत गंगूबाय. ती आयच्या काळाच्या बायलांक एक रोल माडेल. चड शिकपी न्हय पूण बऱ्या समजणेची. ल्हान प्रायेर विधव जाल्ली स्त्री, तेगां नेंट्या भुर्ग्यांची आवय. पियोण्याक लागोन घोव मोरता. घोवाच्या सर्विसाच्या कांय थोडे पयशांनी इल्लोसो जागो विक्तो घेवन दवरता, केन्ना तरी आपलेंच एक बिडार बांदच्या इराद्यान. आपल्या बावळ्यांचेर पात्येणी दवरता आनी अपलोच ल्हान दंधो करता. खाण पीवन तयार कर्न विकून मऱ्यादीन पोटाटो ग्रास जोडता. तेगांय भुर्ग्यांक शिकयता. धुवांक काजार कर्न दिता. पूत भायल्याभार काजार जालो, फ्लेटांत विंगड रावलो तरी ती शिणाना, विरोध करिना. चवतेक तो घरा येना म्हणताना, गणपतिची पूजा आपुंण्च करता. अपल्या घरांत दवरिल्ल्या देवाचेर आपणाक हक्क नांगी म्हण ती सवाल करता.

विरोधाभास पळेया तिणे कषट, वांवट काडन एडवोकेट केल्लो पूतच कानूनाच्या बळान्च तिका खबरेविणे घात करता.

पूण दंधो कर्चो पर्की मनीस जाल्यारी, गंगूबायेचें घर मोलाक घेतल्या उपरांत तिका पुतान फसयलां म्हण कळतच, ती जिवंत असता परयांत तिचें घर तिच्याच नांवार

आनी तिच्या उपरांत अपली आवय वासंतिबेनाच्या नांवार येंवच्या तशें करार पत्र करता.

आनी एक म्हज्या मतीक गेल्ली गजाल दोनी काणियांनी स्वतः जल्म दिल्ल्या पुतांक आवयचो हुसको ना तो ना, तशेंच सुनांकय सासू मांयचेर बरें मन ना. मांय सुने मदल्या अंतराचे असले पात्र आदीं थावन आयकोंक, वाचुंक मेळतात. एक आदर्श स्त्री पात्राच्या पाटल्यान थोडे जचिडीञ shचीजeज जीemचीटe छीhचिडिचिछीणeडीs आसचें वाजबी तरी अतां बदलाल्ल्या कळार पात्र रचताना, चड कर्न स्त्रीयांनी रचचा पात्रांनी स्त्रीयांक बऱ्या रितीन दाकंवचें प्रेतन कऱ्येत म्हण म्हजी वैयक्तीक अभिपराय.

दुदायी काणियेंत मधें मधें पाटल्या घडितांचो उल्लेख, म्हळ्यार जिटचीsh bचिछीञ तंत्र आसा तर पुनर वैभव काणियेंत गंगूबायेचो घोव सरल्लो एक विशय सोडल्यार हेर घडितां समकाळीन रितीर पर्गट जातात. दोनी काणियो बरयो लांब आसात पूण पुनर वैभव काणी चड लांब आसा. हांतू सर्कारी दफ्तरांची खबर येता, गणपती परबेचो, आचरणांच्या पाटले संपरदाय, आधुनीक चिंतप हांचो उल्लेख आसा. ऊuiटिटीless booञ oजी डीeछीoडीजs उल्लेख दोन पावटीं येता. दोनी काणियांचो व्हाळो बरो आसा. काणी वाचुंक सुर्वात करताना काणी कशी मुकार वचत म्हळ्ळो अंदाज करुंक जायना. दोनी काणियांचें सुखांत जाताना, (जीeeट gooज जिचिछीणoडी) मतीक बरें लागता.

*** ೦೦೦ ***

# वेबिनार 3



**प्रो|कृपाली नायक, गोंय**

गोंय विध्यापीठंत प्राध्यापक जावन वावर करून आसा, जाग नेमाळ्याची संपादक. संसोद, विशलेषण तशेंच साहित्य रचन हिचे प्रमूक हव्यास.

# पुंडलीक नायक आनी एन. शीवदास हांच्या कथांचो भोवजनीय नद्रेंत्यान तुलनात्मक अभ्यास

**सारांश**

कोंकणी कथेचो विचार जाता तेन्ना शणै गोंयबाब, चंद्रकांत केणी, दामोदर मावजो, गोकुळदास प्रभू, महाबळेश्वर सैल, एडवीन जे एफ डिसोज, हेमा नायक, मिना काकोडकार, माया खरंगटे आदीं. लेखकां वांगडा पुंडलीक नायक आनी एन. शीवदास हांचोय कथाकार म्हण उल्लेख जाता. ह्या दोनय लेखकांनी चड करून अंत्रूज म्हाल आपल्या कथांतल्यान चित्राल्लो दिसता. तांच्यो कथा ह्यो स्वतंत्रेत्तर काळांतल्यो आशिल्ल्यान आनी दोनय लेखक भोवजन समाजांतले आशिल्ल्यान भोवजन मध्यम वर्ग आनी भोवजन निम्न वर्ग हांच्या जिविता कडेन संबंदीत समाज, भोवजनांचो जिविता कडलो संघर्श हो तांच्या कथांचो मुखेल गाभो म्हणू येता. हे दोनय लेखक समकालीन आसात आनी भोवजन समाजाचे घटक जाल्ल्यान दोगाय कडेन ह्या समाजाची मान्सिकता, हो समाज, ह्या समाजांतली स्त्री ह्या सगळ्या कडेन पळोवपाचो आपलो सो एक दृश्टीकोन आसा. ह्या निक्षांक धरून हो समाज दोनय लेखकांनी कशे तरेन चित्रायला ह्या समाजाच्यो वेगळ्यो वेगळ्यो विवंचना सूख-दुख्खां माडपाक हे दोनय लेखक कशे तरेन सार्थकतायेक पावल्यात हाचेर तुलनात्मक नद्रेन उज्वाड घाल्पाचो यत्न ह्या अभ्यासांत केला.

**सारग्र उत्रां**

भोवजन समाज, तुलना, कथा, समकालिनता

समाज आनी साहित्याचो खूब लागीचो संबंद आसा. समाजांत घडपी घडणुको म्हणल्यारच साहित्यीकाचे आस्पासचें वातावरण, रिती-रिवाज, परंपरा, मान्सिकता हांचेर साहित्यकार साहित्यांत गांभीऱ्यान विचार करता. हाकाच लागून साहित्य हो समाजाचो हार्सो अशेंय मानतात.

आज समाजांत पळयत जाल्यार आमकां जाती वेवस्था, आतंकवाद, भूमंडळीकरण, शोशण, स्त्री शोशण सार्केले विशय मुखेल पणान दिसतात. जाका लागून समाजाक भंयकर प्रस्नाक तोंड दिवचें पडटा. ह्या सगळ्या विश्यांक भिडटना साहित्य खूब मोलाचें थारता. साहित्य फकत तात्कालीन नासतना तें कालजिवी आसता. समाजशासत्रीय, इतिहासीक अभ्यासाकांक जसो लोकवेद हो दसतावेज जाता तेच परी साहित्य हो एक दसतावेजय जावं येता.

साहित्यांतलो समाज नियाळटना ताका वेगळ्या वेगळ्या धरातराचेर नियाळल्यार तातूंत दिस्पी भेद हे सुक्ष्म रित्या पळोवप सोंपें जातले . पुडलीक नायक आनी एन. शीवदास हाच्यो कथा पळयतना तांणी हाताळिल्ले विशय हे भौसा कडेन लागिचे आशिल्ल्यान त्या कथांक भोवजन ही संकल्पना लायल्यार ती तुलना चड वेवसतीत जातली अशें अभ्यासकाक दिसता.

भारताची लोखसंख्या पळयत जाल्यार सुमार ८०% लोक भोवजन समाजाचें प्रतिनिधित्व करतात. हांगा भोवजन ह्या संकल्पनेचो विचार कर्तना बहुसंख्य वंचीत हे नद्रेंतल्यान कर्चो पडटलो. ह्या समाजाचो जर अंतरसोद घेतलो जाल्यार ह्या समाजांत आस्पी सम-विश्मता दिश्टी पडटा. हो समाज दोन पांवड्याचेर जग्ता एक त्याच समाजा मदलो अंत्रीक संघर्श, विवचना आनी कलह घेवन जाल्यार दुस्रो सोशीत वर्गाचे प्रतिनिधित्व जावन. हे दोनय लेखक ह्या समाजाचे भाग आसात. त्या लेखकांच्या साहित्याचेर खोलायेन अभ्यास जातलो जाल्यार ह्या विचारधारेचो आस्पाव करून घेवप गर्जेचें थारता. ही विचारधारा साहित्याक उपेक्षिताच्या नद्रेंतल्यान तपासता.

दोन वसतू मदलें साम्य आनी भेद सोदप म्हणल्यार तुलना करप. तशेंच दोन वा दोन पसर चड साहित्यकृतींची तुलना करप म्हणल्यार तुलनात्मक अध्ययन करप. जाका इंगलीश भाशेंत कंपेरिटीव्ह लिट्रेचर अशें म्हणलां. तुलनात्मक अध्ययना संद्र्भांत डो. रवीनद्रकुमार शर्मा जैन हे म्हणटात एक नदी की दो धाराएं जो कालांतर मे परयाप्त दूर एव भिन्न हो गयी है. उनके भेद कार्णों का विशलेशण कर उनकी मूल्भूत एक्ता स्थापीत कर्ना (पान १६ मार्कणडेय) तांची ही व्याख्या नायक आनी शीवदास हांचो तुळात्मक अभ्यास कर्तना भोव म्हत्वाची दिसता.

भार्तीय परिपेक्षांतल्यान गोंयां कडेन पळयल्यार गोंय हें सुधारीत राज्य. हांगाची संसकृताय आनी विचारसरणी हेर भारता परस वेगळी. पाश्चात्य संसकृतीचो ह्या वाठाराचेर भर्पूर प्रभाव आसा अशें मानतात. जाका लागून हांगाची संसकृती हेर भारता परस भिन्न अशें मानतात. जेन्ना आमी नायक आनी शीवदास हांच्या साहित्याक पळयतात तेन्ना हे दोनय लेखक गोंय ह्या प्रादेशीक वाठाराक आपल्या साहित्याचो केंद्र बिंदू दवरतात. आनी हांगचो भोवजन समाज कसो तांची मान्सिकतेक धरून आपल्या कथांतल्यान तांचें चित्रण करतात. ह्या तुलनात्मक अध्ययना खातीर

अभ्यासकान नायक हाची मुठय(१९७७)अर्दूक (१९८९), आनी शीवदास हाची गळसरी (१९८१, २०१६ दुस्री आवृत्ती) भांग्रसाळ (२००३) हे कथा संग्रह घेतल्यात.

नायक आनी शीवदास ह्या दोनय लेखकांनी गोंय मुक्ती पयलीचो काळ आनी गोंय मुक्ती उपरांतचो काळ आपल्या भुर्गेपणांत पळयला. त्या काळच्यो सहवेदना तांणी हेरां कडल्यान जाणनू घेतल्यात. तेच खातीर तांच्या साहित्यांत समाजीक चेत्ना विश्व दृश्टी, ग्रामीण जिवनाच्यो संवेदना आनी संघर्श प्रखर पणान जाणवता.

ह्या लेखकांचीं पात्रां भास घडणुको ह्यो ह्या समाजा कडेन एक्रूप जाल्ल्यो मेळटात. ह्या समाजाचें मूळसत्व हे लेखक मांडटात.

गोंयच्या समाज वेवस्थे कडेन आनी भोवजना कडेन निगडीत कृशी संसकृतायेचे घटक तांच्या कथांनी अभिव्यक्त जातात. तांच्या कथांनी शेत, कुळागर, शेत्कार, झाडां-पेडां, शोशक शोशीत हांचो अस्पाव जाल्लो दिसता. हातूंतलेच शेती संसकृताये कडलें एक म्हत्वाचें प्रतीक म्हणल्यार बैल. शेता-भाटाचो मालक जरी वयलो समाजा आसलो तरी प्रत्यक्षांत कश्टाचो वावर कर्पी सदांच भौस आसता. बैला बगर शेत जायना. बैल हें साम्र्थ्याचें प्रतीक, बैल हें सधनतेचें प्रतीक देखून दोनूय लेखकांचे साहित्यांत बैल येतात. बैलाचो जिविता कडलो संद्रभ घेवन हे लेखक बरयतात. बैल भौस विकूक शक्ना विकल्यार तो कर्म दळीद्री जाता. हाचें प्रतीक आमकां नायक हांच्या खाटीक ह्या कथेंतल्यान दिसता कुश्टा हो गरीब दुबळो शेत्कार, जाचो पूत पूतू . बायल पूत ल्हान आसतनाच भायर पडल्या, शिरबो आनी पोवळो हे ताच्या जिविताचे सांगाती ते ताचे खातीर ताचें सर्वस्व. ह्या बैलांक लागून तो ल्हा भुर्ग्या कडेनय लक्ष दिना. भुर्गो आंगा पांगान वाडटा हें जेन्ना लक्षांत येता तेन्ना ताचे कडेन कसलेंच भांडवल नासता तेन्ना ना ईलाज जावन तो बैलांक विक्ता आनी पुताचें लग्न करता. सून आनी मावांचें पटना ज्या बैलांक विकिल्ल्यान सून घरांत आयिल्ली. तीच सून कुश्टाक खाटीक म्हणल्यार बैलाक मार्पी म्हणटा ज्या बैलाक पोसलो तो खाटकाक मार्पाक विकप हें बऱ्याचें लक्षण न्हय जाल्यार ताचो ह्या समाजाच्या मान्साचेरय परिणाम जाता त्या सुनेक तें लागिल्लें आसा देखून तिका माव क्रूरक्र्मी दिसता. आनी ती ताका घरांतल्यान काडून वडयता. जाल्यार शिवदासाल्या रानबैल ह्या कथेंत ज्या गायगेर पाडो जातलो ही अपेक्षा दवरून कुश्टा दीस रात तिची सेवा करता. थंय एका घाळ खिणाक गाय रानांत वितां. पूण पाडो हाडना. कुश्टा सैर्भैर जाता. ताका पुराय रानांत सोदता पूण तो मेळना. वर्सान जेन्ना तो मेळटा तेन्ना ताका

धर्पाक कुश्टा भाना विरयत जावन वता, तेन्ना तो रानांत मातिल्लो बैल ताच्या मर्णाक कारण थारता. ह्या दोनय कथांतल्यान बैलां कडेन आशिल्लें भौसाचें भावनीक नातें स्पश्ट जाता.

भाटकार मुंडकार हें नातें मुखेलपणान जाती वेवस्थेचेर आधारीत आसा ह्या नात्याक लागून भोवजन समाजाचें शोशण जाता. भाटकार चडशे उच्चवरगीय आसतात. जे मुंडकाराचें शोशण करतात ह्याच तरेचे चित्रण आमकां जैत आनी भाटकार कथेंत दिसता शेतां भाटांत कस्पी मुंडकार आसता पूण आयिल्लें फळ ताका मेळना गुर्वारपणांत जानूचे बायलेक हर्वी केळी खायन दिसतात ताका लागून भाटांतल्यान केळी हाडून खाल्ले खातीर भाटकारा कडल्यान पडिल्लो मार. त्या मारा उपरांत विजय आनी ताच्या सांगात्यांनी गांवांत केल्ली जनजागृकताय आनी ते उपरांत गर्जेक येवन गांव जंय कामाक वचपाक मनाय करता त्याच भाटकारागेर जानून गर्जेक केल्लें का. आनी तेच खातीर परत खवळून आयिल्लो गांव आनी जानूचें गांवा कडल्यान जाल्लें मरण. हातूंत विज्याचीं संदीसादूपणा दिसली तरी प्रक्रशान भाटकार मुंडकार संघर्श दिसता पूण हांगा लेखक जैताच्या भौसातल्याच जानूचें मरण दाखयता. आनी ह्या संघ्रशाक तोंड कर्पाचें प्रतिकात्मक जैत दाखयता. जाल्यार शिवदासाचे भाटकार कथेंत रामा गावडेचो चलो रमेश आपणाक घर बांदूक दिना आनी आनी पारे मोडून घाल्ता तेन्ना भाटकाराचोच खून करता. पूण हांगा तो खून सगळे कुळवाडी आपल्या आंगार घेतात " आमी सगळ्या गांवकारानी भाटकाराक जितो मारला. आमी खुनी... आमी खुनी...गांव खुनी... न्हय रमेश..."(गळसरी ७३) ह्या दोनूय कथा भितर जर पळयत जाल्यार भाटकाराचो खून हें शिवदासाचें प्रतीक आमकां भोवजन विद्रोह दाखयतना दिसता.

मनशाक भूक ही खूब म्हत्वाची. ह्या भुकेचो जर विचार करत जाल्यार तीन तरांनी करूं येता तातूंत शारिरीक भूक मान्सीक भूक आनी पोटाची भूक ह्यो तीन मुखेल भुको म्हण पळोवंक येता. ह्या तीनय भुकांक लेखक आपल्या कथांनी घोळयतना दिसतात. तातूंतली पयलीच भूक म्हणजे शरीराची भूक. ह्या भुकेंत मनीस मनिसपणांचें नातें विसूंक शक्ता. ताका आपल्या ह्या भुके मुखार कोणच दिस्ना नायक हाच्यो उच्चाबळ, बळजबरी ह्यो कथा हे भुकेचें वासतव दाखयतात जाल्यार शीवदास हाची मीराचो भावोजी, आनी राज्योगी, ह्यो दोनय कथा ह्या संद्रभांतल्यान आपल्यो भुमिका मांडटात. उच्चाबळ ह्या कथेंत प्रकाश कुळागरांत इंदू आनी अंजनी ह्या दोनय कामेऱ्यांक पळोवन आपल्या शारिरीक भावनांचेर तांबो दवरूंक शक्ना. हाका

लागून तो आपल्या भयणिचेरूच हात घाल्ता. म्हणजेच शोश्काक जेन्ना शोशीत वर्गाचेर आपलो हक्क दाखोवंक मेळना तेन्ना तो भार्तीय संसकृतींत दिल्ले नातें संबंदय विस्रता. जाल्यार मीराचो भावोजी ह्या कथेंत शीवदास मीरा आनी ताच्या भावोजी मदले संबंद दाखोवन तेंय नाते संबंद कशे विस्रतात ते दाखोवन दिता. जाल्यार बळजबरी ह्या कथेंत, गाढव गायचे फाटल्यान लाग्ता तेन्ना प्रत्यक्षांत काय घडू नासतनाय पुराय गांवसभा जाता ह्या सभेंत शोशक म्हणजेच दादी सगळ्या मुखार आपूण सत्याचो दयेचो न्यातो जावन न्याय दिवपी जाता. पूण रातीच्या काळखांत गरीब, दुरबलतेचें आनी शोशितांचें प्रतीक आशिल्ल्या जनीक आपली मलमत्ता आशिल्ले वरी भोग्ता. जाल्यार राज्योगी ह्या कथेंत ढोंगीपणा कर्पी स्वामी सगळ्या हुज्रां देव धर्म कर्पी जाता. सगळ्यांक पावपी जाता पूण इतलें की ताका कोणेंय तो भोगी, जावं सूख भोगी म्हण सागिल्लें जाल्यार कोण विश्वासय दवरचो नाशिल्लो. पवित्र धर्मकाऱ्याचे नांवा खाला कमल जे ताचे नद्रेंत पडटा ताचे कडल्यान ही भूक भागयता ह्या दोनय कथानी आमकां शोशक आनी शोशीत दिसतात दोगय पुरूश प्रदान संसकृतायेचे प्रतीक जावन मुखार येतात दोगाय कडेन समाजांतल्यो मानाच्यो सुवाती आसात. आनी ह्यो स्त्री जर पळयत जाल्यार भोवजन समाजाचें प्रतिनिधित्व करतात.

दुस्री भूक येता ती मान्सीक भूक. दोनय लेखक मनशा मनशा मदली मान्सीक भूक दाखोवंक यशस्वी थारल्यात अशेंच म्हणचें पडटलें. नायक हांची 'ओळोक' ही कथा ह्या मान्सीक भुकेची एक बरी देख म्हण पळोवंक येता. 'काजुलो' हो बस ड्रायव्हर लेखकागेर जेवणाक येता. लेखक ताचो इश्ट जाता. ह्या इश्टागतींचें जेन्ना भावनीक नात्यांत रुपांतर जाता तेन्नाच ताच्या घरांत काजुलो म्हार म्हण कळटा. भार्तीय जाती वेवस्था इतली खर आसा ती फकत ब्राह्मण क्षत्रीय वैश्य शुद्र ह्या पुर्तीच मऱ्यादीत ना जाल्यार शुद्रां शुद्रां मदी आनी शुद्र अती शुद्रां मदीय हो भेद खूब प्रखर प्रमाणांत दिश्टी पडटा. देखूनच कजुलो म्हार म्हण जेन्ना घरांत कळटा तेन्ना ताका वाडटना आदी आस्पी स्टीलच्या चकचकीत ताटा सुवातेर पत्रावळीचें पान येता. हे पान म्हणल्यार फकत थंय घेतिल्ली सुवात न्हय, तर लेखक आनी काजुलो हांची मान्सीक पातळेचेर तयार जाल्ल्या नात्या मदलें अंतर अशें म्हणू येता. हाचो लेखकाचेर इतलो परिणाम जाल्लो दिसता तो चौकांत धावन येवन हातुरणार पडून हुडक्या हुडक्यानी रडटा आनी "काजुल्या, काजुल्या तूं म्हार कित्याक जालो रे ...?" (मुठय पान- ८) " हे वाक्य एकाच वांगडा भार्तीय जात वेवस्थेचें दर्शन घडयतनाच काजुलो आनी लेखकाचें मान्सीक नातें कितलें घट्ट आशिल्लें ताचो दिश्टावो घडयता.

जाल्यार शिवदासाची 'माय फसट एणड लासट क्लायंट' ही कथा घर संवसार ह्या भावनेक मुखिल्लो क्लायंट काज्मिरो मोंतेराक कडेन पावता आनी सांग्ता "/यू नो आय वोट ए होलिडे होम एणड ए फेमिली केर्टेकर फेमिली " (माय फसट एणड लासट क्लायंट पान- १३९) म्हणत ते मान्सीक सूख सोदपाचो यत्न करता. कारण ताचे कडेन पयसो आसा आनी ताणें विकत घेव येता तें दर एक सूख ताणें घेतला तो भोंडेकारा वरी भोंवल, स्त्री सूख जाय तशें घेतला पूण ताका हातूंत मान्सीक सूख खंयच मेळना एक आदार दिवपी, मनाक विसव दिवपी फामील ताका मेळना पूण जेन्ना मोंतेर ताका आपूण एक आत्मविश्वास दिता आनी ताका आपूण ताचो भुर्गो म्हण भावनेचो स्पर्श दिता तेन्ना तो "आय एम नोट युव्हर क्लायंट? यू आर .. माय..." (पान १४१) म्हणटा हीं उत्रां ताची मान्सीक भूक भागिल्ल्याची देख आसात एक लेखक दुख्खात करून कथेचो शेवट करता जाल्यार दुस्रो लेखक सुखात्मीकेन कथेचो शेवट कर्तना दिसता.

हातूंत तिस्री भूक येता ती पोटाची भूक वेत भर पोटाची खळगी भर्चे खातीर मनीस खंयच्याय थरार वचूक शक्ता. आनी तीच भूक जर जबाबदारी पेल्पाची आसत तर तातूंत आनीकय खरताय दिसता. गरीबी बेकारी हीं ह्या भुकेची मूळ कार्णां आसतात. ह्या भुकेक चडशे फावटी बळी पडटा तो भोवजन समाज, ह्याच प्रतिकात्मकतेंतल्यान आयल्ल्यो कथा म्हणल्यार नायकाच्यो खळ आनी कासय ह्यो कथा. खळ हे कथेंत दुगेबाबल्या शेतातांत मळणी चल्ता. घरांत उपाशी आशिल्ल्या भुर्ग्यांक पोटाक मेळटलें आनी खंयच काम नासून पांगो खळार येता. थंय तो दीसभर काम करता, पूण खळ करूंक ना म्हण ताका दिसवडो दिना. तो जेन्ना खोंपीत पावता तेन्ना भुर्गीं पोट जम्नीक लावन न्हिदिल्लीं आसतात. ते पळोवन तो खळा वयल्यान एक पोती घेवन येता आनी जेवण करून भुर्ग्यांक वाडटा. पूण दुस्रे दिसा जेन्ना खळ जाता तेन्ना ताच्या मन्सीक परिणामांतल्यान तो पिसो जाता. जाल्यार कासय कथेंत आयिल्ल्या खार्वी समाजाचे मान्यताये प्रमाण हो समाज केन्नाच कासय खायना जावं विक्ना. कासय हें बर्कत दिवपी प्रतीक आसा. ती खावप जावं विकप म्हणल्यार दळदीर घरांत येवप. अश्या वेळार वासूच्या घरांत अठरा विश्व दळिद्र आसुनय आनी घरांत बायल भुर्गीं उपाशी आसुनय तो मेळिल्ली कासय चिर्प्यांक विक्ना. तिका घरा हाडटा तिची पुजा करता. पूण तिन्सांज जाता तेन्ना सकाळ धऱ्यां चुलींत पेटूक नाशिल्लो उजो ताका आपल्या दळिद्रपणाची जाणीव करून दिता आनी हाकाच लागून मोन्यानी तो कासय व्हरून चिर्प्यां म्हऱ्यांत उडयता आनी आपलो हात मुखार करता. जाल्यार शिवदासाली भूंयकाप कथा परत गरीबी आनी भूक हाचेर उज्वाड घाल्ता. बाबलो

जो कितलेशेच दीस काम नासतना उपाशी आसा. सूऱ्या सार्केल्या मनशा कडल्यान रीण घेतलां. अश्या वेळार ताचे कडेन राम्राय गांवकाराच्या मर्णाची खबर घेवन सूऱ्या येता आनी मर्णाच्यो विधी कर्पाक बाबलो वता. थंय मेळिल्लो पयसो घेवन तो भूक क्षमोवपाची सपना पळयत कोणाक कांयच वांटो दिना आसतना थंयच्यान कूस मारता. पूण वाटेर ताका मारून ताचो पयसो सूऱ्या लुट्टा आनी परत ताका भुकेच्या खरतायेची जाणीव करून दिता. ह्यो तिनय कथा ह्या भुकेची तिवरताय. दाखयतात देव देवसकी, मान्यतायो एके वटेन आनी भूक एके वटेन तागडेंत घालत जाल्यार भुकेचेंच पार्डें चड जड आसतलें. हाची जाण करून दिवपी ह्या कथा थारतात. मनीस ह्या प्राण्याक जर शारिरीक भूक लागत जाल्यार ताच्या मुखार ऊरता ती नर जावं मादी, जर ताका मान्सीक भूक लागत तर तो हतबल जावं येता आनी वेतभर खळगेचो जर प्रस्न आसत जाल्यार तो लाचार जावं येता हें वयल्या कथांतल्यान दिसता.

संवसार श्रद्धेचेर चल्ता पूण तेच श्रद्धेक जेन्ना दोळे धापून पळोवप जाता तेन्ना अचळय ती मारक समाजाक थारूक लाग्ता. गोंयांतय अंध्विश्वास दिसतात देखून दोनय लेखक आपल्या कथांतल्यान अधंश्रद्धेचेर उज्वाड घाल्ता 'म्हज्या जल्माची गजाल" ही कथा अश्याच अंध्विश्वासाचेर आसा. तीन दोळे घेवन जल्मक आयिल्लो भुर्गो शंक्राचो अवतार मानतात हो प्रचार ताची स्वताची आव्यच करता. आनी गांवांतले तशेंच पयस पयसुल्ले लोक ताच्या दर्शनाक येतात इतलेंच न्हय जाल्यार ताका तपासपाक आयिल्लो दोतोर जाणें विज्ञाननिश्ठ नदर दवरूंक जाय, जाका खबर आसा तो भुर्गो जगचो ना म्हण तोय श्रद्धेन पयशे दवरता. जाल्यार त्या भुर्ग्याचो बापूय जेन्ना त्या भुर्ग्याचो रंग पळयता तेन्ना मीण करून हो देव जाला तुगेर अशें म्हणटा. नर आनी मादी संबंदातल्यान भुर्गें जल्माक येता हें वैश्वीक सत आनी विज्ञान. खंयचोच बाबा हो सृश्टी नेम बदलूक शक्ना. पूण भुर्गें जावपाची ओड बायलेक खंयच्याय थरार व्हर्पाक शक्ता शिवदासाचे 'मध्यान राती एक दिव्य पुरूश' हे कथेंत परत ढोंगी बाबाच्या भकीक पडून अंध्विश्वासांतल्यान बाबच्या शारिरीक भुकेचें बळी पडिल्लें रत्ने दाखयलां.

भार्तीय समाज रचना बायलेक आपल्या काम वास्ने विशीं उक्तेपणान उलोवंक दिना. तिणें समाजांत रावतना मऱ्यादशील रावचें तिका घोव कसोय आसल्यार ताचे सांगाता रावचें ह्यो समाजाच्यो भावना. दोनय लेखकबायल मनशेच्यो Sexuचीट Jesiडीle मांडटना दिसतात 'एक माड हुमटतना' ह्या शिवदासाच्या कथेंतलें साल्सांव आपल्याक भाटकाराचो चेडो ताका जेन्ना आपूण लायक करता म्हण सांग्ता

तेन्ना आपल्यो शारिरीक भावना उक्तेपणी व्यक्त कर्तना दिसता. जाल्यार 'पाज्जा' कथेंतली विठाबाय जिचो घोव तिका भुर्गी सोडून काय दिना ते भायर तिका काम करून पोस्पाक लायता ती सदिका बरोबर पळून वता. तशेंच 'माड' कथेंतले साळू मिनाखाणीर रेस्पदान रावता. पूण रातची ड्रायव्हराक आपली कूड स्वखोशयेन दिताना दिसता. हातुतल्यान भोवजन स्त्री ही चड धिटायेची आसा हे दिसताच तेच वांगडा आपल्या Sexuचीट जesiडीlerा विशी उक्तेपण दाखयतना दिसता.

भोवजन समाजांतली स्त्री ही उपेक्षीत स्त्री मदी आनी एके पांवड्यार उपेक्षीत जाता ती म्हळ्यार उच्च वर्गा कडल्यान तिचें जावपी शोशण मदी मोने मान्यान ? नली, आडवण कथेंतलें शालू ही पात्रां जांचें शोशीत वर्गा कडल्यान शोशण जाता ही पात्रां कोणाच्या तरी घरांतल्यो वावराड्यो ताच्या वावराक मोल ना. देख घेवचीच जाल्यार 'अंत एके जिणेचो' कथेंतलें नली भाटकारागेर दिस्रात काम कर्पी नलिचें जेन्ना लग्न थारता तेन्ना भाटकान्नीन कितें घाला ह्या प्रस्नाक दोन पवनाची सर्पळी- आकान जाप दिली. आनी कितें? हांवें मात्सो आवाज वयर कडीत विचारलें एक दोड दोन तीन कापडां, आनी दोन चार बारीक आयदनां आकान सांगलें म्हणजे आव्य धूव दोगांय जाणां त्या घरांत इतली वर्सा वावुरतालीं ताचें फळ इतलेंच ( पान ९५ गळसरी) हे शोशण उच्च वर्गाकडल्यान जावपी शोशण. हे भायर घोवा न्हय न्हय तें आयकुवपी अर्दुकांतली उर्मिला, दादी कडल्यान अत्याचार सोस्पी जनी, यादू लग्न जातलो ह्या आशेर रावन ताका शारिरीक सूख दिवपी 'भोळे' कथेंतलें भोळें जाचें यादून केल्लें शारिरीक शोशण, 'काणी एका माज्राची' ह्या कथेंत आपल्या माना खातीर पुरूश्परदान सत्तेचें प्रतीक जावन आव्प्पण दिना आसतना आपल्याच भावजयेचें रघून केल्लें शोशण हें स्त्री उपेक्षीतां मदींय उपेक्षीत ऊरता हें ठळकपणान दाखयता.

हे भायर दोनय लेखक आपल्या साहित्यांत शिक्षण हो मुकेपणान मुद्दो घेताता दोनय पुसतकांचो उज्वाडणेचो काळ पळयत जाल्यार गोंय स्वातंतऱ्य जावन थोडोसो काळ लोटला गोंयांत भाउसायब बांदोडकर हांणी गांवांगांवांत शाळा पावोचे खातीर सर्कारी पांवड्यार यत्न केल्यात आनी गांवांगांवानी सर्कारी मराठी शाळा सुरू जाल्यात ताचो संद्र्भ ह्या दोनय लेखकांच्या साहित्यांत दिसता फकत शिक्षण न्हय जाल्यार ते उपरांत जाल्ले भोवजन शिक्षकय आमकां शिवदासाचे कथांनी दिसतात.

मोग ही भावना आनी तांतूंतल्यान आयिल्लो विरह दोनय कथाकरांनी आपल्या कथांनी मांडला खलाशी, 'आडवण' 'अर्दूक', 'आल्तड पल्तड', 'हांव हरलो हांव जिकलो' ह्या कथांनी दिसता. शीवदास आपल्या 'काळखांतलो गांव' हातूंत वेश्या

वेवसाय 'मेघा' कथेंत स्किझोफ्रेनिया दुयेस, 'आल्तडचो बापूय पल्तडची धूव' हातूंत गोंयचो पोर्तुगीज काळ, 'जैताची एक खेळी' हातूंत क्रिकेट अशे विविधताय घेवन येवपी विशय मांडटा. जाल्यार 'महारूद्र' सार्केली कथा गोंयांत कितल्याश्याच काळा सावन चलत आयिल्ल्या आनी गोंयच्या वासतवते कडेन निगडीत आशिल्ल्या देवळां कोणांचीं ? भौसाचीं काय ब्रह्मणांची ह्या प्रस्नाचेर बोट दवरता नायक भाग्योदय सार्केले कथेंतल्यान राजकी विश्मताय दाखयचा तांतूतल्यान समाजांत चलिल्लो भ्रश्टाचार उज्वाडायता. 'बाजार' सार्के कथेंतल्यान कथेचें फोर्म बदलून कथा हाडटा. जाती वेवस्थे कडेन आदारीत कथा जश्यो 'ओळोक' 'कासय', हीय विशेशताय घेवन येता.

**निश्कर्श-**

* नायक आनी शीवदास दोनय लेखकांनी भोवजन समाजाकडेन सम्रस जावन साहित्य मांडलां दोनय लेखकांच्या कथा आश्यांत भोवजन समाज एक तर मध्यवर्ती आसता. ना जाल्यार शोशक वर्गाचें प्रतीक जावन येता.

* ह्या समाजाची प्रतीकां देखीक खोंप, बैल हीं कथांचीं प्रतिमा जावन येतात

* गोंयच्या संसकृती कडेन, हांगाच्या मान्सिकताये कडेन एक्रूप जावन तांच्यो कथा समकालीन साहित्यांत येतात येता.

* स्त्री उपेक्षीतता, स्त्री शोशण, स्त्री कामभावना हांचेरय दोनय लेखकांनी बरयल्लें दिसता.

* पुडलीक नायक हांचें दोनय संग्रह ग्राम जिवन घेवन निम्न वर्ग भौस चित्रायता जाल्यार शिवदासाच्या गळसरीत ग्राम जिवनांतलो निम्न वर्गी भौस चित्रायता आनी भांग्रसाळ पुसतकांत ग्राम जिवना वांगडाच शह्री मध्यम वर्ग चित्रायता हाचे फाटलें कारण म्हणल्यार त्यो कथा लिखणेचो काळ अशें मानू येता कारण भांग्रसाळ हें पुसतक २१ व्या शेंकड्यांत उज्वाडा आयिल्लें आसा.

**आदारावळ**

१. डो. माद्रेकर, वृशाली. मार्कणडेय एवं पुंडलीक नायक का कथा साहित्य. विद्या प्रकाशन. २०१०.

२. लाड, विभा. हिनदी एवं मराठी महिला आत्मकथाकारों का तुलनात्मक अध्ययन. २०१८ वर्सा गोंय विद्यापिठाच्या हिनदी विभागांत सुपूर्त केल्लो पीएच डी थिसीस.

३. च्यारी, पुर्णानंद. पुंडलीक नायक आनी विजय तेंडुलकर हांच्या वेंचीक नाटकाच्यो तुलनात्मक अभ्यास गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागांत पिएचडी खातीर सादर केल्लो सोद्वावर
४. नायक, पुंडलीक. अर्दूक अपुरबाय प्रकाशन, गोंय १९८९
५. नायक, पुंडलीक. मूठ. सेवा समिती प्रकाशन, गोंय. १९७७
६. एन. शीवदास. गळसरी. रुद्र प्रकाशन, गोंय. दुस्री आवृत्ती २०१६.
७. एन. शीवदास. भांग्रसाळ. अस्मिताय प्रतिषठान , गोंय. २००३.

*** ॐॐॐ ***

# वेबिनार 4



**प्रो|वल्ली क्वाड्रस, मुंबय**

श्रीनिवास युनिवर्सिटी कोलेज ओफ इंजिनियरिंग एंड टेक्नोलोजि हांगासर पद्युत्तर म्यानेजमेंट (MBA) शिकयता. पयणारी.कोमचो संपादक.

# एडवीन जे.एफ.डी’सोज आनी वल्ली वग्गच्या कथेंचेर तुलनात्मक अभ्यास

[चवकट] **चल दोन चंद्रांक**

मटविकाणी म्हळ्यार एका निर्दिश्ट घडावळिचेर आधारीत जाल्लें साहितीक विवरण. एका कादंबरेंत असल्यो यथेश्ट घडावळी आसुयेता पूण एका मटव्या काणियेंत अमकोच म्हळ्ळो शेवोट आसून, काणियेच्या सूरवातेथावन अखेर परयांत वाचप्याक धर्न घेंवची श्याथी आसची उत्रावळ. अशें म्हणून मटविकाणी म्हळ्यार खबरेपत्राची वर्दी न्हय; मटव्या काणियेक अमकीच म्हळ्ळी लांबाय आसा, ती बरंवची अमकीच म्हळ्ळी रीत आसा, जांव बर्पावळिंत, घडावळिंत, बांधावळिंत व मांडावळिंत.

हेच चिंतपाच्या बुन्यादिचेर, कानडी लिपियेच्या मटव्याकाण्येंच्या तुलनात्मक अध्ययनाक दोगां नामणेच्या तशेंच समकाळीन कोंकणी काण्येगारांच्यो विंचणार च्या-च्यार काणियो घेतल्यात. एडवीन जे. एफ. डी’सोजाच्यो; ’बण्णकड्डी’, ’एक कोप हुनोनी कोफी’, ’मोतीक एक पाटो’ अनी ’कागदाची स्त्री’. तशेंच वल्ली वग्गच्यो; ’तांबडें तळें’, ’रान्वटी’, ’हांव भैरा आनी पमेला’अनी ’खांदी खुरीस’ह्या आट काणियांचेर केल्लें हें म्हजें विशलेशण तशेंच तुलनात्मक अध्ययन लेकन.

पारंपरीक विशलेशणांपरीं काणियेची सुर्वात, संपणी, पात्रांची घडावळ, भासेची उत्रावळ हे सर्व अंश मतिंत दवरून हे सकयले प्रमूक प्रकाराचेर एकेक काणियेचें विशलेशण केलां;

* मांडावळ: (काणी मांडून हाडल्ली रीत)
* निरूपण/गूणलक्षण: (काणियेचे गूणलक्षण अनी उत्रावळ)
* कथावसत अनी भांदावळ: (काणियेक घेतल्ली कथावसत अनी ती प्रसतूत केल्ली रीत)
* कथानक आनी द्दश्टिकोन: (काणियेचो तीरळ अनी काणियेगाराचो दिश्टावो)
* संघर्श/विवाद: (काणियेंत पिंत्रायिल्ली भोव संकीर्ण घडी वा हंत)
* संपणी: (अखेर केल्ली रीत)
* मुळावो विशय: (काणियेचो प्रमूक विशय, लिसांव वा संदेश)
* शैली: (बर्पावळ, भास, अलंकार, उपमा, रूपकां)

# [ओळोक] एडवीन जे. एफ. डी'सोज

**ए**डवीन जोसेफ फ्रान्सीस डी'सोज (लिखणे नांव: एडवीन जे.एफ डी'सोज, वासू वालेन्सिया)

१९४८ इस्वेंत मंगळुरांतल्या वालेन्सियांत जल्मल्लो. सां। लुवीस कोलेजिंत BCom शिकप जोडलां. कोंकणी भाशेंत पद्युत्तर डिपलोमा जोडला.

१९५९ थावन कोंकणी साहितीक वावराची सुर्वात करून आज पासोन कोंकणेंत ११० वयर मोटव्यो काणियो, इंगलिशांत १०० वयर मोटव्यो काणियो बरयल्यात. मोटव्याकाणियां शिवाय बळवंत कादंबरिकार, पन्नासांवयर हेर भासेंतल्यो मोटव्योकाणियो कोंकणेक तर्जण केल्यात, लेखनां, अंकणां, कविता बरयल्यांत. वल्ली वग्गच्यो १७ मोटव्योकाणियो इंगलिशाक तर्जण केल्यात. लिपियंतर जाल्ल्यो कोंकणी काणियो अनन्य पत्राचेर पर्गटल्यात.

**संपादन वावर**:
**राकणो**: काणियांच्या विभागाचो संपादक जावन वावर
**अमर कोंकणी**: संपादक जावन वावर
सां।लुवीस कोलेजिच्या कोंकणी विभागाचो कान्यकारी निर्देशक जावन.

**स्वताचे मोटव्याकाणियांचे संग्रह**:
**बेतलेहेम** (१९९६), **केंबेरव्ळी**

हेरांनी संपादन करून पर्गट केल्ले मोटव्या काणियांचे संग्रह:
'Our Favorite Short Stories' (मोटविकाणी: A cup of hot coffee)
'Special Collectors of Reader's Digest (मोटविकाणी: Chocolates)

कोंकणी मोटव्योकाणियो पंजाबी, इंगलीश, काश्मीरी भासेंनी तर्जण जाल्यात. कानडी भाशेंत तर्जण जावन पर्गट जाल्ल्यो मोटव्यो काणियो: **मोतीक एक पाटो** (एम. पी. प्रकाश), **२१५ धारुवाला एसटेट** (गेबरियल अगेरा)

**साहित्य अकाडेमिखातीर बरवन संपादन करून पर्गटल्लो बूक**: Life history of VJP Saldanha

Meet the Author:
साहित्य अकाडेमी देल्ही थावन
कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी थावन

हेरांनी संपादन करून पर्गट केल्ले मोटव्या काणियांचे बूक:
**२०व्या शेकड्याच्यो कोंकणी काणियो** (२००६, सं: वल्ली क्वाड्रस)

मोटव्याकाणियांचेर अंकणां बरयल्यांत, समीक्षा/लेखनां बरयल्यांत, १५ वयर कामासाळां चलवन वेल्यांत. आकाशवाणी गोयां, मंगळूरचेर १५ मोटव्योकाणियो प्रचार जाल्यात.

**मोटव्याकाणियांक लाभल्ले पुरसकार**:
कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमिचो पुरसकार (बेतलेहेम, १९९६)
BAPASI Award (Chocolates)

# [ओळोक] वल्ली वग्ग

**व**लेरियन डी'सोज (लिखणे नांवः वल्ली वग्ग) १९४७ इस्वेंत वग्ग (निर्काण, बंटवाळ) गांवांत जल्मल्लो. मयसूर युनिवर्सिटिंत M.A. (Kannada) पद्‌युत्तर शिकप जोडलां.

१९६४ थावन कोंकणी साहितीक वावराची सुर्वात करून आज पासोन कोंकणेंत १५० मोटव्यो काणियो, कानडिंत ४० मोटव्यो काणियो बरयल्यात. 'तरंग' , 'सुधा ' , 'मयूर' , 'उदयवाणी' , 'प्रजावाणी' पत्रांनी हाच्यो कानडी मोटव्यो काणियो पर्गटल्यात. हाच्यो मोटव्यो काणियो तेलुगू आनी इंगलीश भासांनी तर्जण जावन पर्गटल्यात. रोमी लिपियेंत लिपियंतर जावन गुलोब पत्राचेर पर्गटल्यत.

**स्वताचे मोटव्याकाणियांचे संग्रहः**
**जिन्नी कोणाचें** (१९६६), **सत आनी जिवीत** (१९६७), **धूळ** (१९९००), **खांदी खुरीस** (२०१५).

**हेरांनी संपादन करून पर्गट केल्ले मोटव्या काणियांचे संग्रहः**
फुलां आनी पाकळ्यो (१९६७, संःसिज्येस ताकोडे)
गुलोब आनी साळकां (१९६८, संःसिज्येस ताकोडे)
लारां आनी तारां (१९७०, संःसिरिवंत)
झळक आनी वळक (१९७२, संः आंडऱ्यू मेंडोन्सा)
मोग आनी उतार (१९७२, संः आंडऱ्यू मेंडोन्सा)
तेरा पाकळ्यो (१९९९, संः ग्लेडीस रेगो)
निमाणो गिरायक आनी एकवीस काणियो (२००५, संः मीकम्याक्स)
२०व्या शेकड्याच्यो कोंकणी काणियो (२००७, संः वल्ली क्काड्रस)

कानडी भाशेंत पर्गट जाल्लो स्वताचो संग्रह
हेगल शिलुबे (२०१८)
विंचणार मोटव्यो काणियो पर्गट केल्ले हेर संग्रहः

हन्नेरडू कोंकणी कथेगळू (२००१), विषू (२००१), दक्षीण कन्नडद शतमानद कथेगळू (२००३)

आकाशवाणी मुंबय आनी मंगळूरू चेर एकेक काणी प्रचारीत जाल्या. ‘खांदी खुरीस’ काणी नाटक रुपान धा जाग्यांनी खेळयला. साहितीक स्पर्ध्यांनी इनामां जोडल्यांत, मोटव्याकाणियांचेर कथा, प्रबंध मंडन केलां.

## एडवीन जे.एफ. डी’सोजाच्या आनी वल्ली वग्गच्या कोंकणी मोटव्या काणियांचेर एक तुलनात्मक अध्ययन

**पाटभुंय** (**Background**): साहीत म्हजी आसक्त आनी मोटविकाणी म्हजी पयली आंवड देकून हांव म्हाका एक ’साहितीक अध्ययन कर्पी’ म्हणच लेक्तां. कोलेजिंतलें म्हजें शिकप विग्यान आनी कंप्यूटर प्रोग्रामिंग, पद्युत्तर शिकपात सयत हांवें घेतल्लें ईनफोर्मेशन सायन्स. वृत्तेन हांव कंप्यूटर म्यानेजमेंटाचो ग्लोबल ट्रान्सिशन प्रोजेकट म्यानेजर. पूण म्हजी प्रवृत्ती साहितीक अभ्यास देकून जेदनां म्हाका जोक्तो वेळ मेळता तेदनां आमचें तशेंच हेर देशाच्या, हेर भासेंतल्या साहिताचें अध्ययन कर्ताना म्हाका अशें भगलें; हेर भासेंनी तुलनात्मक रितिचें अध्ययन लेखनां वाचुंक मेळतात पूण एक्षें साठ वर्सांच्याकी चडीत इतिहास आसच्या कानडी लिपिच्या कोंकणी साहित्यांत अजून तसलें एक अध्ययन लेखन कित्याक वाचुंक मेळाना म्हळ्ळें सवाल म्हजेसमोर उभें जालें. ताचेपाटल्यान जवाबयी उभी जाली ’कोणेंय तसलें अध्ययन केल्लें तर वाचुंक मेळतें’ , ’कोणेंय’ म्हळ्यार कोण? हांव त्या ’कोणेंय’ म्हळ्ळ्या वर्गांत आसां? व्हय तर काळोकाक दुर्सोंच्या बदलाक वात कित्याक पेटवंक न्हजो? हेरांचें उणेंपण वा हेरांथंय मेळें सोधुंक चडीत त्रास घेंवची गर्ज ना पूण हेरां थंय भांगार सोधुंक त्रास आसात. हेच चिंत्पाच्या पाटभुंयचेर म्हजें हें अध्ययन घेतलें.

**खोड**: सांगुंक कोंकणिंत पांच लिपियांनी बरयतात, च्यार राज्यांनी ही भास उलयतात पूण प्रामाणीक रितीन विचार्ले तर हांतले कितले वाचतात?

साहीत म्हळ्यार कितें म्हळ्ळें कितलेश्यांक समजणी आसा? कितल्या पत्रांनी साहिताक जोक्तो दर्जो लाभता? सत गजाल ही; आज पासोन चडुणें सर्व पत्रांक साहीत म्हळ्यार फकत लोणचें. ह्या परिगतेंत असलें अध्ययन कोणाक उपकारत म्हळ्ळो दुभाव येता. चडताव संपादक हव्यासी, आनी 'फिर्गज पत्र' चलंवचे वर्गाचे व चिंत्पाचे म्हणतच तसल्या पत्रां थावन चडतीक कितें अपेक्षा करुयेत?

**मटवें प्रस्तावन**: (Brief foreword): कानडी लिपियेंतले चडुणें सर्व बरयणार इसकोलांनी कोंकणी शिकून आयिल्ले न्हय, बगार अपलेस्तकीं वाचून शीकल्ले, हांवयी. जिवीत म्हळ्यार कितें म्हळ्ळें हरेक मनीस शिकून जियेता तशें साहीत सयत जिविताची सावळेपरीं एक रोद; 'बरवन शिकचें आनी शिकून बरंवचें' . एक निरंतर सुधापाची प्रक्रिया जशें डेमिंगाच्या PDCA (Plan Do Check Act सायकलापरीं आसा: RTAW (Read Think Analyse Write) म्हळ्यार वाच, चींत, विमर्सो कर, बरय. हांगासर ज्ये साहिती ह्या च्यारयी हंताचो महत्व समजतात आनी पाळतात, ते मात्र प्रगतिशील साहीत रचुंक सक्तात. देकून पयलें हंत 'वाचप' शिवाय 'बरवप ' न्हय.

अशें हांवें वाचुंक सुरू कर्च्या दिसांनी; साहित्यांत 'मोटव्योकाणियो' म्हजो पयलो आंवड जाल्ल्यान वेवेगळ्या भाशेच्यो कांय हजारांनी मोटव्योकाणियो वाचून आयलां, शिकून आयलां. कोंकणिंत सयत उत्तीम मटवेकाणियेगार आसात. आनी तांतूं म्हज्या पसंदेच्या दोगां बळवंत काणियेगारांच्यो मोटव्योकाणियो विंचल्यात.

एक्षें साठ वर्साच्या सुर्विल्या काळाच्या कानडी लिपियेंतल्या कोंकणी साहित्यांत वाचुंक मेळचें चडताव साहीत धार्मीक चिंत्पाचें वा सांतां–भक्तांच्यो काणियो, मागणीं, वोरेसांवां. विसाव्या शेकड्याच्या सुर्वातेर जुवांव पेद्रू सोजाच्यो मोटव्यो काणियो वाचुंक मेळतात. सां लुवीस इसकोलाचो मेसत्री जावन वावर केल्ल्या जुवांव पेद्रू सोजान हेर भासांथावन कोंकणीक

अनुवाद केल्ल्यो काणियो पयलें पर्गट जाल्यो अनी उपरांत ताणेंच बरयिल्ल्यो काणियो बुकारुपार पर्गट जाल्यो. अजीक कांय शेंभोर वर्साधलो काळ तो.

'कोंकण दीरवें' पत्र सुरू जालें तरयी त्या पत्राच्या सुर्विल्या सभार वर्सांनी वाचुंक मेळचें प्रमूक साहीत धार्मीक चिंत्पाचें जावनासलें. जाव्येत लेखनां, अनुवादां वा समाजीक बर्पां.

कांय एक हजार नोयशीं तीस थावन पन्नास वा साठ (१९३०–६०) इस्वे म्हणासर कानडी लिपियेंत मोटव्यो काणियो किरलल्यो म्हण्येत. वी.जे.पी. सलडान्ह, ए.टी.लोबो, जो.सा.अलवारीस, गब्बू उर्वा, चा.फ्रा.दे' कोस्ता, मोन्सिञोर सिला मिनेज आनी हेरांच्यो मोटव्योकाणियो वाचुंक मेळतात. पूण आयच्या काळाच्या मोटव्याकाणियां समोर तवळच्यो चडताव काणियो एका ल्हान घटनाच्या व घडिताच्या आधारान बरयिल्ल्यो लिसांवाच्यो काणियो जशें भग्तात. पूण चा.फ्रा.दे' कोस्ताच्यो काणियो हाचो अपवाद म्हण्येत. चा.प्रा.च्या काणियांनी समाजीक दिश्टावो, अनिश्ट रिवाजिंचेर केल्लो विरोद वाचुंक मेळता. मूळ एक नाटकिस्त, कवी, पत्रिकोध्यमी जावनासलो चा.फ्रा.दे' कोस्ता, मटवेकाणियांनी सयत गमनान्ह वावर केला. चा.फ्रा.दे' कोस्ताच्या मोटव्या काणियांचेरच अध्ययन चलयतेल्यांक एक आवकास आसा.

पूण कानडी लिपिंतल्यो मोटव्याकाणियो फूलल्लो काळ एक हजार नोयशीं साठ (१९६०) उपरांत. जावंक पुरो सिरिवंत (सिरील जे. वेगस), एडवीन जे. एफ. डी' सोज, वल्ली वग्ग आनी हेर. म्हाका एक वाचपी जावन, ह्या काळाच्या मटवेकाणियेगारां पयकिंत पसंदेचे मटवे काणियेगार; एडवीन जे. एफ. डी' सोज आनी वल्ली वग्ग. दोगयी समकाळीन मटवे काण्येगार जाल्ल्यान हांच्यो काणियोच म्हज्या अध्ययनाक तशेंच म्हज्या तुलनात्मक साहिताक घेतल्यात.

एडवीन जे.एफ. डी' सोजाच्यो मोटव्योकाणियो आनी वल्ली वग्गच्यो मोटव्योकणाणियो दोन दिशेंपरीं. विशिश्ट (Unique) म्हणतच तुलनात्मक

कशें जांवचें म्हळ्ळें सवाल म्हज्याय मतिंत उदेल्लें. हांचें वेक्तित्व सयत वेगळें जशें हरेक वेक्ती विशिश्ट. पूण ह्या विशिश्टतेंत सयत जायतें समानता हांवें पार्किल्लें ह्या अध्ययन लेखनांत दिंवचें प्रेतन केलां.

**आधाराचें चौकट** (Frame of Reference):

१. मोटव्यो काणियो

एडवीन जे. एफ. डी' सोजाच्यो मोटव्यो काणियो:

१ बण्णकड्डी
२ मोतीक एक पाटो
३ काग्दाची स्त्री
४ एक कप हुनोनी कोफी

वल्ली वग्गाच्यो मोटव्यो काणियो:

१ रान्वटी
२ खांदी खुरीस
३ तांबडें तळें
४ हांव, भैरा आनी पमेला

२. शिकप आनी वाचप, वेक्तित्व, काळ, जियेल्लें परिसर

१. **काणियो**: हांगासर एकेक काणी एकामेका तुलन करिना, पूण काणियेंनी काणियेगाराण केल्ल्या उत्रावळिचेर, बांदावळिचेर, कथावसतुचेर, निरूपण, भास, रूपकां, समाजीक प्रभाव, दिश्टावो ह्या संग्तेंचेर म्हजें अध्ययन आसा.

२. **शिकप आनी वाचप, वेक्तित्व, काळ, जियेल्लें परिसर**: हे दोगयी एकाच काळाचे, आनी चडुणें एकाच प्रायेचे. दोगांयनी कोंकणी मोटव्या काणियांची सुर्वात केल्ली एकाच वर्सा तरयी हांच्या पाटभुंय (Background)

म्हळ्यार हाणीं जियेल्लें परिसर, जोडल्लें शिकप, वाचाप कशें हांच्या काणियांनी वेवेगळ्या पात्रांनी दिसून येता म्हळ्ळें अध्ययन आसा.

**तुलनाची बुन्याद** (Grounds for Comparison):

एक हजार नोयशीं चाळीस साठ (१९६०) इस्वेथावन कानडी लिपियेंत जायते बरवपी उदेले मात्र न्हय, कानडी लिपियेच्या कोंकणी साहित्यांत महत्वाची देणगी दीवंक सकले. हाचें कारण; एक–दोन दाकड्याधीं पयणारी, मित्र, झेलो, राकणो आनी थोडीं हेर पत्रां आयलीं. एका समाजेच्या वैचारीक भलायकेची गवाय त्या काळाचें साहीत. आनी साहीत आटापचें माध्यम पत्रां. देकून ह्या काळार चड करून लांब काणियांक, नवालिका/कादंबरिंक भर्पूर खायस आसलो जाल्ल्यान मोटव्याकाणियांची कृशी तितले मापान जावंक ना. पूण चा.फ्रा.दे’ कोस्तापरीं, सिरिवंत, आनी विलफी रेबिंबस सयत लांब मोटव्यो काणियो बरवंक लागलो.

हेच्च काळार एडवीन जे. एफ. डी’सोज कोंकणी साहित्यांत वेगळ्याच प्रकाराच्यो, शैलेच्यो, चिंत्पाच्यो मोटव्यो काणियो बरवंक लागल्यो. एडवीन मंगळूर शेरांत ताच्या आवय–बापायचो एकलोच पूत जावन जल्मोन व्हड जाल्लो. इंगलीश माध्यमांत शिकून चड करून इंगलीश साहीत वाचून आयिल्लो जाल्ल्यान ताचें चिंतप तशेंच साहितीक अभिव्यक्ती तेच्च मट्टाची जावनासली. सादे वाचपी चड करून हें साहीत जिरवंक सकानास्ताना एडविनाच्या बर्पांनी ’मातियेची मूर ना’ म्हळ्ळ्यो खोडी काडिलागल्यो. ह्यो खोडी दूरदृश्टी वा साहितीक दिश्टावो नातलेल्यांच्यो खोडी. ह्या चिंत्पांक साहितीक स्थरार मान ना, साहितीक स्थरार एडविनाच्यो मोटव्योकाणियो खंडीत हेर खंच्याय समाजेक प्रसतूत म्हण दिसचेतसल्यो. कथावस्त धरून, ती केल्ली बांदावळ, भासेची उत्रावळ, अपूट साहितीक नदर आनी सांगुंक जाय तितलें सांगचें लिपवंक जाय तितलें लिपंवचें सर्व एका संकीर्ण साहिताचे अंश. कानडी लिपियेच्या मात्र न्हय, कोंकणिच्या सर्व लिपिंतल्या मोटव्या काणियांचेर अध्ययन जाताना एडविनाच्यो काणियो खंडीत तांतूं घेंवचें सूक्त म्हळ्ळी म्हजी खासगी पात्येणी आनी भर्वसो.

**वेक्तित्व**: एडवीन जे. एफ. चिंत्नान तशें बर्पान शीदा (Direct/Blunt) आनी स्पश्ट (Clear). ना–जांक (No Nonsense) वेक्ती जाल्ल्यान सभारांक तो एक कडक मनीस म्हण दिसत पूण तितलोच काळजांत मोवाळ आनी शांत स्वभावाचो जेंटलमेन बरवपी.

**शिकप**: एडवीन जे. एफ. इंजिनियरिंग शिकुंक गेल्लो तरयी, मधेंच तें सोडून बी.कोम पद्वी आपणावन, उपरांत पर्गांवांत वचोन एका प्रतिश्टीत तेलाकंपणेंत जायतीं वर्सां वावर करून आयलो. हाचें वाचप चड करून इंगलीश भाशेचें जाल्ल्यान हाच्यो कांय पन्नासांलागीं काणियो इंगलिशांत पर्गटोन आयल्यात.

वल्ली वग्ग मंगळूर शेराथावन कांय चाळीस–पन्नास मैलां पयसिल्या ग्रामीण परिसरांतलो. कुटमांत मालघडो जाल्लेनिमतीं ताच्या हेर भाव–भयणिंची सयत काळजी कर्ची मुळावी जवाभदारी ताच्या बापाय उपरांत हाचीच जावनासली. कश्टी मिनती परिश्रमाचें परिसर. रान–घाटाच्या मुळांतलें जिवीत. कृषी प्रमूक व्याप्त म्हणतच सर्व काळार एक न्हय एक काम आस्तालेंच. ह्या मधें साहितीक वोड येजय तर ती फकत हव्यासी वोड आसुंक साध्य ना.

**वेक्तित्व**: वल्ली वग्ग शिसतेचो शिपाय तरयी कठीण मोवाळ संयबाचो वेक्ती. कोणें कितें सांगल्यारी आंगार उडचो वा जापी दीवंक वचो न्हय. भोव संवेदनशीळ बरवपी.

**शिकप**: वल्ली वग्गन एम.ए. परयांतलें शिकप (पद्‌युत्तर) जोडलां पूण वृत्तेन तो एक इंजिनियरिंग वर्कशोप (उध्यम) चलवन जायतीं वर्सां काम केलां. हाचें वाचप चड करून कानडी भाशेचें जाल्ल्यान हाच्यो कांय पन्नासांलागीं काणियो कानडी पत्रांनी पर्गटोन आयल्यात.

# प्रबंध

[हें अध्ययन लेखन बरयताना एक संगत सुटावी सांगुंक आशेतां; एका साहितीक विध्यार्थी जावनासच्या म्हाका एडवीन जांव वल्ली वग्ग जांव, आदर्श काण्येगार, हांवें मेचवल्ले कोंकणी मटव्ये काणियेगार. हांगासर म्हजो शेवोट हांच्या काणियांचेर अध्ययन कर्चो शिवाय तांच्या अनभोगाक जांव तांच्या चिंत्पाक जांव, तांच्या बर्पाक जांव मापचो भिल्कूल न्हय. तांच्या वा हेरांच्या बर्पांक मापचेतितलो व्हड हांव जावंक ना. हरेका वेक्तिचो स्वभाव, चिंतप, शिकप, दिश्टावो तशेंच अभिव्यक्ती वेवेगळी. ती म्हज्या चिंत्पाक वा अभिव्यक्तेक ताळ पडाना जायत पूण तांतूं खंयचें बरें अनी खंयचें खोटें म्हळ्ळो निर्णय (Judge) कर्चो म्हजो इरादो भिल्कूल न्हय. पूण म्हजे विचार ते म्हजेच विचार देकून सुटावे करून सांगचो म्हजो कायदो म्हणून मांदून घेतां.]

एकाच भागिंत गुलोबाचें झड आसा, दस्मिफुलाचें झडयी आसा तर. त्या बागिचो माली एकलोच, दोनयी झडांक उज्वाड दिंवचो सूऱ्यो एकच, वोतचें उदक एकच, सेंवची माती एकच, सेंवचें वारें एकच म्हणून कांय गुलोबा झडांत दस्मिचें फूल फुलाना वा दस्मिफुलाच्या झडांत गुलोब फुलाना. हें स्वाभावीक. जशें एकेक झड विशिश्ट/वेगळें तशेंच एकेक वेक्ती वेगळो; जशें चिंत्पान, विचारांत वा कर्नेंत या स्वभावांत.

एकाच आवयचीं भुर्गीं सयत एकाच गुणाचीं वा स्वभावाचीं आसानांत म्हणतच एकाच भाशेंतले, एकाच काळाचे बरवपी कशें एकाच स्वभावाचे आसुंक साध्य? देकून वेवेगळ्या चिंत्पाचे, प्रकाराचे पूण कोंकणी मोटव्याकाणियेच्या शेतांत अपलें स्थान रुतां केल्ल्या ह्या दोगांय काणियेगारांच्या काणियेंचेर हांवें जायतो विचार करून जिरवन घेवन विश्लेषण करून अध्ययन लेखन बरयलां. एडविनाची 'एक कोप हुनोनी कोफी' काणी, स्वता एडविनान चलयिल्ल्या मोटव्या काणियेच्या कामासाळाक हांव जाहर जाताना हांव वोंटार मिशियो फुटोंक नातल्लो तर्नाटो. पूण म्हजी चड वोड कानडी मोटव्या काणियांचेर आसली, एका दिसा म्हाका वाचुंक मेळ्ळी 'केंपू सरोवर' , पयलें ती काणी वाचली, काणी खरीच म्हाका पसंद जाली, उपरांत त्या काणियेच्या बरवप्याचें नांव वाचलें, तांतूं आसलें; कोंकणी मूल हागू अनुवादः वल्ली वग्ग. हो उल्लेक हांगासर कित्याक म्हळ्यार, दोगांयच्यो काणियो म्हज्या साहितीक भुर्ग्यापणार थावन हांव वाचून आयलां.

दोगयी कोंकणेचे दिग्गज/मानाय काणियेगार. एकलो पडला दिशेचें चिंतप हाडतलो तर दुस्रो मुडला दिशेचें चिंतप. समाजीक आटोव दोगांयच्या काणियांनी आसा, तांत्रिकतेंत दोगांयचीय स्वतंत्र शैली. भासेच्या उत्रावळिंत, पात्रांच्या बांदावळिंत, काणियेच्या मांडावळिंत दोगांयकयी आपापली म्हळ्ळी शैली आसा. दोगांयच्या काणियांनी विभिन्नता तशेंच वैविध्यता (Variety) आसा. जांव ती कथावसतुच्या विंचवणेंत, ती प्रसतूत कर्च्या रितिंत, उभजंवच्या वा रसच्या पात्रांत वा तांच्या संभाशणांनी. साहितीक स्थरार एडविनाच्यो काणियो हेर भासेंनी चड प्रसतूत दिस्तात पूण वल्ली वग्गच्या काणियांनी आमच्या चड साद्या लोकांनी अपल्यो कर्न घेंवची श्याथी चड करून आसा. एकलो (Class writer) आनी दुस्रो (Mass writer). एका समाजेंत ह्या दोनयी प्रकारांची गर्ज आस्ता. फकत साहितीक वर्तुलाक न्हय, हेर प्रकारांत जशें संगीत, कला, जानपद, फिल्मां, राजकीय, समाजसेवा, शिक्षण वा हेर प्रकारांनी सयत ज्या समाजेचो लोक जर स्वीकार करिना तर त्या कलाकाराची कला (साहीत, संगीत....) बाळवना. तशेंच ज्या समाजेची कला उत्कृश्ट मापान आसाना तेदोळ म्हणासर एका भाशेंतले अन्येका भाशेक वचुंक सकाना.

आयलेवार मराठी भाशेंत भोव फामाद जाल्लें पिंतूर 'सायराट' कांय भाराताच्या सात भाशेंनी डब्ब/रिमेक जालां. ही व्हडवीक मराठी समाजेक, मराठी भाशेक, मराठी फिल्मांक फावो. हेच्च स्थरार एका समाजेची कला अन्येका समाजेक पावुंक दोनयी (Mass & Class) प्रकार भोव गर्जेचे.

एका मोटव्याकाणियेचे शेवोटचे प्रेक्षक कोण? (Who is the target audience for a short story?) हें सवाल उभें केलें तर, हाची जवाब कसली आसत? हेंच सवाल भोव वाजबी सवाल. हरेक काणी हरेक वर्गाच्या वाचप्यांक खायस जाता, जायजयच म्हळ्ळें ना. साहीत एक वेगळेंच अमाल. हांगासर तान लाग्ता म्हणून एकलो एक पिवन पियेत, दुस्रो अन्येक पिवन पियेत, तिस्रो फकत उदक पियेत. ती त्या त्या मनशाक फावो जांवच्या उपलब्देचेर होंद्वोन आसता. पूण तान लाग्ता म्हणून कोणयी उंडो सोधिना. साहितीक आमालयी तेंच, एकलो मोटविकाणियेंत जी दादोसकाय लाभता ती तो हेरांत घेवंक सकाना. तर हे प्रकाराचे वेवेगळे वाचपी कोण?

* सादो वाचपी – जो फकत एका मोटव्याकाणियेंत मनरंजन सोधता.

* हव्यासी वाचपी – जो अपल्या वाचपांत नवें (नवो अनभोग, नवें कल्पन) सोधता.
* वैचारीक वाचपी – जो एका मोटव्याकाणियेनिमतीं ताचे विचार कितले प्रभावकारी चिंत्पाक इडें करून दितात म्हळ्ळें चिंता.
* विमर्शक/विशलेशक – जो एका मोटव्याकाणियेंत आसचें बरें-वायट पळेता, पार्किता आनी सवालां कर्ता.

हांगासर वयर कळयिल्ले च्यार वा चडीत प्रकाराचे वाचपी सर्व एकाच शेवोटाचे वाचपी न्हय. कोणाक फकत मनरंजन जाय देकून काणियेंत बापूय पुताक लगाड काडीत तरयी तो एका काणियेपरिंच घेता शिवाय हेर कितेंच चिंतुंक वचाना, तिच्च काणी जर तीसऱ्या वा चोवत्या वर्गाचो वाचपी वाचीत तर तो सवाल कर्ता, समाजीक प्रभावाचेर, समाजीक जवाभदारेचेर सवाल कर्ता. अखेरीक ही एक काणी, एका काणियेगाराची एक कृती, एक कल्पन एका काणियेरुपार अभिव्यक्त केल्लें शिवाय हें एक लेखन न्हय. वर्दी न्हय वा संख्याशासतीर न्हय.

वल्ली वग्गच्यो काणियो साद्या वाचप्यांक चडीत खायस जावंक अन्येक प्रमूक कारण जावनासा ताच्या काणियांनी पात्र जांव कथावस्त जांव, सन्निवेशां वा परिसर जांव, एका न्हय एका रितीन लोकाक संपर्कीत (connect) जातात. जेदनां एका वाचप्याक, एका समाजेक एक काणी अपली कर्न घेंवची पडता तेदनां त्या काणियेचो काणियेगार सयत अपापीं अपलो जाता. वल्ली वग्ग एक लोकामोगाळ काणियेगार. चा.फ्रा.दे’ कोस्ता  लोकामोगाळ न्हय. पूण साहितीक दर्जो दोगांयकी लाभता तरयी, साहितीक दर्जेंत दोगां पयकिंत एकाची विंचवण साहितीक स्थराच्या आधारान कर्ताना चा.फ्रा.च्यो काणियो विंचोन येतात.

एडविनाच्यो काणियो लोकामोगाळ न्हय म्हणून न्हय. साहितीक अभिरूच आसच्या हरेका बुध्वांत वाचप्यांक एडविनाच्यो काणियो भोव चड आंवडचे तसल्यो. वयर कळयिल्लेपरीं सर्व च्यार वा चडीत प्रकाराचे वाचपी एक समान न्हय. कांय पयल्या प्रकारार पन्नास ठक्को वाचपी आसतीत, बाकिच्या तीन प्रकारांनी पन्नास वा उणें ठक्को लोक आसत. पूण साहितीक कामासाळां आनी अधयनांनी साहितीक दर्जो प्रमूक. एका भाशेंतलें साहीत हेर भासेंनी तर्जण जातास्ताना एक अन्ह जांवचें

मापदंड (Qualifying criteria) आस्ता, थंयचर खंयची काणी कितल्या भासेंतल्या वाचप्यांक पावुंक सक्ता म्हळ्ळ्याचेर होंद्दोन आस्ता.

वल्ली वग्गच्यो 'रान्वटी' जांव 'तांबडें तळें' जांव, ह्या काणियांनी लोकाक भर्पूर मनरंजन दिंवचे साहेत आसा. आंगाची लोंव उभी कर्ची श्याथी ह्या काणियांनी आसा. दोनयी काणियांनी दिसोन येंवचें परिसर काणियेगारान ल्हानपणार थावन जियेवन आयिल्लें परिसर जाल्ल्यान तो त्या परिसराचे एकेक संद समजला जाल्ल्यान ती काणी वाचलेल्या वाचप्याच्या मतिंत सयत ताचो छाप/इमाज खंचता.

एडविनाच्यो 'बणकड्डी' जांव 'मोतीक एक पाटो' जांव, ह्या काणियांनी पुर्तें शेराचें जिवीत आसा, परिसर आसा जें परिसर काणियेगारान जियेवन आयिल्लें परिसर. पूण ह्यो दोन काणियो वाचप्याच्या मतिंत दोन दिशेच्या चिंत्पाक उभजयतात.

वल्ली वग्गच्यो 'खांदी खुरीस' अनी 'हांव, भैर आनी पमेला' काणियो दोन वेवेगळ्या प्रकाराच्यो; एकांत धार्मीक लेपाचें समाजीक चिंतप आसा तर अन्येकां◌ंत मोगाचें आमाल. पूण दोनयी काणियांनी जिण्ये संघर्श दिसोन येता. काणियेंतले पात्र आमचेपयकिंतले म्हळ्ळें चिंतप वाचप्याच्या मतिंत उभजाशें कर्ता.

एडविनाच्यो 'एक कोप हुनोनी कोफी' आनी 'काग्दाची स्त्री' काणियो सयत दोन वेवेगळ्या प्रकाराच्यो; एकांत सेमी अरबन जिविताक उत्रोण कर्चें संघर्श तर दूसऱ्या काणियेंत मिसतेराचें अमाल आसा.

हांगासर दोगांयच्याक एकेका काणियेच्या एकेका कथावसतूक जांव, एकेका पात्रांक जांव, एकेका सन्निवेशांक जांव, एकेका विवरणांक जांव तुलन करुंक वेची गर्ज ना पूण जेराल रितीन तुलनाक दोदोन काणियो घेतां;

**बण्णकड्डी** (एडवीन जे. एफ.) आनी **रान्वटी** (वल्ली वग्ग)
– ह्या काणियांनी सामान्य जावनासा काणियेचो प्रमूक पात्राचो भुर्गो. पूण काणियेचीं नांवां वेगळीं. हे पार्श्वभुंय (Backdrop) पात्र पूण काणी विणल्या एका भुर्ग्याचेर. पयल्या काणियेंत जुवांव बाप्तिसत आनी दुस्रे काणियेंत हेरी. दोनयी काणियेंतले बापूय पळेया;

– जुवांव बाप्तिस्ताचो बापूय कुल्कार पूण मयपासी आनी मोवाळ उलवपाचो खुशाली स्वभावाचो. हेरिचो बापूय मोवाळ आनी मयपासी पूण उत्रांनी तो कदक दिस्ता पूण काळजांत मोवाळ. हें अपूट ग्रामीण परिसराचें वेक्तित्व.

– दोनयी काणियेंनी अनाहूत आसा, दोनयी काणियेची संपणी मिसतेराभरीत. तशेंच दोनयी काणियो उग्त्या संपणेच्यो काणियो; म्हळ्यार एक वाचपी अपल्या समजणेपरीं त्या काणियेची संपणी कर्ता. जशें जुवांव बाप्तिस्त मेलोगी? हेरी मेलोगी? रान्वट मनजातीन ताका खेलोगी? म्हळ्ळीं सवालां वाचप्याच्या मतिंत काळभर धोस्तात. आनी जेदनां एका वाचप्याक एक मोटविकाणी चिंतुंक कर्ता तेदनां एक मोटविकाणी जिक्ता.

**काग्दाची स्त्री** (एडवीन जे. एफ.) आनी **हांव, भैरा आनी पमेला** (वल्ली वग्ग)

– ह्या काणियांनी सामान्य जाल्लें चिंतप जावनासा दोनयी काणियांनी शेरांत संघर्श कर्च्या दोन तर्नाट्यांची काणी.

– पयल्या काणियेंत तर्नाटो दैनीक पत्रां विक्ता तर दूसऱ्या काणियेंतलो तर्नाटो घोड्यागाडी चलवन अपलो दीस्पडतो ग्रास जोडता.

– दोगांयचेय संघर्श वेवेगळे पूण दोगांयकयी जिवितांक बरो फुडार जाय म्हळ्ळी आशा आसा देकून मिनत कर्तात.

– दोगांयक एका स्त्री/चलियेची भेट जाता, पयल्या काणियेंत कारांत बसोन आसची काळीं दोळ्यावोकलां न्हेसल्ली बायल आनी दूसऱ्या काणियेंत – घोड्यागाडियेर बसून कोलेजीक वेचें चेडूं.

– दोगांयक एका थराचें आमाल लाग्ता, जाव्येत तें बरया फुडाराचें वा मोगाचें आमाल.

– दोगांय अनाहुताक सांपडतात. पयल्या काणियेंत एकलो रसत्या आवघडांत जीव होगडावन घेता आनी दूसऱ्या काणियेंत तर्नाटो अपलो वयवाट होगडावंक पिसांतूर जाता.

**मोतीक एक पाटो** (एडवीन जे. एफ.) आनी **तांबडें तळें** (वल्ली वग्ग)

– ह्या काणियेंनी समानता ना पूण सामन्य संग्त्यो आसात.

– पयल्या काणियेंत मोती एक पेटो तर दुस्रे काणियेंत कथनायक एक मनीस पूण दोगांयक आसचेम सामान्य म्हळ्यार 'आशा' . मोतीक एका पाटो जाय आसलो आनी कथानायकाक अपल्या कुटमांत तशें सयऱ्यांसमोर 'मान' जाय आसलो.

– दोनयी काणियांनी मधलो काळ ना, पयल्या काणियेंत बंगलो सोडतच रसत्यार कसो तो पिसो जाता म्हळ्ळें ना. तशेंच दूसऱ्या काणियेंत निनाच्या मोर्नां आनी तीस वर्साच्या आवदेचें चित्रण ना.

– दोनयी काणियांची संपणी अनाहुताची, पयल्या काणियेंत मोतीक पिशें लाग्ता देकून ताका पेटेधर्तेले मुन्सिपालिटिचेर धर्न व्हर्तात आनी दुस्रे काणियेंत कथानायक अपल्या नेणतुल्या भयणीक तळ्यांत लोटून घाल्ता.

**एक कोप हुनोनी कोफी** (एडवीन जे. एफ.) आनी **खांदी खुरीस** (वल्ली वग्ग)

– दोनयी काणियेंनी सांकेतीक रूपकां आसात; पयले काणियेंत कुकिंग रेंज तिका खांदी खुरीस तर दुस्रे काणियेंत खांदी खुरीसच रूपक.

– दोनयी काणियानी प्रमूक पात्राचीं फकत सूत्रदारां, जशें पयले काणियेंत ती आनी दुस्रे काणियेंत टिचेर.

– काणियेचो प्रमूक पात्र बायलांचो पूण काणियेंचें नांव पयल्या काणियेचें 'एक कोप हुनोनी कोफी' आनी दूसऱ्याचें नांव 'खांदी खुरीस'

– दोनयी काणियेंत सामान्य विपरयास म्हळ्यार पयल्या काणियेंत आधुनीक जिविताक होंद्वोन घेवंक पेचाडची ती अनी दूसऱ्या काणियेंत कसलोच गुन्यांव करिनास्ताना सयत धार्मीक शिक्षा तिचेर लाभुंक चल्ची फितूरी.

– दोन संसारांचो फरक उघडची काणी, पयल्यांत ग्रामीण मनोगत शेरीकरणाच्या जिविताशैलेक तर दूसऱ्या काणियेंत धार्मीक नियाळ समाजीक चिंत्पावेवेसतेक तशेंच शोशणाक उगडापें कर्ता.

**निमाणो शरो**:

मोटव्या काणियांचेर म्हजें अध्ययन कर्तास्ताना म्हज्या चिंत्पाक पाटिंबो दिल्ल्या दोगयी मानाय काणियेगारांक हांव धिन्वासतां. ही एक सुर्वात मात्र. पूण कोंकणी काणियेशेतांत जायतो वावर (लिपियंतर, भाशांतर, विश्लॅषण, कथापाठ आनी हेर रितिचो) अजून जावंक आसा. २००४–५ इस्वेंत कुवेयटांत हेच्च इराद्यान आमचो वावर सुरू कर्ताना 'कथापाठ' म्हळ्ळीं कांय ५० मयन्याळीं कामासाळां आसा केल्लीं. मुंबयांत सयत पाटल्या दोन वर्सांनी दोन असलिंच कथापाठ कामासाळां मांडून हाडल्यांत. साहितीक सुध्रापाक, प्रगतिशील साहिताच्या रचनेच्या दिशेन हो वावर भोव महत्वाचो म्हळ्ळी म्हजी पात्येणी अनी भर्वसो.

*** ००० ***

# वेबिनार 5



**प्रो|राजश्री सैल, गोंय**

फा|आग्नेल कोलेज पिलार हांगासर प्राध्यापक जावन वावर कर्ता. कोंकणी साहित्य रचन, संसोद हिचे प्रमूक हव्यास.

# दामोदर मावजो आनी मीना काकोडकार हांच्या कथेंचेर अभ्यास

कोंकणी कथेत खऱ्या अर्थान फुलार आयलो गोंय स्वातंतऱ्या उपरांत. ७०-८० च्या काळांत नवे तंत्र विशय आनी आशय हाची आधुनीक हाताळणी कर्पी लेखक जल्माक आयलें ,जाणी गद्द साहित्याक एक प्रतिश्ठा सन्मान मेळोवन दिली.

ह्याच काळांतले दोन म्हत्वाचे कथाकार म्हळ्यार भो.दामोदर मावजो आनी भो.मीना काकोडकार दोनय बरोवपी समकालीन एकच समाज वेवस्थेत वाडिल्लें. स्वातंतऱ्या उपरांतची बदलपी समाज वेवस्था. सांसकृतीक आनी राजकीय बदल ह्या वेळावेल्या कथाकारानी आपल्या कथेतल्यान मांडपाचो यत्न केला. कथेचे शिल्प दर एका काळ खंडात बदलता कथेतले विशय आनी परिस्थिती हांतूतय बदल घडून येता. तशेच

मीना काकोडकर आनी दामोदर मावजो हांच्या कथेत शैली ,तंत्र ,आशय ,विशय हाच्या नद्रेतल्यान नद्रेत भर सार्के बदल दिसतात. कोंकणी कथा पयलेच फावट मेकळ्या नद्रेन स्वास घेवंक लागली हे जाणवता.

दामोदर मावजो आनी मीना काकोडकर हे दोनय लेखक समकालीन जरी आसलें तरी तांची प्रकृती भिन्न.

मीना काकोडकराच्या कथेत गांव येता, बेश्टो येना गांवचो सैम, लोक वेद विवीध स्वभावाची मनशां तांचे नेणारपण, सादेपणा येता .तिज्यो कथा वाचप म्हळ्यार एका पयस पयसुल्या सांडत चलिल्ल्या रानां वनानी भरिल्ल्या गांवांनी निखटया पायांनी भोंवप. खूबच संवेदनशील कथात्म अशी तिची शैली भोवतणच्या वाठाराचेर मनीस जनावराचेर तांच्या कळवळे वळवळ्याचेर तिची बारीक नदर आसता.

दोंगर चवल्ला हो एगसट १९७९ वर्सा प्रकाशीत जाल्लो कथा संग्रह .ह्या संग्रहांतल्यान तिणें वाचपाच्यो अपेक्षा खूबच वाडयल्ल्यो ताच्या ह्या संग्रहांतल्यो दोंगर चवल्ला, सुकण्या पिला रे ह्यो खूबच बरयो कथा गांवा भितर सम्रसून गेल्लो सैम्मय जाल्लो बदल्या काळात ल्हव ल्हव शारीकरणाकडेन ओडूक लागिल्लो आनी ह्या सिमेरेशेर उबो आशिल्लो कोंकणी समाज तिज्या कथेत येता. तिजी कथा वाचप्याच्या मनातली संवेदनशीलता जागयता. एक करूण रस तिज्या कथेच्या निमणे मेरेन झिर्पत रावता.

दोंगर चवल्ला ही कथा जरी वयलेवयर काकी आनी भानूदास हांची कथा आसली तरी ती सैम ,घर, दार गांव, गांवपण, देव, देवस्पण, सादी निरागस पवित्र जीण सोडून कामधंद्याखातीर शारात वचपी कोंकणी मनशाची जीण आसा. त्या कथेच्या रचनेचो काळ पळयल्यार ह्या काळान आपली मुळा तोडून सोडून फाफडून शाराकडेन धांवपाची सगल्याक ताक्तीक लागिल्ली दिसता कितेय आसू पूण ह्या कथेत जे गांवाचे

चित्रण येता ते एक गोंयच्या गांवाचे ईडीozeटी चित्र .ह्या कथेंतली काव्यात्म वर्णना ही ह्या कथेचो जमेची बाजू.

ह्या कथेंतल्या उत्रां उत्रांत एक निवळ निरागसपण आसा, सैमाकडेन घट्ट बांदिल्ल्यो अश्यो लोक मान्यतायो आसात.

काके फुलाच्यो पाकळ्यो मेज चार

पांच पांकळ्यांचे फूल मेळटा तो भाग्यवंत खंय

वयल्या वाड्या वेल्या पेद्रूक एक फावट पांच पांकळ्या फूल मेळ्ळे मगे काके आनी रोकडोच ताज्या पायन तेका नेवो बुश्कोट शिवलो.

ह्या कथेतल्याच आशय विश्याचो विसतार लेखिकेन स्वताच परत एका वेगळ्याच तरेन सपन फुला ह्या कथासंग्रहात देवतंवशी ह्या कथेत केल्लो दिसता. दोंगर चंवल्ला ह्या कथासंग्रहातलो भानूदास देवतंवशी कथेतले देव्यानी ह्या दोनय कथेतल्या पात्रांत खूबच साम्य आसा. खरे म्हळ्यार दोंगर चवल्ला ही कथा खऱ्या अर्थान देवतंवशी ह्या कथेत पूर्ण रूप घेता ,आनी गांव, गांवचे सैम सिधद सोबीतपण सोडून पयस पयस परंपरा वचपी त्या काळांतल्या लोकाले खरे दूख मांडता.ह्या कथेत गांव सोडून शारात वचपी लोकाल्या मोहभंगाची व्यथा आसा.

मीना काकोडकराकडेन मनशाल्या स्वभाव प्रकृतीचे एक कोलाज मांडपाची वेगळी कळाशी आसा. स्वभावातली मनशातली बारीक बारीक imठीeडिजीeछीणioटी ती सोदता. बारीक शुल्लक कशे दिस्पी विशय आनी मनश्या तिज्या कथेत पावतकच कलात्मक रूप आनी आकार घेतात. ह्या नद्रेंतल्यान भिकू पस्रकाराली डायरी (सपन फूलां) सोर्त (दोंगर चवला) ह्यो कथा महत्वाच्यो.

मीनाबायच्या कथेत जनावरां येतात प्रथम पुरुशी निवेदनातल्यान ती आपलें दूख, भूक, त्रास वित्राग मांडटात खूबश्या वेळार मनीस जेन्ना एकटो जाता तेन्ना ताका हीच जनावरा आदार दितात

ताच्या जिवनातल्यो बारिकसाणो कथेतल्यान मांडपाक लेखिका बरीच यस्स्वी जाल्या.

भो.दामोदर मावजो हो कोंकणीतलो जेश्ठ लेखक कोंकणी साहित्याक पुराय भार्तभर मानस्मान मेळोवन दिवपाचें व्हड कार्य ताणी केला .

जाग्रणां हो तांचो १९७५ सुमाराक आयिल्लो कथाझेलो भाशेचे जिवंतपण आनी सोपेपण ह्यो ह्या कथाझेल्याच्यो जमेच्यो बाजू

जाग्रणातली कथा मन म्हजे पिशे हे कथेतली असतुरी नवीच गर्भार जाता आनी तिका जायत्या संसकारातल्यान वच्चे पडटा, गिराण आनी पुनव कितल्योशोच खबरो आनी आख्यायिका गर्भा वांगडा एक भिरांत तिच्या मनात रिग्ता. वाकडे तिकडे राकेस तोंडाचे भुर्गे जल्माक येता म्हूण तिचो हो घुस्मट भुर्गो पोटातल्यान भायर येसर तसोच आसता, पूण शेवट मात खोश्येचो जाता तिका गोरेपिट्ट चली जाता. एक संवेदनशील असतुरेची ही गर्भकाणी.

कोंयसावाली गोर्वा हातुंतले कोयसांव अस्सल भार्तीय संसकृतीचे प्रतीक म्हण आमच्यामुखार उबे रावता गरिबी आसा, सम्स्या आसा, ती ताका झुडटना संघर्श

कर्तना एक घटमूट असतुरी म्हण उबी रावता तिका मनशाविशीं संवसाराविशीं उपाट मोग आसा. तिच्या गोर्वाचेरय मोग आसा तांच्या टाटातुटीत ती तळमळटा .कृशी संसकृतीत बायल आनी दादलो दोगय समान भागीदारी आसतात, शेताच्या कामात वा घर्च्या कामात ह्या कथेत अशे एक कोंयसाव उबें जाला असो एक ताचो संवसार परिसर उबो जाला तो खरे म्हळ्यार हिनदूचो आनी क्रिसतांवाचोय. दामोदर मावज्याली कळाशी फिशालकाय अशी की ताणे ती संसकृती भोव बरी बारिकसाणेन समजून घेतल्या आनी प्रभावीपणान आपल्या साहित्यातल्यान मांडल्या. अडचणे वेळार संसकसटा वेळार विकूक फेसताक व्हेल्ली गोर्वां खपनासतना परत येतात तेन्ना संवेदनशील मनाची कोयसांव गोर्वाक कित्याक गाळ्यो घाल्ता, मारता हो एक वैश्वीक प्रस्न हांगा उबो जाता. तो प्रस्न उबो करून बरोवपी कथा सोंपयता जाप वाचकाकच दिवची पडटा. भूक गरिबी हाजेमुखार मोग श्रधदा सगळे फुकट कांय किते भूक आनी नैतिकता हांचे दंवद खूब खूब पुर्विल्ले कोंयसावाले एक खूब बरे व्यक्तिचित्रय लेखकान उबें केला संवसारातल्या सगळ्या गरीब दुरबळ बायल मनशेचे ती प्रतीक जाता.

ह्या कथाझेल्यातली बोमाडे ही सादी सरळ सोपी अशी कथा .मिनीन आनी बायल बेला हांची ही काणी कायतानाचे काजाराचो देखाव ह्या कथेत आसा पाश्चात्य संसकृती डान्स ड्रिंक्स सगळे कथेत येता. मिनीन चल्यावांगडा नाचता पूण जेन्ना ताची बायल ड्रिंक्स घेवन हेर दादल्यावांगडा नाचता, तेन्ना ते तिचे हांसप किटकिटप ताच्यान पळोव नज जाता आनी तो बायलेक घेवन भायर सरता ताच्या रागाचो बोमाडो फुलिल्लो आसता, पूण घरा येत्कच ताची बायलच तो चल्यावांगडा हांसतालो नाचतालो म्हण ताका तापयता आनी काणी सोंप्ता ड्रिंक्स, पाश्चात्य नाच हाचे भितर रंगिल्लो हो समाज आपले नीज भार्तीयत्व घेवन नैतीकतेक कसो पाळो दितात हेच घड्ये लेखक सागूंक सोदता आसूये.

तो हांव न्हय ही ह्या क्रिसतांव समाजाच्या दूखऱ्या हळव्या अश्या कोनशाक हापूडपी अशी कथा. नैतीकता आनी अनैतीकता हाचे मेज्माप कांयकडेन कोसळून पडटात कोण खरो कोण फट किते बरें कितें वायट हाचे मेज्माप करूक येना, अशे कांय ज्वलंत प्रस्नाचे धग्धगते इंगळे घेवन हो समाज जगता. तो हांव न्हय अशे तरेची कथा एका दोतोराच्या क्लिनीकांत ती येता आपोवणे दिवपी अशे तिचे हांशे, उपरांत ती दादल्यवांगडा दिसता तेच आपोवणे हांशे उपरांत दोतोराक कळटा ती ताच्या इश्टाची इनासाची बायल लुसी. इनास तार्वार आसता मायेसत हळवो इनास. ती हेरांकडेन संबद दवरता गुर्वार जाता इनास येवन दोन म्हयने जाल्ले आसतात ती चार म्हयन्याची गुर्वार आसता आनी दोतोराकडेन मागणे करता दोन म्हयन्याची म्हण बरोवन दिवचे एका चक्रात दोतोर सांपडटा तरी आपूण तिच्या मोह जाळ्यात फसलो ना हाचे पर्मसूख तर आसाच म्हण कथेचे नांव तो हांव न्हय.

पूण एक प्रस्न ह्या कथेन उबो केला तो म्हळ्यार वर्सान वर्स आपल्या बायलांक घराकडेन दवरून तार्वार वचपी दादलें आनी उपरांत तिच्या नैतीकतेक बोट दाखोवपी समाज हाचे मदलो लेखक फकत प्रस्न निर्माण करता लुसी जरी अशे

वागले तरी कथा वाचतकच मात तुमकां लुसीचो तिच्या अनैतीक वर्तनाचो रागय येना, राग येता जायत तर तिच्या काकूळट कर्पी अश्या परिस्थितीचो.

बायलाल्या इच्छेकडेन समाज आडनदर करता सगल्यो इच्छा फकत दादल्याकच आसतात अशे मानून चल्ता आपले बायलेन कितें कर्चे कशे रावचे हे दादलेच तर थारायतात.

जिवनाचे वासतवरूप दाखोवपी तांच्यो कांय मनोविशलेशणात्मक अश्यो अभ्यासपूर्ण कथा आसात हातूत नवी केसातले कुतल हे पात्र नर्स पिराय हुपून घर्च्या वैयक्तीक कार्णाक लागून लग्न जावंक नाशिल्ले पूण तिज्या कुडी सुखाच्यो जिचिटिणचिछिथी लेखक भोव फिशालकायेन पूण संयमी रितीन मांडटा एक बायल जरी आसली तरी तिजो मनीस ह्या नात्यातल्यान लेखक विचार करता चडशे साहित्याक दादल्याल्या sexuचीट जिचिटिणचिटिछिथी विशी लेखक बरयतात पूण खूब boटजटथी आनी अधिकारीक रितीन लेखक हो विशय हाताळटा.

पूण तरीय सामाजीक निती नेमाची संसकाराची समाजमनाची फासकी पुरायेन मोडप लेखकाक जम्ना, ताका लागून डो क्रूज म्हण कुंतल पेरैराक वेंग मारता आनी ताका घुंवळ येता ही घुंवळ ह्या कथेत खूब म्हत्वाची थारता जंय लेखक ही कथा सोपयता आनी नकळटना वाचकाची समाज सांसकृतीक मुल्याची बैठक अखंड दवरता. तिका हात लायना ना म्हण वेर वचूक दिना.

कथेत बारीकसाणेन पळयल्यार तिजो बापूय नेर्वाचो पेशंट आसता म्हणटकच तिजीय मेनटल स्टेट घड्ये थोडीशी थतर वितर आसूं येता अशे कांय oठीeटी sठिचिछीes वाचकाखातीर चिंत्पाखातीर दवरता आनी आपली बाजू घट करता. आनी कुंतलाल्या वागपा संब्दान वाचप्याच्या मनात एक सहानुभुती निर्माण कर्पाक लेखक येस्स्वी थारता.

सुमार कथेत मात ओनीचे  वेगळेच चित्र दिसता ओनीचो संबद रवीवांगडा आंकवारपणा आसता. उपरांत ओनीचे काजार जात्कच दोगाय पयसावतात पूण दुबय पावतकच ओनी परत मेळटकच ताज्यो भावना चाळवतात ताजे दादलेपणाची ओळोक करून दिवपी ताका आत्मविस्वासाचे ,साम्र्थाचे बळगे दिवपी ओनी परत मेळचे अशे ताका दिसता मनाची घाल्मेल जाता पूण रवीलो सूमार चूक्ता. बायल ही सासकृतीक नैतीक मुल्यां शाबूत दवरपाचे काम करता मागीर ती केथलीक बायल वा हिंदू ती भार्तीय बायलेचे प्रतिनिधित्व खर प्रमाण करता हे लेखक प्रभावीपणान मांडटा

केथलीक बायल जरी आसली तरी ती भार्तीय सांसकृतीची एक अविभाज्य घटक धारक आसता.

आता रड हे कथेतल्यान जाणटे दुयेंत कातारीन सोताच्याच चेड्याच्या कांचाक लागून ते मर्णाक तेंकला. कांयच ना उलोवपी मोन्यानच सोंस्पी ते पात्र काळजाक घावे घाल्ता. त्या पात्राचो एकोडो विचार करूक जायना. पुराय भार्तीय संसकृती पंपंरितल्यान तांचे प्रतिनिधी म्हणून भायर सरिल्ले दामोदर मावज्याल्या कथेत आनी

कितलिशी पात्रां आसात ती हिंदू आनी किरिसतांव दोनय आदिबंध घेवन मुखार उबी रावतात. गोंयचो किरिसतांव समाज तांका बरो कळ्ळा.

गांथन ह्या कथा झेल्यात  गोंय, गोंयकारपण खूब प्रभावी रितीन आयला.

तू वचू नाका हातूतले मेरी हे पात्र खूब मन्स्वी संवेदनशील ,मोग काळजात घेवन रावपी ताची मांय्य मोगाळ हाताची मोगाळ काळजाची म्हणच कथेतलो मोगी तांच्या यादी उगडासात घुस्पल्लो आसा .गोंयचे सुटके झुजात पडिल्ल्यान तो कुडीन पयस आसता पूण ते धूव आनी आव्यचो उगडास काळजात धरून आसा पूण ह्यो आव्य आनी धूव साहित्यात एक चमत्कार घडोवन हाडटात आनी बरोवपी आमच्या हातात एक बरी कथा दिता.

मर्णा उपरांत भूत खेताच्या रुपांत मनशाले असतित्व आसा कांय किते ह्या प्रस्नाक अर्थ ना पूण मोगाचे चिर्तंन स्वरूप मर्णा उपरांतय ऊरता जांव्ये म्हण ह्या कथेच्या नायकाची वाट पळयत राविल्ले मेरी एका गूढ अवतिकायेन भेट्टा. तेन्ना मर्णाचे खरे खोटेपण विर्गळून वता आनी काळजाक धपको दिवपी कथा उबी जाता. हो एका अर्थान मोगाचो अविश्कार मोग संवसारातली अशी एक गजाल ताका लौकीक बंधना नासतात. जल्म मर्णाची काळाची शीम ते हुपून वचूक तांक्ता भुताच्या स्वरुपान तरी मेरी आनी मेरीली मांय वाचकाक सासणाची यादीत उर्तली ही ह्या कथेची मजेची बाजू.

तेरेजालो घोव ही कथा तेरेजालो घोव पिट्राली ,कांय तेरेजाली म्हाका तर ती तेरेजाली दिसली. पिटर खरे तर व्याक्तिमत्व नाशिल्लोच मनीस अबरगत म्हणटा तसो, अशी व्याक्तिमत्वा उबी करुकय नवनिर्मितीची कळाशी जाय हातूत दुबावना पूण खऱ्या अर्थान ही कथा तेरझाची ताका एक आगळेच moजeडिटी अशें सोबीत व्यक्तिमत्व आसा. वावर कर्ची तळमळ आसा पिट्राविशी मोगय आसा पूण ते असहाय्य आसा सगलेवटेन मोगात फटवला लग्नात फटवला तरी पीटर आनी तागेल्या मांय सयत संवसार उबो उर्चो म्हण धडपडटा काल्च्या आयच्या आनी मुखावेल्या फुडाराच्या घराभायर वचूक वावर कर्पी असतुरेचे ते एक प्रतिनिधी. धावपळ आसा, काम आसा वांगडा लोकाकडल्यान वाकडी उत्रांय आसात. हे सगले बरोवप्यान कलात्मकतेन उबे केला. पीटर तेरेजाचेर थापटा मारता तो ताचो पुर्शार्थ न्हय ते ताच्या मनाचे कुडिचे दुबळेपण तो आळशी  कुरूप  कसो दादलो बरोवप्यान बेसबरो पुराय तांकीसयत उबो केला. काम करून धावपळ करून घर्च्याक पोस्पी तेरेज घोवालो मार खात्कीच कितें कर्तले हाची उमळशीक वाचप्याक लाग्ता हांगा नवी कथा सुरू जावं येता खरे तर असतूरेच्या कर्म भोगची ही काणी तेरेजाच्या रुपान खर्पणान उबी जाल्या मोगाच्या प्रियकराच्या रुपान असो एकाद्रो दळदिरो मेळटा आनी पुराय आयुश्याचीच वाट लाग्ता एका अर्थान तर्ण्या पिळगेक ती एक शिटकावणी.

तांची खिळी ही कथा वयले वयर पळोवंक गेल्यार एका व्यक्तिगत भिरांतेचे प्रतीक जरी दिसली पूण ह्या कथेक एक वैश्वीक मोल आसा घर दार सोडून परंतंरा वचपी कितल्याश्याच संवंसारातल्या दादल्याचे ही कथा प्रतीक जाता.

वयर अभ्यास केल्लें दोनय लेखक मुळात कथाकार ,कथेतल्यानच ताणी सुर्वात केली दोगानीय कांय भरीव अशें योगदान कादंबरी ह्या प्रकाराक दिले तरी कथानिर्मितीचो ध्यास सोडलो ना.कथाकार म्हण दोनय लेखक परिपूर्ण आसात.कथा पुर्सकारान वयले दोनय लेखक पुर्सकृत आसात.तांच्या कथेची शैली ,धाटणी .तंत्र .कथाचो वाठार लोक समूह आनी कथाबिजां वेगळ्या प्रकृतीची तांची साहित्यीक व्यक्तिमत्वांय वेगळी.

मीना काकोडकाराली भाशाशैली हाका प्रादेशीक बंदंन ना.काणकोण पाळोळे वाठारात तांच्यो कांय कथा घडटात तरी त्या कथानी काणकोणच्या स्थळाकाळाची भास केळयला अशे दीस्ना.दामोदर मावज्याची कथाबीजां चडशी साश्टी वाठारातली त्या प्रमाणे ताणी भाशा, शैली,संवाद थळावेच घेतल्यात.चडशे संवाद साश्टी कोंकणीतच आसात.चडकडेन निवेदन प्रामाणीक कोंकणीत आनी संवाद साश्टी बोलीत आसात.ही भास बरीच अवघड तरी सोबीत प्रवाही जाल्या.

जेन्ना कोंकणीत बरयो कथा नात, बरें साहित्य ना म्हण हिणसायताले तेन्ना ह्या दोनय कथाकारानी खूब दमान कथा बरयल्यो .कथेक राषट्रीय पांवड्यार व्हेलें.

*** ooo ***

# वेबिनार 6



## प्रो|योगिता वेर्णेकर, गोंय

कार्मेल कोलेजिंत प्राद्यापक जावन वावर करून आसा. कोंकणी संघटन, कोंकणी साहितीक अभ्यास आनी संसोद हिचे प्रमूक हव्यास.

# वल्ली क्वाड्रूस आनी एच.एम.पेर्नाल हांच्या कथासाहित्याचेर तुलनात्मक अभ्यास

कोंकणी साहित्याचें निर्मणेंत मंगळुरी मात्येन व्हड योगदान दिलां...स्थलांतरीत जावन मंगळुरी लोकवेदांत भर्सून गेल्ल्या मूळ कोंकणी लोकांनी आपली मूळ परंपरा आनी भास तिगोवन दवरली हाचे पुरावे आमकां साहित्यांतल्यान मेळटात.

मंगळुरी लोकवेदांत दिस्पी आल्लयो, हांव्यो, लग्नगितां, नाच, काव्यां, नाट्यां,लोक्काणयो आनी विसाव्या षेंकडयांत नव्या वा आधुनीक रूपान विक्सीत जाल्ल्यो कथा हें मंगळुरी साहित्याचें वैशिषटय.

मंगळुरी कथा साहित्याच्या मळाचेर नाम्नेचे साहित्यीक एडवीन जे.एफ.डिसौजा हांचें कथासाहित्यांतलें योगदान सुमाराभायर. सुमार ३० पुसतकां प्रकाषीत कर्पी तांच्या साहित्याच्या आंवाठाचें मुल्यमापन कर्चें जाल्यार तितलेंच तांकिच्या अभ्यासकाक आपलें कसब लेखणिच्या साणीर झरोवन काडचें पडटलें.

अर्विंद अडिगा, बी.वी.बाळिगा,चिदानंद सर्स्वती, शशिकला गूर्पूर,मायकल लोबो, नरेनद्र नायक, वी.जे.पी. सालढाणा,अंथनी डिसौजा बार्कूर उपरांत मंगळुरी कथा साहित्यांत आपलो जम बसोवन विराजमान जावपी आतांचे साहित्यीक बाब वल्ली क्वाड्रूस आनी बाब हेनरी मेनडोसा.

पारंपारीक थळाव्या, ग्रामीण,प्रादेषीक वासतवाचें विषव आपल्या कथांतल्यान साकारतनाच ह्या कथाकारांनी आपल्या आधुनीक आनी नव्विचारांकूय तितलेंच प्राधान्य दिलां.एकापरस एक म्हणटात तषें सुरस आनी सुरबूस कथा वाचिल्ल्याचो अणभव तांच्यो कथा वाचतना अणभवाक येता.पोर्णें,सामाजीक विशय धरून प्रेम,वासतव, राजकीय विशय आनी नव्विचारणिचे विशय तांच्या कथांनी आयल्यात.तषेंच आपल्या कथाझेल्यांतल्या कथांनी कथानकाच्या विषयापरमाण हुबेहूब जिवनचित्रण,पात्रांची निर्मिती,वातावरणाची रचणूक, कथेचो काळ, सर्भोंवतण, ग्रामीण वा शारी वाठार ,मुखेल पात्रां आनी गौण पात्रां हांचें वर्णन यथार्थपणान केलां.

अशा ह्या दोनूय कथाकारांच्या कथा विषवाचें दरषन घेत्ना,आंवाठाचे नद्रेन पळोवचेपरस तांचो साहित्यीक पावंडो पळयल्यार मंगळुरी कोंकणी कथा साहित्यांतली सुंदर वज्रां कषीं दोगांयच्यो कथा पर्जळटना दिसतात.

बाब वल्ली क्वाड्रूस आपल्या खाशेल्या ढंगान, सुबक शैलीन सुंदर कथा रचना कर्पी कथाकार.तांणी सुमाराभायर कथा बरयल्यात. 'आशावादी (२००२)','खिळो (२००३)','कंगाल आनी ताची कुक्केहळ्ळी (२००५)', 'सतां आनी खतां (नैतीक काण्यो २००५)','बंद (२०१७)','सांकव (२०२०)'ह्या कथाझेल्यांनी त्यो कथा उज्वाडाक आयल्यात.हाचेभायर कन्नड,इंगलीष,तुळू ह्या भासांतल्यानूय तांणी १९८४ सावन मोटव्यो कथा बरयल्यात.गोंय,मुंबय,मंगळूर,बेळगांव शारांतल्यान उज्वाडा येवपी नेमाळयांनीय तांच्यो कथा उज्वाडाक आयल्यात.तांच्या कथासाहित्याचो आंवाठ खूबच व्हड.

मंगळुरी मात्येंतलो असोच एक स्वतंत्र व्यक्तिमत्वाचो,आगळया-वेगळया धाटणिचो कवी,कथाकार बाब हेनरी मेंडोन्सा. एच.एम.पेर्नाल ह्या नांवानच साहित्यमळाचेर ते चड परिचीत. जबरदसत तांकिचो कवी म्हूण साहित्यमळाचेर आपली ओळोक घडयतनाच तांणी जबरदसत कथाबीज आशिल्ल्यो कथा बरोवन झेल्यारूपान त्यो उज्वाडाक हाडल्यात.

अशा ह्या कथाकारांच्या कथांचो आस्वाद घेतासतना वाचपी आपूण स्वता खुद्द मंगळुरी वा मुंबयची जीण अणभविल्ल्याची अनुभूती घेता.

तुलनात्मक अभ्यासाचे नद्रेन पळयतना दोगूय कथाकारांच्या कथाविशयांचें साम्य अशातरेचें आसा:

१.प्रादेशिकता: बाब वल्ली क्वाड्रूस हाणी आपल्या चडषा कथांनी मुंबय शार चित्रायलां.देखून मुंबय शाराक संबंदीत कथानक आसत तर मुंबय शाराची लेखकान घड्ये स्वता अणभविल्ली प्रादेशिकता, सत्य परिस्थिती, भडकपणान यथार्थतायेन रंगोवपांत कथाकार उजू थारल्यात.तर मंगळुरी वाठाराचेर आदारीत कथांनी मंगळुरची प्रादेशिकता दाखोवपांत योग्य न्याय दिला.

२.घर्गुती जीवन: लोकजिणयेचो भाग आशिल्लें जीवन आनी ते जीवन जगपाची पद्दत दोगूय कथाकारांनी तंतोतंत उत्रायिल्ली दिषटी पडटा.देखीक-संवसारी पात्राची कथा साकारताना वा एक्मुळें जीवन जगपी पात्र रंगयतना निवेदन शैलींतल्यान घर्गुती जिविताचें  वर्णन उत्तमरित्या जालां.

३.मंगळुरी मोडी: कन्नड,तुळू भासांच्या प्रभावांतली रसाळ पणसाच्या घ्णयासारकी म्होंवेपणान भरिल्ली कोंकणी भाशेची मंगळुरी मोडी ही ह्या कथाकारांची जमेची बाजू.निवेदनांतल्यान ही मोडी फुल्ता, फळटा.

४.तडजोड: मनापरमाण इच्छीत गजाली साध्य जावंक नाशिल्ल्यान वासतव जिण्येकडेन तडजोड करून रावपी पात्रां आनी समाज ठळकपणान उठून दिसता.

५.निराशा आनी असहाय्यपण: तडजोडींत जिवीत सार्तना पात्रांक आयिल्लें नैराषय आनी असहाय्यपण प्रखरपणान कथांतल्यान जाणवता.

६.संघर्श: जिविताकडेन केल्ली तडजोड नकळत पात्रांक संघर्श कर्पाक लायतात.साहजिकच कथेंतलो संघर्श कथानकाच्या निमाणेमेरेन साथ करता.

७.स्वच्छंदिपणाचें दरषन: कांय कथांच्या काळानुरूप तेवेळावयली माध्यमांविरयत जगपी लोकजिणयेंतलें स्वच्छंदीपण चित्रीत जालां.वेशा वेवसायांत घुस्पल्ल्यो असत्तुयो नकळतपणान पूण कथेक अनुरूप अषें पात्रांचें जगणें स्वच्छंदिपणाचें चित्र उबें करता.

८.संवसारी जिण्येची मनोवस्था: संवसारी कथानकाची कथा केळयतना मुखेल पात्र पुरूष वा बायल आसूं ...तांची संवसारी जिण्येंतली तडजोड,संघर्श कर्तना जावपी दारूण, करूण, त्रासीक मनोवस्थेचें निवेदनपर चित्रण एका कुशळ चित्रकारावरी सुक्ष्म नद्रेन केल्लें नद्रेक येता.अशा कथांचें वाचन कर्तना वाचपी भावूक जाता... पात्रांविषीं सहवेदना ताच्या सुप्तमनांत जागृत जातात आनी ती कथा ताका नवअणभवाची प्रचिती दिता.

९.राजकीय प्रतिबिंबांचेरूय बडी: सामाजीक जिण्येचेर पडपी राजकीय प्रभाव, राजकीय फुडारयांची निती, विंचवाची वृत्ती हांचेरूय कथाकारांची आडनदर जाल्ली ना.राजकीय विषयाच्यो कथा म्हणुया वा राजकी फुडणायाचें पात्र दाखयतना समाजाचेर तांचो आशिल्लो वचक कथाकारांनी चित्रायला. अनपेक्षितपणान राजकीय स्थितिंचेर आनी राजकीय प्रतिबिंबांचेर बडी मारल्या.

१०.अनपेक्षीत शेवट: कथेचे तंत्रापरमाण कथेचो शेवट असो जावंक जाय ,वाचप्याक तो शेवट असो दिस्नासतना ताच्या मनांत कथा फुडें वचूंक जाय अषें जावप हें कथेचें आनी कथाकाराचें जैत आसता. दजप बसपउंग आनी बसपउंग बाजू प्रत्येक कथेंत कथाकारांनी सक्षमपणान सांबाळ्ळयात.देखूनच अनपेक्षीत शेवट जावपी कथा उजू थारल्यात.

एकूण दोगूय कथाकारांच्या कथांचो संवसार तांचे भोवतणचोच.अषें म्हणटात कथाकार आपल्या कथेची बिजां ताच्या सर्भोंवतणी घडपी घडणुकांतल्यान,संबंदांतल्यान, संपर्कांत येवपी मनषांनी सांगिल्ल्या तांच्या वा हेरांच्या जिवनकथेंतल्यान सोदून काडटा..आपल्या प्रतिभेचे तांकीन कल्पनाषक्तिचे

बळग्याचेर एक नवी कथा जल्माक हाडटा.अषेंच आमकां ह्या दोगूय कथाकारांच्या साहित्याचो अभ्यासू दिषटीकोन दवरून अभ्यासल्यार समजून येता.

वल्लीबाबाच्या पुराय कथांचें प्रतिनिधित्व कर्पी असो तांचो २०२० वर्सा उज्वाडाक आयिल्ल्या 'सांकव' कथाझेल्यांतल्यो कथा आनी हल्लींच बचिल्ल्यो कांय कथा हांव हांगां घेतां.

वल्लीबाबाच्या लिखाणांत 'सर्वधरमसमभाव'ही उच्च विचारसरणी आसा. एक्ता,समभाव,मनीसपण हांचो सारासारी विचार तांच्या खुबषा कथांनी केल्लो दिसता. बंद', 'उत्रोण', 'अज्जीकुंज', 'एक बुलडोजर बांय आनी नागू' ह्यो कथा हाची देख दितात. वल्लीबाबांची कथाभासूय खूब षुद्ध आनी सरळ. कथा वाचपाक सुरूवात करता खिणांतच ती आमचे जिण्येचो भाग जाता.बेषटेच साहित्यीक उत्रांचें पाल्हाळपण वा वाचकांक आवडपाक जाय म्हूण षिंगारीक भाशेचो अतिरेक ते करिनात.

देखीक: 'संबंध' आनी 'बांद' कथेंत घोव-बायल संबंदाचेर कथा साकारता..आकार घेता...तरूय तांचेमदल्या संबंदाची भास खूबच सादी आनी सोपी,सरळ.. वाचपी घड्ये अपेक्षीत कर्पी भास ताका मेळना आसली तरी

आसा ते भाशेचो सुवाद नक्कीच घेता हें तांच्या कथाशैलीचें कसब.

बाब एच.एम.पेर्नाल हांच्या कथांचें प्रतिनिधित्व कर्पी आंठ कथांचो आस्पाव हांवें ह्या अभ्यासांत केला. 'बीग आनी बिगात', 'धांवणी', 'एका पेंटेची काणी', 'गल्ली', 'काणी-कारण', 'खत', 'लेक' आनी 'मुंबय खबर'. तांच्यो ह्यो कथा वाचतना कथाकाराची शैली वाचप्याच्या मनाचेर असो जादू करता, अषें दिसता जणू कांय कोणतरी वा कथेंतलें पात्र आमचे सामकार उबें रावन प्रत्यक्षांत आपली कथा सांग्ता असो भास जाता... कथेंतलें कथाविषव उलगडत वता...उपमांचो चडांत चड वापर निवेदनशैलींत वापरिल्ल्यान कथाभास उच्चांक गांठता.

'धांवणी' ही कथा हाची उत्तम देख. चार वांट्यांनी ही कथा आकाराक आनी पुर्णत्वाक येता. ब्सपउंग  आनी दजप.बसपउंग गांठता.गांवांतली पारंपारीक जीवनसरणी हे कथेंतल्यान चित्रायल्या.एका कुशळ चित्रिकान चित्रायिल्ल्या आनी पितारिल्ल्या चित्रावरीं हे कथेंत जीवनरंग भरसल्यात.गरिबांचें षोशण कर्पी भाटकाराची प्रस्थापीत  कल्पना  ही कथा मोडून उडयता.दयावान भाटकाराचें काळीज आनी एका असतुरेचे दीन व्यथेन भरिल्ली ही कथा.कथेचे तंत्रांत तंतोतंत बस्पी एक जबरदसत,उत्कृषट कथा असो हे कथेचो उल्लेख करूं येत.

बाब पेर्नाल हांच्या कथांतल्यानूय 'सर्वधरमसमभाव' विचारांक तांणी पुषठी दिल्ल्याची प्रचिती येता.दोन धर्मांचीं वा दोन जात-समाजाचीं मोगी-मोगिका एकठांय येवन समाजांत क्रांती करून नव्विचारसरणी आपणावन संवसार थाटिल्ल्याचें चित्रण मनीसध्म आनी मुल्यांची शिकवण दिता. 'बीग आनी बिगात' कथा जावं 'खंत' कथा हाची गवाय  दितात.

ह्या कथांनी भार्तीय संसकृतायेंतल्या हिंदू धर्मांतल्या पात्रांचो संवसार दिसता.ह्या कथांतल्यान जाय तषें योग्य पद्दतीन सामाजीक,सांसकृतीक चित्रण जालां.घोव-बायलेचे संवसारी जिण्येचें भाषय पात्रांच्या मन्विचारांतल्यान निवेदनपद्दतीन आयलां. परिस्थितीनुसार बदलपी दादल्यांची मान्सीक अवस्था, ताचो तांच्या घरा-दाराचेर जावपी परिणाम,तेन्ना ताच्या बायलेचीय जावपी कुचंबणां ह्या कथांनी दिसता.

कथाकारान सत्य-विषव हांगां मांडलां.गर्जेखातीर काम कर्पी बायलांचो कामाचे थळाचेर जावपी घुस्मटमारय कांय कथांनी चित्रायला.षिंगारीक भाशेचो अतिरेक कथाकारान केल्लो ना.खूबच मोजक्या, सूचक उत्रांचो वापर खूब कितें सांगून वता.आनी कथा रमणीय जाता.

बाब वल्ली क्वाद्रूस आनी बाब एच.एम.पेर्नाल हांचो कथा सांगपाचे निवेदनात्मक शैलीचो हातखंड आकांताचो म्हणू येता.

वल्लीबाबांची 'मोबेन आणटी आनी देड पायांचें बांक' वा 'वणत' ह्यो कथा ताची उत्कृषट गवाय दितात तर बाब पेर्नाल हांच्यो 'बीग आनी बिगात', 'धांवणी','खत' कथा उत्तम देख दितात.

बाब वल्लींच्या 'संबंध' कथेंतलें ल्हानषीं वाक्यरचना प्रमाणाक दाखयतां .बायलेक सोडचीट दिवपाचें थारायिल्लो कथेंतलो नायक आपली भलायकी बरी नाशिल्ल्यावेळार बायलेन केल्ल्या सेवेचें वर्णन पळ्यात कषें करता..

'हांव आतां खरोच कांप्तालो आनी रात जून जावंक येवंक लाग्ताना म्हाका न्हिदेंत वेंग्ताना सयत म्हाका उडास आसचेपरी म्हजी तकली आपल्या उसक्याचेर घेवन म्हजी बायल म्हजी तकली पोशेताली'अशा गुढार्थान भरिल्ली कथाकाराची उत्रावळ कथेचो उच्चांक गांठता. बाब पेर्नालांच्या 'धांवणी'कथेंतली वाक्यरचना पळ्यात.नवीन लग्न जाल्लो न्हवरो आपल्या नव्ध्रू सांगाता सुखाचे दीस भोग्तनाच,कसलेंच कारण धडनासतना अचकीत तिका सोडून वता हाचें वर्णन कथाकाराच्या शैलींत पळ्यात. 'आंगाक पुसल्ल्या हळदिचो बण्यी,पर्मळपी माज्वोंक नातल्लो.आमासेची काळोकी रात चिरून भितरल्या निदच्या कुडाक तीळल्ल्या झगलण्यांत वेंगेंतलो सुटोन गोड

निर्देंतलो होरेत उटोन गेल्लो.'असो गाभितार्थ आशिल्ली उत्रावळ कथेचो पर्मोच्च कळस गांठता.

आतां कथांच्या मुखेल केनद्रबिंदूचेर नदर मारूया.बाब वल्लींन आपल्या चडषा कथांनी बायलांची मान्सिकता मांडिल्ली आसली तरूय विवीध मनोवस्थांच्या पुरूषपरधान कथांचो उल्लेख कर्चोच जाल्यार, 'बंद'कथेंत मुखेल पात्र साहित्यीक शिक्षक आसा. मनीसध्माचो पुरसकार कर्पी पत्रकार,साहित्यीक 'माप'कथेंत दिसता. मुंबयच्या धकाधुकीच्या जिविताचें सत समजुपी साहित्यीक,पत्रकार 'जिणेचें सूत्र'कथेंत आसा. सरळ स्पषट विचारांचो बंडखोर पत्रकार,साहित्यीक 'मेट्रो बुलेटीन' कथेंत आसा. परिस्थितीकडेन संघर्श कर्पी तर्णाटो 'मोबेन आंणटी आनी देड पायांचें बांक'हे कथेंत आसा. भावनीक मनाचो गरीब भुर्गो 'वाती'कथेंत दिसता. आपल्या संवसाराखातीर विदेषांत घोळपी दादल्याची आपल्या बायलेचे वेगळें रूप पळोवन जाल्ली अस्वस्थता आनी घुस्मट 'लोकडावन' हे कथेंत दिसता.

आयजमेरेन बायल जिण्येचो घुस्मट आनी बायल ही षोशिता म्हणपाचें जें चित्र साहित्यांतल्यान साकार जातालें ताका आडवाद कर्पी देख दिवपी ह्यो उत्कृषट कथा. ह्या आनी हेर पुरूषपरधान नायक आशिल्ल्या कथांनी कथाकारान तरूण मनाच्या दादल्याची मान्सिकता, तांचो घुस्मट,नोक्री-धंद्याच्या मळाचेर वयल्या अधिकणायांकडल्यान तांचेर जावपी अत्याचारान जावपी घुस्मटमार,असहाय्यपण आनी नैराषय,संघर्श आनी तेचपरी बंडखोर वृत्ती वा आक्रमक पवित्रो हाचें समग्र चित्रण केलां.

बाब पेर्नाल हांच्या कथांविषीं सांगचें जाल्यार 'लेक' हे कथेंत बापायचें आपल्या इबाडत वचपी पुताविषीं जावपी चिंतेचें दुख्ख तेचपरी पुताची अस्वस्थताय चित्रायल्या. घोव आनी बायल दोनूय पात्रांक तितलोच न्याय दिवन मुकार सर्पी कथा 'खंत','गल्ली','काणी-कारण', आनी 'धांवणी'. 'धांवणी' कथेंत साकार जाता दयावान भाटकार, घोवाच्या वीन्हान व्याकूळ जावपी बायलेची मनोवस्था, संवसार सोडून आध्यात्मीक जगांत वावुरपी घोव, निमाणेकडेन ह्याच दुयेंत पडिल्ल्या घोवाक ताची ती बायल मनांत कसलीच खंत,राग धरिनासतना सहाय्य करता हें दाखयलां. बायल पात्र तषेंच दादले पात्राक समानतरेन चितारलां..दोगांकूय सार्केच प्राधान्य दिल्लें ह्या कथांनी दिसता.

हाचेभायर सदच्या वेव्हारांत भाषेंत घोळपी म्हणी-ओपारीं, वाकपरचार, उलोवपाचीं कांय खाशेलपणांय कथांक सोबषा जाग्यांचेर कथांनी आसात.सगळया आंगांनी परिपूर्ण आनी परिपकव अश्यो कथा ह्या दोगूय कथाकारांनी साहित्यांत हाडल्यात.

दोगूय कथाकार जिविताचें तत्वगिन्यान, शिकवण, धार्मीक मुल्यां हांचो विचार कर्तना दिसतात. कथेंतलीं पात्रां आपल्या जिण्येचो विचार कर्तना वयर सांगिल्लीं तत्वां आपणायतना दिसतात.एकूण सांगचें जाल्यार दोगूय कथाकार खूबच चलाख बुद्दीचे...तीक्ष्ण नदर आशिल्ले...जिण्येचीं तासां बारीकसाणीन नियाळिल्ले..प्रादेषीक गुणांचो प्रभाव आशिल्ले...विवीध विशय केळोवपाची प्रचंड तांक आशिल्ले कोंकणी साहित्यांतले कथाकार...

कोंकणी सर्स्वतीचे प्रतिभावान पूत... वासतवाची जाण दवरून आपल्या स्वतंत्र प्रतिभेन सारथ्य दवरून साहित्य निर्मणी कर्पी द्दकोंकणी साहित्याक मेळिल्ले पर्जळीत हिरे अषें हांव म्हणीन..

निमाणेकडेन तुलनेविषीं सांगचें जाल्यार तुलना ही दोन थारावीक पावंडयावयल्या मुल्यांची करूं येता.ती तुलना सामाजीक,इतिहासीक,सांसकृतीक, दारषनीक,धार्मीक आनी साहित्यीक पावंडयांची जावं येता.थोड्याच उत्रांनी सांगचें जाल्यार तुलनेंतल्यान केनद्रीत विषयाचो गाभो,ताचो दर्जो,ताचे गूण,दोष हांचेर उज्वाड पडटा.

आतां जर भिन्न-विभिन्न गजालिंची तुलना केली जाल्यार तांची ंपरिमाणां एका वेगळया तरेची जावं येतात. पूण जेन्ना एकाच साच्यांतलीं, एकाच चाकोरेंतल्या पूण विभिन्न साहित्यिकान रचिल्ल्या साहित्याची तुलना कर्ची जाल्यार तांचें श्रेषठत्व पार्खुपाक वच्चेंपरस तांच्या आप-आपल्या वयक्तीक स्वतंत्र रचनाशैलिचो आनी तांचे भितरल्या साम्य गुणांचेर निकष काडप योग्य थार्तलो अषें म्हाका दिसलें आनी हेच नद्रेन बाब वल्ली क्वाड्रूस आनी बाब एच.एम.पेर्नाल ह्या दोन नाम्नेच्या मंगळुरी कथाकारांच्या कांय कथांचेर केल्लो तुलनात्मक अभ्यास हांवें आतां तुमचेमुकार सादर केलो.

बाब वल्ली आनी बाब पेर्नाल तुमचीं साहित्य वज्रां अखंडीतपणान पर्जळून पुराय संवसारांत तुमच्यो साहित्यकृती 'अम्रसाहित्य' रचनेचे पंग्तींत तुमकां स्थान मेळोवन दितली हातूंत इल्लोय दुबाव ना..

तुमचे साहित्यरचनेक लाख लाख सलाम !

म्हाका तुमच्या साहित्याचो आस्वाद घेवन ताचेर म्हजीं मतां मांडपाची संद दिल्लेखातीर 'आशावादी प्रकाशनाच्या' जाळवणदारांचें आनी खासा करून बाब एच.एम.पेर्नाल आनी ह्या कथापाठ संकल्पनेचे मुखेल बाब वल्ली क्वाड्रूस तुमी दिल्ल्या सहकारानच हांव हे संदिचो लाब घेवंक पावलें देखून तुमच्या आजन्म रिणांत आसतलें.

*** ooo ***

# वेबिनार 7



**मा|जेसन पिंटो, मंगळूर**

मंगळूर विध्यापीठांत कोंकणिंत पद्युत्तर शिकचे हे पयणारी साहितीक जर्नलाचे सह-संपादक. साहित्य रचन आनी संसोद हांचे प्रमूक हव्यास.

# बाय जयंती नायक आनी बाब वसंत सावंत हांगेल्या काण्यांचेर अभ्यास

१. LITERARY PROFILE OF BOTH

**ची. आमोणेंची जयंती बाय**

बाय जयंती नायक, आमोणें, केपें गांवची. आमोणें: एक लोक जीण, १९८३ वर्सा उज्वाडाक आयिल्लें तिचें पयलें पुसतक. आपल्या गांवचो तिका खूब अभिमान. तिचो जल्म १९६२ वर्सा आमोणें जाल्लो, गोंय सुटकेच्या दूसऱ्याच वर्सा. तिचो बापूय नामदेव नायक, एक दर्जी आनी एक बरो मराठी नट आनी दिर्गद्र्शक आशिल्लो. पूण साहित्याची ओड तिका आपल्या बापाय थावनूच मेळ्ळी म्हण सांगच्याक कश्ट. तिका प्रेर्णा दिवपी तिची आव्य, मराठींत "आई", श्रीमती राजाई म्हण तिणें आपल्या मुलाखतींनी/ संद्र्शनांनी स्पश्ट सांगलां. कोंकणी साहित्यीक शेतांत नावाडिल्ली जयंती बाय वृत्तीन एक शिक्षिका आनी मागीर एक लोकवेद संशोधक म्हण वावुरता. १९८९ वर्सा तिचो पयलो कथां पुंजो "गर्जन" उज्वाडाक आयिल्लो. आज मेरेन तिणें ३२ परस चड पुसतकां बरयल्यांत. कोंकणी बराबर, मराठी, हिंदी, इंगलीश भासांनी तिचें वाचप बरोवप जाता. कोंकणी लोकवेदांचेर तशेंच सृजनशील साहित्यांत तिचे लेखणींतल्यान कोंकणी संवसाराक जायतें फावो जालां. साहित्याचे वेग्वेगळे प्रकार तिणें हाताळ्ळ्यात. तांतूं मोटव्यो काण्यो, नाटक, कविता, निबंद, अणकार, बाल साहित्य आस्पावता. लोकवेदांचेर आपलो प्रबंध मांडून तिणें गोंय विद्यापिठांतल्यान दोतोरकी सनद जोडल्या. गोंयची पयली असतुरी/ व्यक्ती जिका हें भाग फावो जालां म्हण आमकां अभिमानान म्हणूं येता.

**साहित्यीक अकादमींत तिचो वावर**

जयंती बाय नायक गोवा कोंकणी अकादमीचो एक खडेगांट खांबो. लोकवेदांचेर संशोधन, कोंकणी भाशेच्या कोश्शास्त्र (exicographica) आनी भासाशास्त्रां (linguistic) संबंदीत तिचो वावर भोव मोलादीक. अकादमीच्या पुसतकांचें संपादन संसकाराचें (editing/ proof reading) काम तिणें केलां आनी कोंकणीच्या प्रमाणीकरणाच्या वावरांत आपलें योगदान दिलां. सध्या "अन्न्या" नांवाचें कोंकणी नेमाळें ती चलयता. हांतूं असतूऱ्यां संबंदीत विश्यांचेर ती चड भर दिता.

**पुरसकार आनी मान**

२००२ वर्सा कला अकादमीचो साहित्यीक पुरसकार तिच्या साहित्यीक वावराक. त्याच वर्सा "कोंकणी लोक्काणयो" ह्या पुसतकाक दो. खी.T.M.A. पै प्रतिस्थानाचो "Best Book Award" "अथांग" नांवाच्या तिच्या कथां पुंज्याक २००४ वर्सा साहित्य अकदमीचो पुरसकार लाबलो. २००९ वर्सा गोंयांत यशादामिनी पुरसकार. २०१९ वर्सा

साहित्य अकादमीचो भाशांतर पुरसकार "जिवो रूख" ह्या पुसतकाक फावो जाला. असलेच साहित्यीक पुरसकार तिका आनी फावो जांव म्हण तिका बरें आंवडेतां. जयंती बायचें बरोवप आतां फकत देवनागरींत कोंकणी वाचप्यां मदें उरूंक ना. तिचें साहित्य रोमी लिप्येंत, कन्नड लिप्येंत, तशेंत मराठी, हिंदी, कन्नड आनी हेर भार्तीय भासांनी आमकां वाचूंक मेळटा.

जयंती बायेच्या जिण्येचेर इतलेंच. आतां तिच्या साहित्यीक वावराचेर नदर घाल्तां आनी मागीर एक धांवती नदर तिच्या कथांचेर.

b. **सांवड्डेचे वसंतबाब** (वसंत सावंत)

वसंत भग्वंत सावंत गोंयचे नाम्नेचे कथाकार. तांचो जल्म मार्चाच्या २३वेर, १९६० वर्सा सांवड्डें, गोंया हांगा जालो. उदका संसाधन खात्यांत (Water Resource Department) सर्कारी सेवेंत ते आशिल्ले तरी साहित्यांत आनी तेंय ग्रामीण साहित्यांत तांची खेरीत आवड आसक्ती आमकां दिसता. तांचो कथा पुंजो, "निवळ काण्यो" हाचें एक वर्तें उधारण. कामा थावन निवृत जाल्ले उपरांत तांणी आपली लेखणी थांबयली ना. सद्या ते गोंय कोंकणी अकादमीचे उपाध्यक्ष जावन कोंकणी साहित्याक आपली सेवा दिवन आसात.

## साहित्यीक वावर

तांच्यो कोंकणी काण्यो इंगलेजींत आनी हेर भार्तीय भासांनी जशें हिंदी, मराठी, तेलुगू, मल्याळम, कन्नड, दोंग्री, मैथिली, संथाली, मणिपुरी, कश्मिरी ह्या भासांनी भाशांतरीत जाल्यात. ह्या काण्यांचो आस्पाव गोंय विद्यापिठांत, B.A. आनी M.A. पांवड्यार कोंकणी अभ्यासक्रमांत आस्पावतात. गोंयच्या साबार शाळांनी मोटव्यो काण्यो बरोंवचे विशीं कामासाळांनी एक संपन्नमूळ/ संसाधन व्यक्ती म्हण तांकां सदांच आपोवणें आसता. भाशांतरांत तांगेलें भोव व्हड योगदान आसा. हिंदी आनी मराठीच्या नाम्नेच्या नाटकांचें भाशांतर ताणें "संकल्प" रंगमंचा खातीर कोंकणींत केलां. गोंयच्या कला अकादमीच्या स्पर्ध्यांनी तांच्या भाशांतराक इनामां फावो जाल्यांत. गोंय आनी कर्नाटकांत ताणें एकांकी नाटकां मांडून हाडल्यांत. २०२० वर्सा थावन स्थापिल्ल्या नाटकांच्या भाशांतराचे स्पर्धेंत/ सर्तींत तांकां गेल्ल्या तीन वर्सां थावन दुस्रें इनाम फावो जालां. तशेंच ताच्या एकांकी आनी लांब नाटकांक गोंयांत आनी कर्नाटकांत इनामां फावो जाल्यांत.

## कोंकणी वावर

पंद्राव्या कोंकणी युवा साहित्य संमेलन, गोंय विद्यापिंठांत जाताना वसंतबाब ह्या संमेलनाचे अध्यक्ष आशिल्ले. "निवळ काण्यो" ह्या कथा संग्रहांतली "एकोलो" ही काणी IIT, पवाई, हे शिक्षण संस्थेच्या शिकप्यांनी व्यंगचित्र (animated movie) रुपार हाडल्या. रविंद्र भवन कुडचडेच्या कला आनी संसकृती संचालनालयांत

आपलो वावर करून तांणी कोंकणी संसकृतायेचे उद्रगती खातीर आपली मोलादीक सेवा दिल्या. बार्तोलड ब्रेक्त हांगेलीं नाटकां, तशींच कांय गुज्राती नाटकां कोंकणींत भाशांतरीत करून तांणी कोंकणी भाशेचें बळगें वाडयलां. ह्या कोंकणी वावरा सांगाताच हात चालाकी, जादू कर्च्यांत आनी राज्य पांवड्यार जांवच्या कार्यावळींनी तांणी सूत्रसांचालन/ कार्यनिरवाहन केलां.

पयलें, एक सामान्य रितीन "निवळ काण्यो" हो तांचो कथा पुंजो पळेंव्या, मागीर एकोलयो काण्येचेर नियाळ करुंया.

२. FOCUS POINT IN THEIR LITERATURE/ Sh. Stories

**तांच्या साहित्याचो केंद्र बिंदू**

**ची.जयंती बाय आनी भोवजन समाज**

जयंती बायेच्या काण्यांचेर वा समग्र साहित्याचेर एक धांवती नदर घाल्यार आमकां रोकडेंच गमता, हिंदूं तशें क्रिसतांव भोवजन समाजाचेर तिणें भर दिल्या. तांच्या कश्टांचेर, तांचेर येंवच्या आकांताचेर, तांचें रडनें रुदान तिणें आपल्या सुंदर शैलींत उत्रायल्यात. भोवजन समाजात गोंयचो भोवमत (mचिरीoडीiणथी) लोक, जांच्या आर्थीक परिस्थितींत हळू हळू वाड जाल्ली आमकां पळेवंक मेळटा. उंचल्या जातींचें सोशन सोंसून आयिल्लो हो समाज आयज गोंयच्या सगळ्या मळार आपलो प्रभाव घालूंक सकला म्हळ्यार अतिताय जांवची ना. गोंयचो पयलो मुखेल मंत्री, दोतोर भाऊसाहेब बांडोदकारान ह्या समाजाक एक नवी दिशा दिली. जरी हो समाज आदीं आनी कांय मापान आतांय मराठी कडे आसा, जयंती बाय तसल्या साहित्यकारांक लागून कोंकणींत तशेंच हेर भासांनी आपले विचार उक्तांवक सकला. जयंती बायेच्या कथांनी खेरीतपणीं आमकां भोवजन समाजाची एक बदलपी स्थिती पळेवंक मेळटा. तिच्या काण्यांनी तांचीच बोली ती वापरता. तिच्या भुर्गेपणार तिचेर हेमा नायक आनी पुंडलीक नायकाचो साहित्यीक प्रभाव पडिल्लो म्हण ती मानता. गोंयच्या राजभास आंदोलनांत तिणें सक्रीय रितीन वांटो घेतिल्लो. गोंयच्या मराठी दिसाळें "राषट्रमत" जाचो तेंको कोंकणीक आसलो, हाचे कोंकणी पुरवणेंत तिचीं बर्पां आसतालीं.

**जयंती बायेच्यो कथा**

हांगा जयंती बायेच्यो सगळ्यो कथा घेवंक हांव वचना. फकत कांय वेंचीक कथा घेता आनी तांचें मोटव्यान विशलेशण करतां. सोशीत, पिडीत, कश्ट, दगदोवणी सोंस्पी लोक जयंती बायेच्या कथांनी प्रमूख पात्रां जावन आमकां पळेवंक मेळटात. खेरीतपणीं समाजांत भायरायिल्ले वा समाजाचे देगेर पडिल्ले मूळनिवाशी, जशे वेळीप, गावडे, धंगर, जे गोंयचे आनी कोंकणाचे मूळनिवाशी हांची काणी आनी जिणी आमकां तिच्या कथांनी होल्मलता. हो एक विशय जाल्यार दुस्रो विशय ती हाताळटा-

असतूऱ्यांचो समाजांत स्थान मान. मूळनिवाशी आनी असतुरी चड करून हांचेर आदारीत तिच्यो कथा आसात.

"नमन" आनी "बस्वो" ह्यो दोन कथा पळेंव्या. हांतूं जयंती बायेचो लोकवेदांचेर तिणें केल्लो अभ्यास आमकां झळकता. ह्या दोनूय कथांनी कश्टवतल्या वेळीप आनी थकर समुदायान समाजांत सोंसच्या त्रासा विशीं आमकां वाचूंक मेळटा. बस्वो काण्येची एक विशेशता आसा. जातीवादाचेर टिका करिनासताना एका समाजाची काणी, एका जामातेची जिण्ये काणी, जयंती बाय आमचे मुखार दवरता. हे कथेंत तिणें थकर जमातेचीच बोली वापरल्या. अंत्रुजी वा बामण भास वापरूंक ना. उत्रावळींत आनी काण्येचे शैलींत आमकां हेंच दिसता.

"अंवसर" कथेंत देवस्थानांत सकयल्या जातीच्या लोकांक रीग मेळचे विशीं तांचो संघर्श जयंती बाय वाचप्यां मुखार दवरता. पुर्तुगेजांच्या काळार उंचल्या जातीच्या लोकांनी देवस्थानांचेर आपलो ताबो घट केलो. ते म्हाजन जाले. पुर्तुगेज भास ते जाणा आसले. गावड्यांक तांच्याच देवळांनी रीग/ प्रवेश ना जालो. होच विशय "जैत" कथेंत तिणें चित्रायला. कुसता नांवाचो एक गावडो, परब नांवाच्या पस्रकार/ आंगडीगारा आड झुजता. पूण परब कपटेपणीं वकिलांक फटयता आनी ताचेच गावडे भाव ताचे आड रावतात. अंवसर आनी जैत कथांनी देवस्थांनी प्रवेश आनी मान मेळचे खातीर उंचल्या जाती आड सकयल्या जातीचे संघर्श तिणें व्यक्त केल्यात.

दुस्रो विशय **असतूऱ्यांचो/ स्त्रीयांचो**

बियांतूल, वज्रयो, फिल्मीन माना, आदिमायेचो आसत, रमा ह्या काण्यांनी असतूऱ्यांचो संघर्श तिणें उत्रायला. ह्या काण्यांनी पुरूश प्रधान समाजाचेर टिका करून तिणें असतूऱ्यांचो मान राखला. तिच्या दोतोरकीच्या प्रबंधांत तिणें सांगलां कशें, आऱ्यवंशाचो लोक हांगा येवचे आदीं थळाव्या जमातीं मदें आव्येक चड मान आशिल्लो. धर्तरी मांय आनी आव्ये मदलो तो खाशेलो संबंद तांच्या लोक जिण्येंत दिसतालो. "आदीमायेचो आसत" हे काण्येंत होच बदल तिणें चित्रायला. बियांतूल आनी फिल्मीनमाना ह्या दोन कथांनी क्रिसतांवां मदें भाटकार मुडकारां मदलो संघर्श तिणें भोव अपुरबायेन वाचप्यां मुखार दवरला. बियांतूल काण्येंत एल्सा आपल्या प्रेमी कडे लग्न जायना कारण तो वयल्या जातीचो. जिवीतभर ती आंकवार ऊरता. फिल्मीन माना काण्येंत एकलो भाटकार आपले मुंडकाराचे/ चाक्रनीचे धुवे कडे काजार/ लग्न जाता. पूण तो मर्तच ताचीं घर्चीं तिका फटोवन फिल्मीनाक मेळचें भाट आनी पयशे गिळटात. समानता पाचार्च्या क्रिसतांव धर्मांत सयत जाती कातीक लागून भेद जांवचे एक कोड्डू सत जयंती बायेन आमचे मुखार दवरलां.

b. निवळ काण्यो? **कथा संग्रह**

ह्या कथा पुंज्यांत वसंत बाबालें एक खाशेलेपण आमकां दिसता. पात्रांची भावना वाचप्यां मेरेन ते पाव्यतात. तांचे सूख दूख, आटे विटे, कश्ट दगद, खंती दुखी ते

पात्रांच्या उलोवण्यांत घालून वाचप्यांक आक्रशीत करूंक सकल्यात. फकत भावना न्हय, एक नवें वातावरण सयत ते घडोवंक सक्तात. जशें "काल्सांव" काण्येंत वाचप्यांत एक जात्रेचो अणभव ते दितात. आपलें पिंजिल्लें काल्सांव सांबाळीत केशवमाम कशें चायेच्या दुकाना थावन आपले आव्ये फाटल्यान चल्ता ते विशीं भोव सुंदर रितीन ताणें वर्णिलां. "डोलफी" काण्येंत वाचपी ट्युरिसट केनटिनांत पावता. थंयच्या पऱ्यटकां सांगाता काण्येचो मुखेल पात्र कसो वावुरता म्हळें सोबीत चिंत्रण आमकां हे कथेंत वाचूंक मेळटा. वाचप्याक काण्येंत ओडची तांक वसंत बाबा कडे आसा. तशेंच "खाम्सुत्री," "बंड", "आरे म्हाज्या पुता", "दंत्कथा", "पांयतणा", "भिरांकूळ" ह्या कथांनी आपले आगळे वेगळे शैलींतल्यान ताणें आपले विचार वाचप्यां मुखार दवरल्यात. कांय कथांनी एक क्रांती आसा. "गुरुदक्षणा" कथेंत B.Ed. कोलेजींत शिकपी टिचरांची विचारसरणी (iजeoटogथी), तांचें वागप लेखक वसंतबाब आमचे मुखार दवरता. आपल्या प्रिंसिपलाच्या पोल्यार थापट वाजोवपी आनी उपरांत मनांत खंतिसत जावन लेगीन संभ्रमीत रितीन संगळ्या वांगडा दबाजो कर्पी रमेश वाचप्याच्या मनाक पडटा. तशेंच "मर्णतेळणी" कथेंतलो बापायचेर मोग आसुनूय ताच्या मर्णाची वाट पळोवपी ताचो पूत मनाक चुर्चुरे हाडटा. व्यक्त तशेंत अव्यक्त कल्पनां वसंत बाबान आपल्या ह्या कथां पुंज्यांत आमचे मुखार दवरल्यात.

३. LITERARY ANALYSIS OF ZOIT & EKOLYO

जयंती बाय: **जैत**

जैत काण्येंत कुश्टा नांवाचो गावडो परब नांवाच्या दुकानदारा/ पस्रकारा कडे कशें झुजता आनी जैत आपणायता ते विशीं जयंती बायेन आमकां सांगलां. परब नांवाचो पस्रकार गांवच्या सकयले वर्गाच्या लोकांक कश्ट दितालो. कुश्टा तांकां एकठांय हाडटा. निती सभेक/ कोडतीक कायद्या पर्माणें नीत मेळचे खातीर वावुरता. पूण आपल्या दुडवांच्या बळान न्यायदिशाक पुटवून (पटोवन) ताणें ताका आपल्या बोल्सांत घालून जाल्लो. आतां गांवचो लोक कुश्टाच्या आड आशिल्लो. कुश्टो घरा येता आनी ताच्या घरा आशिल्ल्यो मुर्त्यो मोडटा. ताका दिसलें ताच्या देवांनी ताचो घात केल्लो. तरी आसताना आपणान जें कितें केल्लें तेंच जैत म्हण तो लेख्ता.

जयंती बायेच्या साहित्याचेर आनी विशेश करून तिच्या कथांचेर नदर घाल्ताना ती एक "स्त्रीवादी" feminist आनी "समतावादी"eg egalitarian कशी आमकां दिसूं येत. पूण तिच्या मुलाखतींनी/ संद्रशनांनी ती आपणाक मानवतावादी humanist म्हण लेख्ता. समाजांत बारीक चेंपिल्ल्या लोकांक सयत स्थान मान मेळूंक जाय म्हळ्ळें चिंतप तिच्या कथांनी आमकां दिसता. अशें करताना धर्मांत, खेरीत रितीन तिचे भोंवतणी आसचे हिंदू आनी क्रिसतांव समाजांत कसलोच भेद करिनासताना त्याच समाजाच्या लोकां मदें जांवच्या भेदभावा विशीं आपल्या कथांनी ती टिका करता. आपल्या लोकवेदाचो अभ्यास तिच्या कथांनी बरोच झळकता. जयंती बाय खरेपणीं साद्या भोळ्या लोकांची कथाकार. कश्टा नश्टांत सयत आमी आमचेर विस्वास दवरून आमचे कश्ट निवारूंक जातात म्हळ्ळो भरवसो ती आमकां दिता.

वसंत सावंत: **एकोलयो**

आजच्या ह्या कथापाठा खातीर तांची "एकोलयो काणी घेतां.

एकोलयो ही एका रानदुकराची काणी. पूण म्हाड्डो नांवाच्या शिकाऱ्याक ताचीं गांच आसा. एकोलयो, एकलो एकटो एक्सुरो एक रानदुकर, गोंयांत तांकां एकांडोय म्हणटात. आपल्या नांवा पर्माणें एक मोटो मासाळ रानदुकर. ताचो शिकार कर्पी म्हाड्डोय तसोच एकलो एक्सुरो. ल्हान आसताना ताच्या बापायन आपले बायलेक जिवेशीं मारून तो पळून गेल्लो. एका "खुनीचो पूत" म्हळ्ळें नांव म्हाड्डोक मेळ्ळें. जिवान बळिश्ट तरी सभावान रागिश्ट आशिल्लो म्हाड्डो चली आनी बायलां थावन पयसूच रावतालो. तांकां पळेतानाच ताका तांचेर शीण येतालो. गांवच्यो चल्यो आनी बायलो सयत ताचे थावन पयसूच रावताल्यो. अशें आसताना, बाबुली नांवाच्या ताच्या एकल्या सांगात्याक एकोलयो रानदुकर घायाळ करता आनी ताका अर्दोमरो सोडटा. म्हाड्डो चाळवता आनी त्या रानदुकराक फारान मारूंक निचेव करता. एकामेका मुखामुखीं येताना म्हाड्डोक एकोलयो रानदुकरांत आपणाचेंच रूप दिसता.

**वसंतबाबालीं उत्रां जशाक तशीं तशीं हांव हांगा दितां:**

{म्हाड्डो एकोलयाक पळयत उरलो. थंय फोंडाचेर आसा तो रानदुकर न्हय, तर खासा आपुणूच अशें ताका खीणभर दिसलें. हो तो एकोलयो... म्हजे भशेनूच भुर्गेपणा सावन एक्मुळो (एक्सुरो) वाडला... म्हजे भशेनूच मेळटा तें खावन जियेला आनी म्हजे भशेनूच बायलेक आशेला.. आर्माच्या चापार आशिल्लें ताचें बोट हाल्लेंच ना.}

म्हाड्ड्याक एके रितीचें आपलेपण दिसता. ताच्याच जिविताचेर तो नियाळूंक लाग्ता. ग्रामीण भागांत जियेवपी मनशां मदें अशें जांवचें सभावीक. धर्तरी आनी मोनजातीच्या गोपांत तीं जियेतात. हे काण्येच्या हेर पात्रांचेर नदर घाल्ताना तांची जिण्ये शैली, तांचे संघर्श आमकां होल्मलतात. वसंत बाबान आपले लिखणे वर्वी वाचप्यांत तांचे सांगाता जियेंवचें एक दर्शन आमकां दिलां.

४. CONCLUSION **सोंपणी**

जयंती बाय आनी वसंत सावंताच्या काण्यांनी बारीक चेंपिल्ल्या समाजाचो उल्लेख, तांचे आटे विटे, ताची जिण्ये शैली ह्या तांच्या कथांनी पळेवंक मेळटा. असलें अधीन साहित्य कोंकणींत भोव गर्जेचें. इंगलेजांत हाका sub-altern perspective म्हणटात. हें खूब गर्जेचें, सत पुर्तेपणीं समजूंक. पयर विश्व कोंकणी केंद्राच्या जाळीजाग्यार बाळाजी शणैचें "history of Goa through archival resources' हाचेर कांय कडे भासाभास जाली. पयलो सर्दार कृषणा शणै, पुर्तुगेजांचो खास मनीस आसलो. ताणें कित्याक पुर्तुगेजां आड झुजून तांकां भायर गाले ना. ताचे परींच हेरूय आशिल्ले जे पुर्तुगेजांक आधार दिताले, तुकाजी शणै, रामोजी शणै, रमा कामती, जिवबा केर्कार, आनी हेर. आतां आख्खें चित्रण आमकां बाळाजी दिता. ना जाल्यार आमी चिंतचें

फकत पुर्तुगेजांनी आपल्या बळान गोंयचेर इतलीं वर्सां राज केलें. आतां कळटा, थळाव्या लोकांचोय तांकां बरो पाटिंबो/ तेंको आसलो. हो Elite वर्ग.

आतां बारीक समाज घेंव्या. तांच्या कथां वर्वी तांच्या समाजाची ओळोक संवसारभर जाता. कोंकणी लोका मदें गावडी, कुणबी, वेळीप, रेंदेर, गाबीत, खार्वी, म्हार, गुरव, धंगर-गवळी, देवली, बावीण समाजाचो कोंकणी लोक आजुनूय कश्ट सोंसून आसा. वसंतबाब आनी जयंती बायेच्यो कथा फकत एक कथा न्हय. तांची व्यथा आमचे मुखार दवरता. ती वाचून समाजांत एक क्रांती हाडूंक आमकां प्रेरीत करता.

*** ooo ***

# कोंकणी काणियांनी सांकोव रचला



इंगलीष साहित्य अध्ययन करच्या विद्यार्थिंक 'कोफी हौस' म्हळ्ळो सब्द परिचीत. ह्या कोफी हौस म्हळ्ळ्या ल्हान दुकानांक आनी इंगलीष साहित्याक, यूरोपाच्या विवीध राषट्रांनी जाल्ल्ये क्रांतीक लागशिलो गांच आसा. विवीध नामणेच्या साहितिंनी तांच्या बरपांक ह्या कोफी हौसांनी जाल्लें संभाषण प्रेरण जावन घेतल्लें आसा. ह्या जाग्यार राजकीय गजालिंविशीं गंभीर चरचा चल्ताली. दिस्पडती खबर जाणा जांवच्याक उपकारचीं दिसाळीं पत्रां तशें नेमाळीं थंयसर वाचुंक मेळतालीं. ताचे प्रास चडीत हो जागो विचार-विनिमय आनी चरचा चलंवची सुवात जाल्ली. क्रांतिकारी चिंत्पाचें किटाळ हांगासर रूप घेतालें. हांगासर बरयणारांनी तांच्या बरपाचें किटाळ सोधल्लें आसा. तीन कथापाठ शिंकळ्यो संपवन, कथेंच्या तुलनात्मक अध्ययनाचीं बरपां 'कथाविहान' रुपार पर्गट जाताना, तीन वरसांनी कोंकणी कथेंविशीं कांय थोडी चरचा, अध्ययन, विचार मंडन करुंक वेदी रचून दिल्ल्ये कथापाठ शिंकळेक हांव कोंकणी कथा मोगिंचें 'कोफी हौस' अशें वोलायतां.

पाटल्या तीन वरसांनी तीन कथापाठ शिंकळ्यो सादर जाल्यात. कोंकणी कथेंविशीं अध्ययन करुंक एक सूक्त वेदी ना, अवकास ना म्हळ्ळी खंत धोसताना, वल्ली क्काड्रसान 'कथापाठ' अध्ययनाक परत जीव दिलो. लगबग वीस वरसां आदीं दायज डोटकोम मुखांत्र असलें एक प्रेतन ताणें पयलेंच केल्ल्यान, ताका नवें रूप दीवन, कोंकणी कथेंचेर आसक्त आसल्ल्यांक सांगाता घालुंक ताणें खूब म्हिनत घेतली. मंगळूर, मुंबय, गोंय, केरळ आनी परगांवांत आसल्ल्यांचो संपरक करून ह्या कोंकणी कथा अध्ययनाक बुन्याद घाली. हाचो फळ जावन बरयणार, साहितीक साधक तशें साहित्याचे विद्यार्थी राज्य, प्रांत, लिपी, जात, बोली म्हळ्ळे दोरे उत्रोन सांगाता आयले. गंभीर अध्ययन निरंतर चल्लें. तांतलें कांय थोडें सांगाता घालून 'कथाविहान' तयार जालें. कोंकणी कथेंच्या अध्ययना उदेशीं हें प्रेतन एक देणगी जावन ऊरतेलें म्हळ्ळी आमची पात्येणी.

कथापाठाच्ये सूरिवल्ये शिंकळेंत विवीध प्रकारांच्या कोंकणी कथेंचेर मुळावी समजणी जोडली तर, दूसऱ्ये शिंकळेंत विलफी रेबिंबसाच्यो कथा अध्ययन केल्यो. तीसऱ्ये शिंकळेंत समकालीन बरयणारांच्या कथेंचेर तुलनात्मक अध्ययन करून, गुंडायेची जाण्वाय जोडली.

शिंकळ आरंभ जाल्लेंच हरेका सन्वारा वा आयतारा सांजेची 'कोफी' पियेवन वेबिनाराक हाजर जाताना, 'कोफी हौसाक' भेट दिल्लो अनभोग जातालो. हरेक वेबिनार संपयताना, कितेंगी नवें शिकोंक मेळ्ळें म्हळ्ळीं दादोसकायेचीं भोगणां. कांय केदनां 'छे, ही काणी पयलेंच वाचिल्ली तर!' म्हळ्ळे चूरचुरे.

कथापाठांत आमी कितें साधन केलें? हें सवाल वाजबी. एदोळ परयांत आमी भद्र सांबाळन दवरल्ले राज्य, प्रांत, लिपी, बोली म्हळ्ळे दोरे कोसळोन पडले. कोंकणी साहित्या उदेशीं आमी जाणा जायजे जाल्लें आनी आमी हेरांक सांगाजे जाल्लें जायतें आसा म्हळ्ळो विशाल मनोभाव वाडलो. गोंय, मंगळूर, मुंबय मुळांच्या बरयणारांची जाली वळक, तांचेद्वारीं जाली थंयच्या ग्रेसत साहित्याची झळक. अपरूप कांय थोडे सब्द समजाले नांत तरी, आमी सक्कड कोंकणी मायेचीं बाळां म्हळ्ळें चिंतप स्पषट आसताना, आडकळ उत्रोन फुडें वचुंक साध्य जालें. आदीं वाचल्ल्यो काणियो परत उडासाक हाडन ताचो नवो अर्थ सोधुंक आवकास लाबलो. अध्ययनकारांनी तांचे बराबर आमचियी जाण्वाय वाडवंक घेतल्ली म्हिनत होगळिकेक फावो जाल्ली.

कथापाठ द्वारीं 'कोंकणी साहित्यांत अध्ययनात्मक चिंतप ना जालां' म्हळ्ळो अपवाद नपंयच जालो. संसारभर शिंपडोन गेल्ल्यांक सांगाता हाडुंक असाध्य म्हळ्ळें भोगाप, कोवीड काळाच्या डिजिटल वेदीन बदलून सोडलें. हेरांक समजंवचे खातीर आमचें खाशेलेंपण, बोली आनी अस्मिताय सांडची गरज ना म्हण रुजू जालें. मुकल्या दिसांनी कोंकणी कथेंच्या मळार जायतें साधन करुंक आवकास आसा म्हळ्ळेंय समजालें. एकामेका थावन जाण्वाय जोडून चडीत ऊरबेन उंचलें साहित्य रचुंक प्रेरण जोडलें. बिझी जिविता मधें तयारायेच्या निबान इल्लें इल्लें वाचुंक मन केलें. अध्ययन केल्लें मुकल्ये संततेक उपकाराचें जायजे म्हळ्ळे खातीर तें डिजिटल रुपार जोगासाणेन सांबाळुंक साध्य जालें. साहित्याच्या विद्यार्थिंक हें खरेंच एक दीरवें.

अध्ययन अकाडेमीक रितिचें वा साद्या उत्रांनी विवरिल्लें, थोड्यो विंचणार काणियो विंचून केल्लें वा एक कथासंकलन घेवन केल्लें, तें खरयान उपकाराचें जालां. कथापाठांत कोंकणी कथेंचेर चलल्लें अध्ययन दरयांतलो एक थेंबो उदक आस्येत, पूण ताचेविणें कोंकणी साहित्य म्हळ्ळो दरयो अधुरो म्हण धयरान उचारतां. अध्ययना खातीर खूब देणगी दिल्ल्या सरवांक आनी आमकां सांगाता हाडल्लो सूत्रधारी वल्ली क्वाड्रसाक धिन्वास. आमी एकामेका थावन पयस आसल्यारी, कोंकणी कथेंच्या नांवान घडली आमचे मधली मिलागत आनी वाडोन आयली साहितीक इषटागत. देकून हांव म्हणता, कथापाठ आमचे मधलो सांकोव. कोंकणिच्या नांवान आमी सरव एक म्हळ्ळें भोगाप आमचें जांवच्याक आधार दिल्ल्या कथापाठाक म्हजे हजार सलाम!

**- मा|रोयसन फेर्नांडीस**
संपादक, उज्वाड पंद्राळें

# आशावादी प्रकाशन

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे